नाट्यचंवर

मंगल नाडकर्णी



1048
D8:D2?
MAN

नाटकुलीं

- अमेरिकन भावज
- आयलो मोबायल
- काळो देंवचार
- हाका वाज येता
- चक्रम सिंहाचो न्याय
- व्हनिबाय मुंबय वता
- अंदू मेट्रिकेक मगो तू ?
- अविचाराचो परिणाम
- वेचणुकेची सभा
- फालतू ट्रॅव्हल्स

L:B01 - R01 (Dev.A)

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
2737
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

नाट्यचंवर

एकांकी संग्रह

अमेरिकन भावज
आयलो मोबायल
वेंचणुकेची सभा
म्हाका वाज येता
फाल्तु ट्रॅव्हल्स
अंदू मॅट्रिकेक मगो तू?
काळो देंवचार
व्हनीबाय मुंबय वता
चक्रमासिंगाचो न्याय
अविचाराचो परिणाम

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
2737
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

- मंगल नाडकर्णी

अपुर्व पब्लिकेशन ॲन्ड डिस्ट्रिब्युटर्स

Natyachanvar
By Mangal Nadkarni

© मंगल नाडकर्णी

प्रकाशक :
अपूर्व पब्लिकेशन ॲन्ड डिस्ट्रिब्युटर्स
सावयवेरें, फोंडें गोंय

मुखचित्र :
बी. डी. धुरी

छापपी :
सह्याद्री ऑफसेट सिस्टम्स
खोर्ली ,
तिसवाडी - गोंय.

अक्षर जुळोवणी :
शारदा कॉम्प्युटर्स
माशेल -गोंय

पयली उजवाडावणी : फेब्रुवारी 2006

मोल : 60 रूपया

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादमीच्या 'पयलो चंवर' अर्थीक पालव येवजणेखाला छापलां.

WORLD KONKANI ... विश्व कोंकणी ...
2737
1048
Dr. Dev
MAN

अभिनयाचो मातपसून
अणभव नासतनाय
आपल्या सुंदर अभिनयान म्हजीं
नाटकुलीं रंगयली, सोबयली,
त्या म्हजे शाळेच्या सगळ्या
विद्यार्थी - विद्यार्थिनीक
मायेमोगान

मंगल नाडकर्णी

मनोगत

मुळांत हांव एक शिक्षिका ३६ वर्सां शिकोवपाचें काम केलें. तातलीं निमणी ३१ वर
(१९७१ ते २००२) दोनपावलाच्या अवरलेडी ऑफ-द-रोझरी हायस्कूल, नावाच्या एफ्. एफ्
एम् (फ्रांसिस्कन मिशनरीज ऑफ मेरी) च्या माद्रीनीं चलयिल्ल्या शाळेंत शिकयलें. ह्या वर्सांच्य
काळात गॅदरिंगाच्या आनी हेर कार्यावळींच्या निमतान हांवें २५/३० नाटकां बरयलीं आनी सादर
केलीं ती कोंकणी, हिन्दी आनी मराठी अशा तिनय भाशानी आसली. तांतूतल्या १० कोंकर्ण
नाटकांचो ह्या पुस्तकांत आस्पाव केला.

अवर लेडी ऑफ द रोझरी हायस्कूल ही शाळा मुळांत माद्रीनी दोनापावलाच्या थळाव्य
लोकांखातीर सुरू केल्ली. हांव शाळेत शिकोवक लागलें त्या तेंपार शाळेच्या पालकामदीं अशिक्षित
वा सामके अल्पशिक्षित अशेच पालक चड आशिल्ले. तांका कोंकणी सोडल्यार हेर खंयची भास
तितली बरी कळनाशिल्ली. हाका लागून गॅदरिंगाच्या वेळार हेर कार्यावळीं बरोबर कोकणी कार्यावळ
आसूंक जाय. इंग्लेजीबरोबर एक कोंकणी नाटकय आसूंक जाय अशें सगळ्यांक दिसतालें. म्हणटकीच
आपसुकच प्रत्येक वर्सा गॅदरिंगाक कोंकणी नाटक बरोवपाची जापसालदारकी म्हजेर पडली. ३०-
३२ वर्सांपैकी खाशेली भुरग्यांखातीर बरयिल्ली कोंकणी नाटकां नाशिल्ली. आनी गॅदरिंगाक नाटक
तर तयार आसूंक जाय. अशा अडचणीतल्यान वाट काडपाचो उपाय एकच आसलो. हावें स्वतः
नाटक बरोवप. अशा तरेन म्हज्या शिक्षकी जिणेच्या३६ वर्सांत हावें २५/३० नाटकां बरयलीं
आनी सादर केली.

भुरग्यांली नाटकुलीं म्हणटकीच तातून अतिताय, स्वपनातली सृष्ट, गौडबंगाल वा जादू
म्हणू येत अशें प्रसंग वा कथा आसूं येता. पुण तसल्यो घडणुको भुरग्यांल्या खरेले जिणेंत घडनात,
देखून ते विशय म्हाका चडशे भावलेनात. नाटकांचो मुखेल हेत मनोरंजन करप हो आसलो तरी
पुसून मनोरंजनाबरोबर भुरग्यांक बरी देख मेळूंक जाय, तांची नीत आनी चलणूक सुदारूंक जाय,
तांका बऱ्यो संवयी लागूक जाय अशी जाणविकाय जावंक लागली. इतलेंच न्हंय तर भुरग्यांकच न्हंय
तर तांच्या आवय-बापायकय कितें तरी नवे शिकूक मेळचें, तांकाय देख मेळची अशें विशय म्हजें
शिक्षिकेचें मन सोदूंक लागलें. मनोरंजनातल्यान केल्लो उपदेश वा दिल्ल्या शिकवणीचो परिणाम
चड सोपेपणान जाता आनी पळोवपी लोक तो हासत-खेळत पचयतात, आपणायतात हें आमी
जाणात, म्हणूनच म्हजी नाटकां बालक, पालक आनी चालक ह्या सगळ्यांचे प्रबोधन जायत अशी
जांवक लागली.

नाटकां बरोवपाची संवय नाशिल्ल्यान सुर्वेक हावें लोककथाचेर आदारीत नाटकां बरयलीं,
खंयय कितेंय वाचिल्लें वा पळयिल्लें ताचे आदारान बरयली. देखीक, चित्रगुप्ताचो न्याय, व्हनिबाय
मुंबय वता बी. पुण जशी भुरग्यांची जीण बदलत गेली, तांच्यो आवडी, तांचे विचार, तांच्यो गरजो

बदलूंक लागल्यो तशे नाटकाचे विशयय बदलत गेले. आनी भुरग्यांल्या आवती-भोंवती जे वातावरण आसा त्याप्रमाण जांवक लागले. नाटकात घडटा तशेंच तांच्या जिणेंतय तांका घडटा तें पळोवंक मेळिल्ल्यान तें तांका चड आवडूंक लागलें, पटूंक लागले. भुरग्या त्या नाटकानी रमूंक लागली.

ह्या नाटकुल्यांनी वांटो घेवपी भुरग्यां पाचवी ते धावी वर्गाची आसताली. तांतूतली चडशी भुरग्या घरात जरी कोंकणी उलयताली तरीय तांचे मुळावें शिकप इंग्लीश माध्यमातल्यान जाल्ल्यान घोळटेंत नाशिल्लो मात्सो वेगळो शब्द उच्चारप आनी समजपय तांका कठीण पडटालें. देखून नाटकुल्यांची भास तांका कळत, आवडत आनी सोपेपणान पाठ करूंक जायत अशी आसची पडटाली. शाळेची नाटकां उण्यात उणे वेळात बसोवन जायत आनी उण्यात उणे खर्चात जायत अशी आंसची पडटात. फॅन्सी आनी व्हडलें, जड फर्निचर उंची आनी तरेकवारपड्डे वा मनभुलावपी माचयेची सजावट हांचो सरंजामय उपकरना. गॅदरिंगाक नाच, पदां, वाद्यां वाजवप, नाट्यछटा, नाटकां अशी तरेकवार कार्यावळ आसता देखून नाटकाक चडात चड अर्दवर बी मेळटा हेंय मतीत दवरचे पडटालें

विशय, भास, वेळ आनी हेर जायती बंधना घालून घेवन पुसून बरयिल्ली ही नाटकां पळोवप्यांक खूब भावलीं. म्हज्या शाळेच्या पालकांक जशी ती भावली, तांचे मनोरंजन जालें, ताच्याच बरोबर बरी देखय मेळली अशा ह्या नाटकांचो लाव हेरांकय मेळचो हो हेत मनात धरून अंती ती हावें छापची थारायली 'गोंय कोंकणी अकादमीन ती पयलो चंवर' ह्या येवजणेखाला छापपाखातीर वेंचून काडलीं आनी ती उजवाडावपाची संद दिली ह्याखातीर कोंकणी अकादमीचे आनी तांच्या परीक्षकांचेय उपकार मानतां. ह्या पुस्तकाच्या कामानिमतान आयिल्ल्या संबंधावेळार कोकणी अकादमीचे अध्यक्ष श्री. पुंडलिक नायक आनी लोकवेदाच्यो संशोक्षिका बाय जयंती नायक हाणी दाखयिल्ले अगत्य आनी दिल्लो आदार हांव विसरूंक शकना.

नाटकुलीं बरयतास्तना म्हज्या शाळेच्या कांय शिक्षकानी केल्यो सुचोवण्यो, नाटकां बरोवपाचो आग्रो म्हाका सदांच याद उरतलो. तांच्या मोगाळ आग्र्याक लागूनच हांवे कांय नाटका बरयली. 'अमेरिकन भावज' ह्या नाटकाचो विशय पुसून म्हज्याच बरोबर जायती वर्सां त्याच शाळेंत शिकोवपी शिक्षिका लिना पै हिणे सुचयलो. सुर्वेक कांय वर्सां पयलीं आमच्या शाळेंत शिकोवपी सर्गेस्त भाग्यदेवी (भागी) कारापुरकर हिचोय पालव म्हाका मेळ्ळो.

कोंकणीत खाशेली भुरग्यांखातीर बरयिल्ली चडशी नाटकां मेळनात. तू ही नाटका छाप अशे कितलेशेच पालक म्हज्यो इश्टिणी आनी म्हजी लागची सोयरींय म्हाका सांगतालीं. पुण आपल्या नावार पुस्तक छापपा इतली हांवें व्हड लेखिका न्हंय अशा भिडेक लागून हांवे ही सुचोवणी काना-मनार घेतली नाशिल्ली. आता तांच्या उतराचो मान राखिल्ल्याचें समाधान मेळटा. तशेंच मूळ गोंयची पुण लग्न जावन फाटलीं जायती वर्सां मुंबय स्थायिक जाल्ली म्हजी इश्टिण आनी गोयांत

कोंकणी भाशेच्या मळार मात्शें खट्-खुट् जाल्यारपुसून ताजो साद रोखडोच मुंबय आयकुपी नामनेची कोंकणी लेखिका शीला कोळंबकर. ताणेय पुस्तक छापून येवचें म्हण तांकता तसो यत्न केलो. हांवे बरोवन सादर केल्ली नाटकां आवडून ती छाप म्हण फाटीक लागपी म्हजो भावोजी श्री. दत्ता श्री. नायक हाणीं ती नाटकां हांव छापूक सोदतां हें कळटकीच त्या पुस्तकाक बरो प्रकाशक मेळून दिवन पुस्तकाक देखणे रूप प्राप्त जावचें म्हण जाता तितलो यत्न केलो. सगळ्यात म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार ताणी हें सगळें आपुण जावन केलें. हावें कांयच सांग नास्तना म्हजी गरज वळखून म्हाका पालव दिलो.

'पयलो चंवर' ह्या येवजणेखाला प्रकाशित केल्ल्या पुस्तकाच्या छापा वळीतल्यान धंद्याच्या नदरेन पळयल्यार व्हडलोसो फायदो जायना ही गजाल बरेभशेन खबर आसून पुसून ह्या पुस्तकाचे प्रकाशक श्री. संजीव वेरेंकार हाणी मातपुसून अनमननास्तना म्हजें पुस्तक छापपाची तयारी दाखयली हाजें माका अजापय दिसलें आनी कौतुकय दिसलें. देवान ताका तांच्या ह्या उपक्रमात यश दिवचें ही मागणी करतां.

मंगला नाडकर्णी

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001048

अमेरिकन भावज

(शंकरबाब बाजारातल्यान सामान घेवन सामको पुरो जावन येता. हातांत जड सामानान भरिल्ली पिशवी. घाम पुसत सोफार बसता.)

शंकरबाब : हो अमेरिकेच्यान येता तो मेवणो? काय जीव घेवणो, तेंच कळना. (आपलेच पांय दोनय हातानी चेपता.) आवयस! पांय पुसून उसळूंक लागले. चार म्हयने जाले, घरात तयारी चल्ल्या. (भितर पळोवन) आयकलां? हें सामान मात्शें भितर व्हर. चे! हिका आनी आयकूंक येता? आपलो भाव अमेरिकन बायलेक घेवन पयल्याच फावटीं घरा येता म्हण हिजे कानय जाग्यार नात, आनी मनय थाऱ्यार ना. (पेपेर घेवन वारें घेता) (इतल्यांन उमाबाय भायर येता.)

उमाबाय : आवय, आवय? बाजारातल्यान सामान हाडून भितर दिवचें सांणून तुमी सुशेगाद हांगा बसून रावल्यात? हांव कितलो वेळ जालो, भितर वाट पळयतां. राजेश आनी बायल येवपाचो वेळ जालो. आता आनी वेळ उल्ला?

शंकरबाब : म्हाका वतांतल्यान येतकीच सामकें पुरो जाल्लें. हावें तुका उलो माल्लो. पुण हालीं तुजे कानय जाग्यार नासतात. आनी मनय थाऱ्यार नासता, ताका हांव कितें करूं?

उमाबाय : कळटात, म्हाका तुमचे थोमणे कळटात. तातूंत इतलें अजाप दिसपासारखे कितें आसा? म्हजो एकलो एकसुरो भाव आपल्या अमेरिकन भावजेक घेवन पयल्याच फावटीं येता. केन्ना काय तांका मेळन अशें जालां. बरें तें आसूं. हावें लिस्टात बरोवन दिल्लें सगळे सामान यादीन हाडलां मू?

शंकरबाब : (लोकांक) हाडना जाल्यार आनी माणसुकी आसा? पुण, म्हाका एक सांग. तुवे लिस्टात सगळ्यो भाज्यो इल्ल्योशो कित्याक हाडूंक सांगल्यो? सत्यनारायणाचोः निवेद्य वाडटात तसो भाजयेचो निवेद्य वाडटली काय कितें? तू म्हजी लज काडुंक उठल्या?

उमाबाय : हे आनी बाये कितें विचारप? हांव त्यो भाजयो घालून एक नवी डिश करतलें.

शंकरबाब : आगे, परकी लोक येतात तेन्ना असले हे नवे प्रयोग करचे न्हंय. तुका कितें बरें करूंक जमता तेंच जेवण कर.

उमाबाय : तुमी वोगीच कित्याक भितात? ही डिश हांव तयार करची ना.

शंकरबाब : तू करची ना? जाल्यार आनीक कोण करतलो?

उमाबाय : कोणाक सांगप ना हां? म्हजो एक बॉयफ्रेंड आसा. तो करतलो.

शंकरबाब : (कच्च करून आंग काडिल्लेवरी) कितें? तुका बॉयफ्रेंड आसा? आनी तू हें म्हाका आता सांगता.

उमाबाय : अशें कच्च करून आंग काडपासारखे कितें आसा? म्हजी मैत्रीण विमल आसा न्हय? ताजो भाव हॉटेलात शेफ आसा. म्हणटकीच तोय म्हजो फ्रेंड आसा. आता तो बॉय. म्हणून बॉयफ्रेंड, तो म्हाका करून दितलो.

शंकरबाब : आं, विमलाचो भाव तुजो बॉयफ्रेंड? (लोकांक) बरी मेळ्ळी ताका गर्लफ्रेंड.

उमाबाय : पुण तुमी सोयऱ्यांक बी हें सांगनाकात आं? डिश हावेंच केल्या म्हण सांगतलें.

शंकरबाब : पुण, अशें फट कित्याक सांगपाचें?

उमाबाय : इतलेंय तुमकां कशें समजना? म्हज्या भावजेक दिसूंक नाका आपली नणंदय मॉडर्न आसा म्हण? ना जाल्यार लज न्हय राजेशाक?

शंकरबाब : पुण इतली मॉडर्न डिश कसली करतली तू?

उमाबाय : ती? कितें म्हणटात ताका? आं. चायनीज आं जाव-जाव.

शंकरबाब : कितें? चायनीज जाव-जाव? ही आनी कसली नवी डिश? (लोकांक) एकेवटेन अमेरिकन आव-आव आनी दुसरेवटेन चायनीज जाव-जाव काय कितें?

उमाबाय : तुमका याद जाता? आमगेले आरतीन एक फावट मोठ्या शेवयांच्या सांज्यांत भाजयो घालून केल्ली हॉटेलातल्यान एक डिश हाडिल्ली? आनी ताका ती इतली बरी लागली की, ताणे बशी पुसून चाटून खाल्ली. याद जाली?

शंकरबाब : आगे, बाये तिका चायनीज चाव-चाव म्हणटात.

उमाबाय : हय.हय तीच ती. चायनीज चाव-चाव करतलें हांव. तें आं म्हाका एक सांगात पळोवया? हांवे लिस्टात बरयिल्ली ती लेडी फिंगर बी सारकी बरी पळोवन हाटल्या मू?

शंकरबाब : आगे, आगे, कितें उलयता तूं? लोक आयकतात मगे!

उमाबाय : तुमकां एक वायट संवय लागल्या. हाली हांव कितेंय उलयतलें काय कच्च करून आंग काडिल्याभशेन करतात. म्हज्या राजूक लेडी फींगर आनी सुंगटां

घालून केल्लें तोंडाक खुब्ब आवडटा. लेडी फींगर म्हणटात ती बरी तन्नी आसूंक जाय. जून आसल्यार भायर उडोवची पडटा. इतलेंय कळना?

शंकरबाब : आरे देवा. भेंडे गे? आगे सायबिणी ताका लेडी फिंगर म्हणटात.

उमाबाय : तेच्च तें. फिगर कितें आनी फिंगर कितें? एकच तें. म्हजे इत्लें खंय चुकता काय वाट पळयत आसतात हालीं. (भाजयेची पिशवी घेवन वचूक लागता) हांव चल्लीं. म्हाका हजार कामां आसात. (मात्शी फुडें वचून परती येता) आनी हें पळयात. तीं येवचीं जाली. मात्शे तोंड बी धुवन फ्रेशप जायात. सामके झेंप्याभशेन बसून रावनाकात. हांवय बेग्गीन तयारी करतां.

शकंरबाब : पळयलें? आता अमेरिकेतल्यान भाव येता म्हणटकीच घोव झेंपो दिसूक लागलो. माणसुकी ना रे बाबा! आनी लोकांमुखार लज काडून घेवचे परस तोंड धुवन आयिल्लो बरो. (भितर वता. तुवाल्यान तोंड पुसत परत भायर येवन पेपर वाचूंक लागता.

उमाबाय : (भितरल्यान लाब ड्रेस घालून येता) आयकलां?(घोवान आयकूंक नातें पळोवन) एक फावट पेपरांत तोंड घालें काय कांयच आयकूंक येना (मोठ्यान) आयकलां?

शंकरबाब : (पेपर वाचता वाचताच) आता आनी कितें उल्लां?

उमाबाय : हें पळयात, हो म्हजो ड्रेस भावजेक सारको मॅच जातलो, न्हंय?

शंकरबाब : पूण आगे, हें कितें घाला तुवें? शी. शी. शी. शी! म्हजी सामकी लज काडूंक उटल्या तूं? आगे तुजें वय कितें? तू भुल्लुसूंक बी ना मगे?

उमाबाय : भुल्लुसल्यार अजाप? (लोकांक मोठ्या उमेदीन) म्हजो एकलो एकसुरोच भाव राजू आपल्या अमेरिकन बायलेक घेवन पयल्याच फावटीं येता.

शंकरबाब : पूण म्हणून कितें जालें? ह्या वयांत इतलें भुल्लुसप सोबता तुका? पयलीं साडी न्हेसून यो.

उमाबाय : जाणां, जाणां सगळें कळटा म्हाका. म्हजो भाव पांच वर्सांनी येता. ताजे कांयच कौतुक ना तुमकां. तुमचे भावा-भयणी भशेन वर्साक पांच वेळा येना.

शंकरबाब : कितें म्हळें? (लोकांक) पळयलें? ह्या दिसांनी हिजेकडेन उलोवपाची मातपुसून माणसुकी ना.

उमाबाय : (लोकांक) पावसात गोंयची अळंमी खावपाची रूच आयली म्हणून आयली गोयांत. दिवाळेकडेन गोंयचे ताज्ने फडफडीत बांगडे खावपाची रूच आयली,

आयलीं गोयांत. मायाचे सुटयेत गोंयचे आंबे, पणस खावपाची रूच येता म्हण आयली गोंयात. भुरगी अजून ल्हान आसात माल्लीं खांकेक आयलीं गोयांत.

शंकरबाब : आगे, तुजे हातचें जेवण बरें लागता म्हण मुद्दम येतात तीं.

उमाबाय : आयतें मेळटकीच कोणाक बरें लागना?

शंकरबाब : आवयस्! वतात भोवन पयलींच तकली उसळटाली. ताजेर हें शेर्मांव. हें पळय, मात्शी कडकडीत शी च्या करून हाड पळोवया!

उमाबाय : हाडटां हाडटां म्हाका हांगाच्यान धांवडांवक आनी कांय निमित्त मेळूना दिसता. (फडफडत वता)

शंकरबाब : ह्या दिसांनी अशी सुंगट कशी पिटपिट्टा. चार म्हयने जाले. अमेरिकेंच्यान भाव येतलो म्हण कळिल्याक घरात खवदळ चल्ला. एक एक करून भायलें सगळें फर्नीचर बदललें. नव्यो खाटो करूंक लायल्यो. मान्नेंतर फोऽऽडून मोऽऽडून उडयले. आनी मान्न्यांत तो किते म्हणटात तो बाथ-टब काय कितें म्हणटात तो बसयला. हांव जोड-जोड जोडटां आनी ही मोड - मोड मोडटा. हांव म्हणटां, त्या टबांत म्हण न्हावपाची माणसुकी आसा? आपूणच न्हाल्ले म्हेळे उदकांत परत न्हावप? शिव, शिव! इतलेंच न्हंय! हांव काय बरें पूडवें न्हेसतालों. पेंट घाल म्हण जीव खालो! कितें सांगू तुमकां? पयल्या फावटी पँट घाली जाल्यार कितें सांगतलो? दोनय पांय बांदून घाल्याभशेन जालें. बरें तितल्यांन सोपलां? आपूण णव वारी न्हेसताली ते सोडून पाच वारी न्हेसूंक लागली. तें सगळें सोंसलें हांवें. हें सगळे उणे पडलें आनी आज हे अकस्मात आंगलें घालां. देवा, हिची दशा पळोंव नज रे बाबा!

हाच्या फुडली काणी आयकतले? त्या दिसा कांट्याचमच्या जेवंक लागली. कितें सांगतलो दुर्दशा? कांटो जिबेक तोपून रक्तबंबाळ! हांव म्हणटां,अशी जिवाची विटंबना करून घेवचे परस त्यो नसत्यो फॅशनी जाय कित्याक? (इतल्यान उमाबाय च्याचें कप हाडून मेजार दवरता.)

उमाबाय : आयकलां?

शंकरबाब : आतां आनी कितें उरलां? आयकून आयकून कान शिणशिणले.

उमाबाय : म्हाका तुमचेकडेन एक इंपोर्टेड काम आशिल्लें.

शंकरबाब : कसलें काम? हांव आता आनी खंयच वचो ना आं?

उमाबाय : म्हाका तुमचेकडेन एक इंपोर्टेड काम आशिल्लें.

शंकरबाब : इंपोर्टेड काम? तें आनी कसलें काम?
उमाबाय : म्हाका सेकंड-हँड कसो करप तें शिकूंक जाय आशिल्लें.
शंकरबाब : कितें? अशी कुवाड्यानी शी उलयता? सेकंड हँड म्हळ्यार आनी कितें?
उमाबाय : इतलीय इंग्लीश कळना? म्हज्यो बऱ्यो परत्यो परत्यो चुको काडटात
शंकरबाब : म्हगेली इंग्लीश पोरनी जाली. तुजी नवी इंग्लीश शिकता आतां
उमाबाय : सेकंड म्हणजे दुसरो, न्हंय? आनी हँड म्हणजे हात.
शंकरबाब : हय बरोबर. मागीर फुडें?
उमाबाय : म्हाका दुसऱ्याचो हात हातात घेवन सेकंड हँड कसो करप तें शिकूंक जाय आशिल्लें.
शंकरबाब : देवा, विटयलें रे बाबा हिणे! आगे, ताका शेकहँड म्हणटात.
उमाबाय : हांवय तेंच म्हणटा. (अचकीत घोवाचो हात हातात धरून) असो हात धरतकीच तो बेटोच धरून दवरप? काय मात्सो चिड्डुवप?
शंकरबाब : (आपलें हात फार्टी घेवन झाडून पुसता) आगे, सगळे पळयतात मगे? हें पळय, तूं हात चिड्डिय ना जाल्यार मुड्डीय! म्हाका विचार नाका.
उमाबाय : चुकलेंच म्हजे! हांवे म्हज्या बॉयफ्रेंडाकच विचारूंक जाय आशिल्लें
शंकरबाब : आता ती येवची जालीं. तूं पयलीं भितर वच आनी तें आंगलें घालां तें बदलून साडी न्हेसून यो.
उमाबाय : हांव म्हज्या भावजयेक सारकी मॅच जांवक जाय म्हण मुद्दम तीं येंवचे वेळार ड्रेस घाला. तो आता बदलून यो म्हणटा? (म्हणत भितर वता.)
शंकरबाब : ह्या दिसानी असो सांवार आयला हिजेर. आपलें तेंच खरें म्हणटली. (पेपर वाचूंक लागता) सामकें सोसूं नज रे बाबा!
(इतल्यान उमाबाय उंच खोटांची जोती घालून लकत-लकत ह्यावटेच्यान त्या वटेन चलपाची संवय करीत पासयो मारता. कितलेशेच वेळा तोल वता. इतल्यात ती तोल वचून मेजाक आदळटा. तेन्ना शंकरबाबाची तिजेर नदर वता.)
शंकरबाब : आगे, आगे, हें आनी तुवें कितें आडायलां? आतां ती येवचे वेळार नाक आपटून पडशी मगे? (ती व्हडलें लक्ष दिना. चलपाची संवय करीत भोंवता लकता, परत वता) ही आनी आयकता? (परत निसरून पडटा) आगे, आगे, ती जोतीं काडून भायर उडय.
उमाबाय : कितें म्हळें? भायर उडय? काल सगळी दनपार व्होगडावन मुद्दम सोदून सोदून हाडल्यांत हांवे (एक पांय वयर काडून लोकांक दाखयता)

शंकरबाब : कसली जोतीं?

उमाबाय : (परत दाखयता) हाय व्हील्स! हांव म्हज्या अमेरिकत भावजेक मॅच जावंक नाका तर? भायर उडय खंय! (परत चलूंक लागता थोड्या वेळान परत चलता आनी खरीच.) देवा, आवय, कमर मोडलें शें दिसता. (शंकरबाब तिका आदार दिवन पडटा उठयता.)

शंकरबाब : आगे सायबिणी, आता अती जाले तुजें. तू आमकां त्रासांत घालतली मगे? भायर उडय पळोवया तीं जोतीं?

उमाबाय : (आवय, आवय करीत कमर सांसपिता) हीं येदीशी भुरगीं पुसून हाय व्हील्स जोती घालून भोंवतात. पाड पडूं ह्या जोत्यांचे, (अशें म्हणून तीं पायांतली काडून कोनशाक मोखून मारता) चारशीं पांचशें रूपया उदकांत उडयिल्ल्या भशेन जाले. (तीं काडून भितर घेवन वता.) (इतल्यात आरती इश्कोलातल्यान येता)

आरती : (धांपेत) आवयस! धांवत धांवत आयलें. बाबा, मामा-मामी आयलींरे?

शंकरबाब : ना. पुण येवपाची जालीं. चल, तू हात पाय धूवन घे.

उमाबाय : बरें जालें. देव पावलो हांव मामा-मामीक रिसीव्ह करतलें, तुमच्या पैलीं हांवच मामीक पळतलें.

उमाबाय : आयलें गो शाळेंतल्यान? चल बेगीन तयार जा.

आरती : (तिका पळोवन अजापान) शी, आई? हें कितें घालां गे तुवें? साडयेंत काय बरी दिसता तू! शी. पयलीं बदलून यो. (तिका धुकलत भितर व्हरता) चल, चल. (ती राग्गान हात पेल्यान करता.)

उमाबाय : तुमी. दोगाय मेळून म्हजे फाटल्यान शीं. लागल्यांत गो? म्हाका सेम करूंक सोदतात काय कितें? तुमचें सगळें आयकूंक हांव कितें सामकेंच 'हें' न्हंय.

आरती : आवय, सेम? म्हणजे?

उमाबाय : इतलेंय इंग्लीश येना मगो? हेरशी व्हडलो झेत मारता, आगो सेम म्हळ्यार लज.

शंकरबाब : (आरती कुशीक घेवन) हें पळय तिज्या फाटल्यान लागून कांयच फायदो ना. कितेंच सांगपाची माणसुकी ना. राकशीण कशी आंगार येता भाव-भावज येवन वच म्हणसर हो खतखतो असोच ओतत रावतलो.

उमाबाय : म्हज्या फाटल्यान लागचे परस बेगीन भितर वचून तयार जा. मामा-मामी

येवची जालीं. (भितर पळोवन) किसू? ए किसू? (आरती भीतर वता)

किसू : (देठलें बांदून णव वारी न्हेशिल्ली जाण्टीशी कुळमिण) कितें भाटकान्नी?

उमाबाय : आगो तें लाँच तयार केलां न्हंय? तें हाडून मेजार दवर.

किसू : लाँच? लाँच आनी खंय दवरल्या? आनी आगे, मेजार एदी व्हडली लाँच दवरल्यार मागीर सगळें जेवण खंय मांडटाली?

उमाबाय : आगो आवट्या? लाँच म्हळ्यारच जेवण.

किसू : अशें? हांव खंय जाणा? म्हाका दिसलें हांव दिवाडे वता, तसली लाँच.

उमाबाय : चल बेगीन. कळ्ळी तुजी अक्कल. (तें भितर वचूक लागता)आनी हें पळय? तीं आरमारीतल्यान काडील्ली आयदना हाडून डाइंग-टेबला कडेन हाडून दवर. मागीर हांव तें डाईंग टेबल बरें ऑरेंज करूंक येता? (इतल्यात आरती भायर येता).

शंकरबाब : आगे बाये, ताका डायनिंग टेबल म्हणटात.

उमाबाय : तुमी ओगी रावात. हांव किसू कडेन उलयता. (किसूक) किसू? मेज बरेंऽ पुसून घे गो? हांव मागीर सारके ऑरेंज करता.

आरती : आगे बाये, ऑरेंज न्हंय अरेंज. अरेंज.

उमाबाय : तेंच गो तें हांव जाणा तू इंग्लीशचे व्हडलें कॉलर म्हण. (भितर वचत) बापूय-धूव एकच, सपन पडना. दोगांयचें हें किसू कितें करतां तें पळयता

आरती : बाबा, आईची इंग्लीश दिसान दिस 'हाय' जायत चलल्या न्हंय? दोगांय हासत मामाक बरी लज जावपाची आसा.

शंकरबाब : आगो, तोच भंय पडला म्हाका. हिजी 'हाय' इंग्लीश आयकून ती हिजी अमेरीकन भावज हिगेल्या भावाक गुड बाय करून परत वचना जाल्यार पुरो.

आरती : पुण बाबा, तू तरी सांग मरे तिका. इंग्लीशीचें एक वेळ बरें आसा.पुण तो ड्रेस घालून ती सामके शिगम्याचें सवंग कशें दिसता मरे!

शंकरबाब : आगो बाये, ओगी राव. ती आयकत जाल्यार आनी माणसुकी आसा? आनी आनी हळशिकेंत फातर उडय नाका.

आरती : पुण बाबा. हांव सांगू ? तुका लागूनच जाता हें सगळें

शंकरबाब : कितें म्हाका लागून जाता? हांवे सांगला तिका अशें करूंक?

आरती : तू तिका ओगी कित्याक रावता? ती खरीच शिगम्याचें सवंग कशी दिसता. म्हाका पुसून पळोवन इतली लज दिसता जाल्यार मामाक कितें दिसतलें?

शंकरबाब : आगो, ती सद्या आपणाक सामकी मॉडर्न समजता आनी तू तिका शिगम्याचें सवंग म्हणटा?

आरती : बाबा? तिका खबर ना. आमचो इंडियन ड्रेस, इंडियन खाण-जेवण इतलेंच न्हंय तर सगळें. इंडियन कल्चरच भायल्या देशांतल्या लोकांक इतलें आवडूंक लागला कीं, तेच आमकां इमिटेट करूंक लागल्यात.

शंकरबाब : तीच तर सगळी ट्रेजडी आसा. आमची संस्कृत भास पुसून ते व्हड आवडीन शिकूंक लागल्यात. आमचे पुर्वील्ले ग्रंथ रामायण, महाभारत भगवतगीता हांचे महत्व तांकां कळूंक लागलां.

आरती : आनी आमी इंडियन लोक तांची नाका जाल्ली पिशेपणा इमिटेट करूंक लागल्यांत.

शंकरबाब : आरती? हे तूंच उलयता? अजाप दिसलें बाये आयकून. तुमी हालींची भुरग्या हें जर बरे भशेन समजून घेशात तर तुमच्या फुडारांत तुमका बरे दीस पळोंवक मेळटले आनी इंडियन रिच कल्चर तिगून उरतलें. (इतल्यात गाडयेचो हॉर्न वाजता)

आरती : (व्हडा खोशेन ताळी वाजयत उडी मारता) बाबा, मामा आयलो दिसता (भितरल्या दाराकडेन वचून) आई मामा आयलो गे? हांव चल्ले तांका रिसीव्ह करूंक.

उमाबाय : (उमेदीन भायर येता) म्हजो राजेश आयलो दिसता. (बेगीबेगीन भितर दाराकडेन पळोवन) किसू? ए किसू? हें आनी ऐन वेळार खंय गेलां? आगो तो बुकी मात्सो बेग्गीन घेवन यो. (थोड्या वेळान परत) आयकलां मगो? ए किसू?

किसू : म्हाका उलो माल्लो?

उमाबाय : आगो, तो भितर आसा तो बुकी मात्सो बेग्गीन घेवन यो. राजेश आनी बायल आयलीं.

किसू : बुकी? कोणाचो (लोकांक) हेरशी शेजाऱ्यांचो बुकी चुकून पुसून घरात आयल्यार ताज्या कपलार दांडो घालता आनी बुकी हाड म्हणटा? आजापच बाये एक - एक.

उमाबाय : आगो, नवी व्हंकल घरांत येता. तिजे सारकें बरें स्वागत करूंक जाय. सगळें विसल्लें तू? चल, धांव मार. (मोठ्या उमेदीन लोकांक) कितले दिस वाट पळयताली हांव.आयलीं बाये एकदांची. (आपले केंस, व्हिस्तीद सारखे करता).

किसू : (भितरल्यान एका ताटांत निरांजनां पेटोवन हळद-पिंजर बी घेवन येता.) ही

घे भाटकान्नी.

देवाचो : बुको आनी आरतय हाडल्या.

उमाबाय : शी. शी शी. शी! आगो, सामके ओल्ड फॅशन्ड मगो तू? हें कितें हाडलां? आनी तुका लागून ती आमकांय ओल्ड फॅशन्ड समजतलीं. सामकें भजर गो बाये. चल, उठ. (ताका पेल्यान काडटा) तुका सांगून कांयच फायदो ना. हांवच वचून हाडटां (भितर वता)

(इतल्यान भाव आनी भावज येतात. हातांत व्हडल्यो बॅगो. आरतीच्या हातांतय एक बॅग-राजेश आनी मीरा दागांय सामको इंडियन ड्रेस करून येतात. राजेश लग्नाक बी घालतात तसो कुर्ता -झब्बा घालुन आनी मीरा बरी जरीची साडी, कपलाक बरो व्हडसो कुकूम, गळ्यांत मंगळसूत्र आनी माथ्यांत फुलां माळून येता.)

राजेश : (हातातलीं बॅगा दाराकडेन दवरतात.) मीरा, हो आमचो भावोजी आनी भावोजी? हें मीरा. (दोगांय पायां पडटात) भावोजी पाया पडटांत हां?

शंकरबाब : बरेंऽ जांव. सुखी रावात प्रवासांत कांय त्रास बी जांवक ना मरे? बसात.

राजेश : प्रवास बरो जालो. विमानात वेवस्थाय बरी आशिल्ली.

इंडियात पावतकीच विमानातल्यान सैमाची सुंदरताय पळोवन तर मीरा सामकें इंडियाच्या मोगान पडलां. आमी दोगाय हांगाच सेटल जांवया म्हणटा.

आरती : हय गे मामी? बाबा, मामी सामकी इंडियन जावन आयल्या न्हंय?

मीरा : ऑफ कोर्स! म्हाका इंडियन कल्चर खूब्ब आवडटा. तुमचें इंडियन जेवण तर इतलें रूचीक? राजून म्हाका खूब जिनस करूंक शिकयल्यात. आनी तुमी इंडियन मनशां तर खुबच मायेस्त. ताई खंय आसा?

आरती : आवय, मामी? तू आमची भास पुसून शिकली?

राजेश : आगो, आमी घरात चड शीं कोंकणीच उलयतात.

इतल्यांत उमाबाय भितरल्यान व्हडलो फुलांचो बुके घेवन येता. पायांत उंच खोटांचीं जोती घालून लकत लकत येता. दोगांकय पळोवन.

उमाबाय : हॅपी टू यू! हॅपी टू यू, करीत फुडें येता. (ती दोगाय उमाबायक भावजेक वेंगात घेंवक करता, ती त्या दोगांयचेरय पडटा.

शंकरबाब : आनी आरती - आगे, आगे, सांबाळ (अशे म्हणत तिका सांबाळटात)

सोंपता

आयलो मोबायल

(माचयेचेर धा-बारा भुरग्यां हातात हात घालून लायनीत उबी रावन नाचत पद म्हणटात. नाचात वेगवेगळ्यो स्टेपस घेवच्यो. पदाक सोबशी चाल लावची)

आयलो मोबायल, मोबायल, मोबायल
सांबाळात गो बाय, गो बाय, गो बाय
आयलो मोबायल, मोबायल, मोबायल
झगडटात घोव-बायल, घोव-बायल, घोव-बायल
आयलो मोबायल, मोबायल, मोबायल
बिलां जातात हिसपाभायर, हिसपाभायर, हिसपाभायर
भुरगी आटापा येनात गो बाय, गो-बाय, गो बाय
आयलो मोबायल, मोबायल, मोबायल
सांबाळात गो बाय, गो बाय, गो बाय
आयलो मोबायल, मोबायल, मोबायल

(नाचत नाचत भुरगीं भितर वतात)

(माचयेर शर्मिला मोबायलार उलयत येता. कॉलेजीत वचपी भुरगी)

शर्मिला : आवंय? उर्मिला? तुवे अजून पळोंवक ना? मुद्दम पळय हां? कितें सुपर्ब ॲक्टींग केला जाणा? आय लायक ॲश हांव ताजो एकय पिक्चर चुकयना. आनी? शाहरूखखानने तो कमाल कर दिया! बरें गो. बीचार मेळया. सेम टायम सेम प्लेस (फोन बंद करता)

(इतल्यान दुसरो फोन येता. शर्मिलाची फाट आसता त्यावटेन २ चले ३/४ चलयो असो भुरग्यांचो ग्रुप लिपून आपले मोबायलावेल्यान शर्मिलाक फोन करतात. रिंग वाजतकीच मोबायलावेलो नंबर पळोवन.)

शर्मिला : हो आनी कोणाचो नंबर बाबा? हॅलो? (मोबायलावेल्यान ती भुरगी आवाज बदलून उलयतात ते भितरल्या मायकावेल्यान आयकूंक दिवप)

मोबायलावेल्यान कोण उलयता वळखलें?

शर्मिला : हॅलो?कोण जाय?

मोबायलावेल्यान : आय वॉंट टू स्पीक टू माय डार्लिंग. डार्लिंग शर्मिला कळ्ळें?

मोबायलार : कोण काय म्हणटा? वाटवेली घोण. वळखलें?

शर्मिला : आतां नांव सांगता काय फोन बंद करूं?

एक चलो : ताका वळखना जाल्यार म्हाका वळखता जाल्यार पळय.

शर्मिला : कोण उलयतात तुमी? पिडा खंयची! (मोबायलार भुरगी हांशिल्लो आवाज आयकूंक येता.)

मोबायलार : हांव मगो, तुजी नेक्स्ट डोअर नेबर. म्हजें अर्जंट काम आशिल्लें तुजेकडेन.

शर्मिला : कोण? नेक्स्ट डोअर नेबर? हांव बंगल्यात रावतां. ओगीच राग हाड नाका म्हाका. म्हाका नेबरच ना.

मोबायलार : राग? राग आयल्यार वाग खाता नकळ तू?

शर्मिला : चड करशी जाल्यार हांव पोलिस कम्प्लेंट करतले हां? सांगता पयलीच (राग्गान फोन बंद करता) पिडा खंयची!

(सगळी भुरगी ल्हवु ल्हवु शर्मिलाच्या फाटल्यान येवन ताका 'भेंक' करून मोठ्यान आवाज करून भेष्टायतात. तें मोठ्यान आंग काडटा. सगळी हांसतात आनी ताळयो मारतात).

व्हिक्टर : 21st Century bravery award goes to Miss शर्मिला!

शर्मिला : पाड पडलें! तुमी गो? हांव इतलें नर्व्हस जालें सांगू?

आरती : स्टॉप इट यार. हो पळयला? म्हजो नवो मोबायल? पप्पान दुबयच्यान हाडला.

शर्मिला : ए, दाखय, दाखय आवय? सामको क्यूट न्हय? सामको खेळातलो कसो. एदोसो. नवो मॉडेल काय कितें गो?

श्रेया : आरती तू सामकें लकी. म्हजो पप्पा तर मोबायल घे म्हणटकीच इतलो बॅड मुडात आशिल्लो? हांव फर्स्ट आयलें तेन्ना बडी मुश्कील से खरीदा.

सोनिया : ए, ह्या मोबायलांची तोखणाय करतां करतां आमी कितलीं लेट पावतली? जाणा पळयला कितली वरां जाली ती?

श्रेया : चला, चला बेगीन. पयलें लेक्चर चुकलें आमकां.

सैमित : ती लेक्चरां आयकून म्हण कितें फरक पडपाचो आसा? गाईड वाचल्यार चड बरें.

व्हिक्टर : ती लेक्चरां, त्यो टेस्टी, एजामी, सामकें बोरिंग, ए आज, आमी कॉलेज बंक केल्यार कशें?

आरती : हय रे हय! हावें नवो मोबायल घेतला तें सेलेब्रेट करया.

शर्मिला : आज आमच्या ग्रुपातल्या सगळ्यांकडेन मोबायल आयलो. रोज डे , ट्रेडीशनल डे, तसोच

सगळी जाणा : मोबायल डे ! What an Occassion to celebrate!

श्रेया : हांव ना गो बाये! म्हाका भंय दिसता.

व्हिक्टर : आनी सौमित - सामके भिजूड मगो तू! ट्वेंटी फर्स्ट सेंचरी वुमन खंय आरती बी ब्रेव्ह! तू ट्यूशनाक वचना तर गो?

सैमित : आता मेरिट लिस्टांय काडून उडयली. इट इज सो सिंपल

व्हिक्टर : चिंता कसली करता गो? लायफ इज फॉर ऐंजोयमेंट (ताका ओडटात) चला, चला आनीक वेळ काडनाकात. कम ऑन लेट अस गो!

शर्मिला : (इतल्यात शर्मिलाच्या मोबायलार रिंग.) हॅलो? ना. हांव क्लासांत आसा (जीब चाबता) कोणे सांगलें? खरेंच पप्पा. ताणें दुसऱ्या कोणाकय पळयलां आसतलें सर आमका इंम्पॉर्टंट टॉपिकाचेर पॉइंटस् डिक्टेट करता. हांव फोन बंद करता नाजाल्यार सगळ्यांक डिस्टर्ब जातले. ना ना तू कांयच हुस्को करनाका.

श्रेया : ए! कोणाचो फोन? तुझ्या पप्पाचो गो?

आरती : डिटेक्टिव्ह दवरल्यात काय कितें गो तुजेर नदर दंवरूंक?

शर्मिला : शी बाबा! हो मोबायल एक दीस म्हजो घात करतलो. वता वता थंय फाट धरतां.

सौमित : (हासत) चोर रंगे हात पकडा गया। अशे करून पप्पाक फटयता मगो? राव सांगतां वचून.

शर्मिला : सांग सांग व्हडलो सेंट तू. तू तर सद्दां फटयता. हावें एक दिस फटयल्यार कितें जाले?

व्हिक्टर : आता फॉरेनाक कसले माबोयल आयल्यात जाणा? तुमी खंयच्यान उलयतात त्या एरियाचे नाव येता. मोबायलार कोण उलयता ताचो फोटोय येता मागीर कशी फटयतली तुमीं?

शर्मीला : हांव चल्ले बाबा कॉलेजीक. पप्पान फांइंड आऊट केलें जाल्यार फुक्कट त्रासांत पडटलें.

सैमित : आगो अशें भिता कित्याक? आमी आसात मगो तुका सांगात दिवंक.

बाकीची : बी ब्रेव्ह.

(इतल्यात श्रेयाच्या मोबायलार रिंग येता. श्रेया फोन घेता)

श्रेया : हॅलो? (बाकीची बोवाळ करतात ते पळोवन) आगो, वोगी रावातगो! (फोनार हात धरता) हॅलो? गुड मॉनिंग सर, किते? ना. हांव कॉलेजीक येवंक शकलें ना आज. सर, म्हाका जोर आयला (दातांपोंदा ओंठ चिड्डिता) सकाळच्यान न्हिदूनच आसा हांव. कितें? कोणच येंवक ना? सॉरी सर? कितें म्हळें? तुमी म्हज्या घरच्यानच उलयतात? येतां सर. वखद घेंवक भायर सरिल्लें. (सामके भिलां बाकीच्या भुरगायांक) सामकें खलास मेलें मेलें. घरा वचपाची माणसुकी ना आतां.

सगळीं : आता कितें जालें सांग तरी?

श्रेया : किते सांगतलें कर्म म्हजे? आगो आमीच डिसोजा सराक एक्सट्रा क्लास घेवंक सांगिल्लो. कोणच ना खंय लेक्चराक. सर सामको तापला.शी बाबा सामको घात केलो ह्या मोबायलान.

आरती : मोबायलाक कित्याक दोष दिता?

श्रेया : आगो बाये डिसोजा सरान सगळ्यांच्या बापायक मोबायलार फोन करून चवकशी केली.

शर्मिला : देवा पाव रे बाबा! चला, चला, आमी कॉलेजीक वचया.

सैमित : व्हिक्टर - ह्यां मोबायलान आमचो काय बरो प्लॅन स्पॉईल केलो.

आरती : पाड पडलें ह्या मोबायलाचें.

दुसरें दृश्य

(शांताराम मडकईकाराले घर. बितर शांतारामबाब दाडी करता अर्दी दाडी करून भितरल्यानच)

शांतारामबाब : आगे, म्हजो ब्रेकफास्ट तयार जालो? हाड पळोवया बेगीन? म्हाका आज एक अर्जंट मिटींग आसा म्हण सांगिल्लें विसरली काय कितें? (इतल्यांत भायर फोनाची (लँडलायन) रिंग वाजता) सोनिया, मात्सो फोन घे गो? (कोण जाप दिना) हें सोनिया आनी वेळार उल्याक मेळटा? बसलां जातलें मोबायल कानाक

लावन. (आपूणच फोन घेंवक येता.) खंयचो मोबायल घेवन दिलाशें जाला म्हाका, हॅलो? हय. ज्याकी रे? कितें? फायल मेळना? तें आतां सांगता? सामको झेंपो मरे तूं? आरे आरमारीत सारकी सोद. सोदली? (इतल्यान सोनिया भितरल्यान मोबायल हाडून दिता.)

सोनिया : पप्पा, तुजो मोबायल वाजता.

शांतारामबाब : (एका कानाक लेंडलाईनाचो फोन तर दुसऱ्या कानाक मोबायल. दोगांय कडेन एकाच वेळार उलयता) दी हाड. आमच्या डायरेक्टराचो आसतलो. हॅलो? गुड मॉर्निंग सर. कितें? गोयांत पावले? एस सर (लँड लायनीचेर प्युनाक) मेळली रे अकाऊंट्साची फायल? आरे, सर गोयांत पावलो. सगळ्यो फाईली कालच मेजार तयार दवर म्हण सांगील्ल्यो मरे? (मोबायलार) सॉरी सर. कितें म्हळें? आज सांजे मुंबय परत वचूंक जाय? (लँडलायनीर) आरे ना रे! हांवे घरा हाडूक ना. इडियट! (फोन आपटिता) नो. नो सॉरी सर. नॉट फॉर यू. आय वॉज टॉकिंग टू माय फ्यून. पुण हावें तुमची फाल्यांची तिकेट काडून दवरल्या. (इतल्यांत सोनिया युनिफॉर्म बी घालून तयार जावन येता. (बापूय फोनार उलयतास्तनाच ताका सांगता.)

सोनिया : पप्पा आज म्हजी टेस्ट आसा. म्हाका गाडयेन पावयता न्हंय?

शांतारामबाब : (फोनार) एस् सर. शूअर. आय विल ट्राय माय लेव्हल बेस्ट (हासत) डन सर. (सोनियाक दिसता आपणाकच म्हळां. तें खोशेन नाचत भितर वता.)

शांतारामबाब : (लँडलायनीचेर फोन घुंवडायतास्तना भितर बायलेक) आयकलां? म्हजो ब्रेकफास्ट हाड. (आपल्याकच) हांवे ब्रेकफास्ट बेगीन हाड म्हळो काय त्याच्च दिसा हिजो स्पीड कमी जाता.

(फोनार) हॅलो? एक्स्पप्रेस ट्रॅव्हल्स? आरे दियोग? आमच्या बॉसा खातीर आज सांजेची मुंबय वचपाची विमानाची तिकेट दवर. कितें? रश आसा? तें म्हाका सांगनाका. हांव कितें करू? ताणे आत्ताच फोन करून सांगलें. हय फाल्याची कॅन्सल कर नो दॅट इज युवर रिस्पॉन्सिबिलीटी. कितें हांव नकळ. तशें जाल्यार आमच्या कंपनीक दुसरो ट्रॅव्हल एजंट अपॉइंट करचो पडटलो. बरें. रोखडो फोन करून कळय. (फोन दवरता. इतल्यात सोनिया आनी ल्हान भयण स्वीटी दोगांय झगडत भायर येतात. सोनियान एक मोबायल हातात धरून हात वयर उकलला.स्वीटी ताका गळोव मारून तो घेंवक सोदता. दोगांय बोवाळ

करतात.)

सोनिया : ना दिवचें. हांव मोबायलार उलयता तेन्नाच तू थंय येवन कित्याक उलयता? हांव भायर उडयता तो. फटीचो मोबायल घेवन झेत दाखयता.

स्वीटी : पप्पा पळय रे! दीदी म्हजो मोबायल दिना. (तो आपली फायल चाळटा)

सोनिया : सांग सांग, सांग, तुजी दाडी मिशी लांब.

स्वीटी : पप्पा दीदी मरे, अभ्यास करचो सोडून मोबायलार खबरी करीत बसता आनी जाणा मरे? टॉयलेटांत पुसून मोबायल व्हरता.

सोनिया : पप्पा नारे हां! फटींग खंयचे! हांव मोबायलार उलयतां तेन्ना थंयच येवन आपल्या मोबायलार खबरी करता आनी म्हाका डिस्टर्ब करता.

शांताराम : जाली सकाळ? आता तुमकां मोबायलार सुशेगाद खबरी करूंक हें घर पावना दिसता. तुमकां मोबायलार उलोंवक मेळचे म्हण व्हडलो बंगलो घेता. हां! सामकीं अपुर्बायेचीं न्हंय तुमी? आनी अजून इश्कॉलाक वचूंक ना गो तुमी?

सोनिया : पप्पा आमी तुजी वाट पळयतात. तुवे आमकां गाडयेन पावयता म्हळ्ळें न्हंय रें?

शांतारामबाब : हांवे? केन्ना? पयलींच म्हाका वेळ जाला.

सोनिया : पप्पा, नॉट फेअर. हावें तुका विचारिल्ले तेन्ना तुवे ओके. शुअर, डन म्हणून तकली हालोवंक नाशिल्ली?

शांतारामबाब : हें पळय, म्हाका एक अर्जंट मिटींग असा. तुमी म्हजी वाट पळयनाकात चला बेगीन बेगीन.

स्वीटी : पुण पप्पा आमची बस गेली आसतली. दिदीक आज टेस्ट आसा.
(इतल्यान आवय च्याचें कॉप आनी खांवक हाडटा. कॉप दवरता आनी घुंवळ आयिल्या भशेन सोफार पडटा.)

सुरेखा : आवय, आवय, तकली घुंविल्याभशेन जाता, देवा! देवा!

सोनिया : आनी स्वीटी - मम्मी कितें जाता तीका? पप्पा पळय रे.

शांतारामबाब : घुंवळ शी आयली? रातची टी. व्ही. र सिनेमा बी पळयत बशिल्ली काय कितें? (अशें म्हणत तिका आदार दिता).

रेखाबाय : आवय, आवय, सोनिया, मात्शें पिवंक उदक हाड पळोवया?

सेनिया : हाडटा हां? (भितर वता आनी उदक हाडटा. तिका पिवयता)

शांतारामबाब : उदक पी. बरें दिसतलें हांव दोतोर वेरेंकाराक फोन करतां.

(फोनाकडेन वतना) हिका दुयेंत पडूंक आजच बरो म्हुर्त मेळ्ळो. (फोनार हॅलो, दोतोर वेरेंकार न्हंय? दोतार, हांव मडकयकार उलयतां. आमगेल्या हिक आत्ता घुंवळ शी आयली मात्शें तपासूंक येंवक मेळत? ना. ना. ओंकारो आयल ना. बरें, बरें येयात रोखडे. वाट पळयता. (बायलेक) दोतोर लागींच व्हिजीटाव आयला. रोखडो येता खंय. (तिका वारो घालता)

रेखाबाय : स्वीटी, मात्शी बामाची बाटली हाड गो. पोटात मात्शें धवळिल्याभशेन जाता.

स्वीटी : हाडटा आं. बामाचो वास घेतल्यार धवळचें ना. (बाटली हाडून तिका वास दिता. सोनिया तिजी तकली दामता.)

सोनिया : आता बरें दिसता?

दोतोर : गुड मॉर्निंग, कशी आसा? अकस्मात घुंवळ शी आयली? (रेखाबाय उठपाचो यत्न करता) उठनाका. न्हिद. प्रेशर पळोवया?
(पयली नाडी आनी प्रेशर तपासता) प्रेशर मात्शें हाय आसा (दोळे पळयता) ह्या दिसानी न्हीद बी बरी पडूंक ना? कसलेंय टेन्शन बी आसा?

रेखाबाय : ह्या दिसानी न्हीद मात पडूंना म्हाका.

दोतोर : हुस्को करपासारखे कांय ना. हांव गुळयो बरोवन दितां. रोखडें बरें दिसतलें. (कागदार गुळयांचे नाव बरोवन कागद शांतारामबाबाकडेन दिता.)दोन दिस सुशेग घे. चिंता करू नाका.

शांतारामबाब : चिंता आसा म्हाका, आनी घुंवळ येता हिका. (दोतोर आनी शांतारामबाब हांसतात) बरें दोतोर फोन करून कळयतां तुमकां. (पैशे दिता).

दोतोर : आसूं, मागीर पळोवया. येता हांव (दोतोर वता)

शांतारामबाब : सोनिया हे घे पैशे. टेस्ट आसा मगो तुजी? रिक्षा करून वच आनी स्वीटीकय सांबाळून व्हर मम्मी बरी आसा आतां

सोनिया : पुण पप्पा, तुका अर्जंट मिटींग आशिल्ली मरे? आता कितें करतलो? हाव घरा रावू?

शांतारामबाब : नाका नाका शेंवतू येतले आतां. तुमी स्कुलातल्यान येई म्हणसर ताका राव म्हण सांगता. चला तुमी (शांतारामबाब च्या पिता)

दोगाय : मम्मी, येतात गे! सांबाळून राव.
(कोसेंसाव आनी फातिमा ह्यो शेजान्नी येतात)

कोंसेसाव : आज सकाळीं फुडें दातोर सो आयिल्लो तुमगेर?

फातिमा : रेखाबाय कितें गे? न्हिदल्याशी?

कोंसेसाव : दुयेंत गे? (रेखाबाय उदूंक पळयता) तू न्हीद गे, आमी बसतात

शांतारामबाब : तशी बरी आसा, पुण सकाळी मात्शी घुंवळ आयिल्ली शेंवतू येतलें आतां. ते येईसर मात्शीं बसात. म्हाका एक अर्जंट मिटींग आसा.

कोंसेसाव : तू कांयच हुस्को करिनाकाच. रेखाबायक एकटी दवरनात आमी.

(इतल्यान भायल्यान लक्ष्मी येता)

लक्ष्मी : भाओजी, आज दोतोर सो आयिल्लो?

फातिमा : हिका मात्शी घुंवळ आयली खंय. बस ताका ऑफीसात अर्जंट काम आसा.

शांतारामबाब : हांव हिज्यो गुळयो धाडून दितां प्यूनाकडल्यान (रेखाबायक) बरें येतां हांव. मदीं फोन करतां हांव. मदीं फोन करतां. कितेंय गरज पडल्यार कळय (तो वता)

कोंसेसाव : शेजान्नी, अकस्मात घुंवळ म्हळ्यार फकणांचेर व्हरनाका हां? म्हुज्या नण्डेच्या जावेक अशीच परती घुंवळ येताली, पळयल्यार कँन्सर म्हण कळ्ळें. हालींच्या दुयेंसाचो कांयच भरवंसो नासता.

रेखाबाय : आवयस ! कँन्सर?

फातीमा : कॅन्सरच कित्याक? ब्रेन ट्यूमराक, हाय डायबेटीस आसल्यार पयलीं तकली दुखून घुंवळ येता खंय. सांबाळून राव गे बाये.

रेखाबाय : आता आनी कितें लिपयतलीं? ह्या दिसांनी न्हिदच पडना म्हाका रातभर तळमळटां हांव.

कोंसेसाव : सगळे बेस बरें चल्लां आनी रातभर तळमळटा कित्यात गे?

फातिमा : विचारतां म्हण रागार जाय नाका हां? तुज्या घोवाचे ऑफीसात कितेंय 'लफडा' बी नामू?

कोंसेसांव : कांय तो पैशांच्या घोटाळ्यात घुसपला बी गे? हाली कांयच सांगू येना. वता थंय लफडी आनी घोटाळे.

रेखाबाय : शी! ना बाये. तसलें कांयच ना. आगे सादी गजाल

लक्ष्मी : तुमची दोगांयचीय झगडीं बी जालीं?

रेखाबाय : आयक गो. आजकाल सगळ्यांकडेन मोबायल आसता. म्हकाय मोबायलविकतो घेन दिसलो. पुण हांका सांगून फायदो ना. घरखर्चाक दिल्ल्या पैशांतल्यान हांवे कोण्णाक सांगनासतना पयर मोबायल विकतो घेतलो.

सगळी : खरे? खंय तो? बरी मॉडर्न जाल्या मगे तू?

रेखाबाय : मातसो धीर धरता गो. सगळी काणी पुण आयकात. दुकानदारान म्हाका सग बरें समजावन सांगले. मोबायल ऑन-ऑफ कसो करप, फोन कसो लावप कसो घेवप, सगळे शिकयलें. तो एस्मॅस काय किते तो कसो करप तें पुसू समजावन सांगलें

कोसेंसाव : (हांसून) आगे बाये एस् मॅस न्हय एस् एम एस्

रेखाबाय : तेंच गो तें. पुण घरा येतकीच सगळोच घुसपागोंदळ. कांयच याद उरली ना तकलेंत सगळोच मॅस जालो.

फातिमा : कॉमेसाक मात्शें जाता तशें. मागीर कांय न्हंय कशें सोप्पे दिसता.

रेखाबाय : तुमकांय येता? हांव खंय जाणा? येदीं भुरगीं पुसून पुटुपुटू करून बटन दामून कसल्यो करामती करतात. म्हाका मात कायंच येना जाल्यान हांव सामके आबूज जालें.

कोंसेसाव : आवय, इतलेंच मगे? हांड दाखयता तुका सगळें.

रेखाबाय : पुण म्हाका दिसलें, म्हजी तकली इतकी पोकी? हांव विरार बी जांवक ना मूं? कितें कितें विचार येवंक लागलें. हांव समजलें पैशेय गेले आनी लजय गेली.

कोंसेसाव : खंय आसा तुजो मोबायल? दाखय. आत्ता शिकयतां तुका.

फातिमा : आगे, म्हजो स-सात वर्सांचो नातू पुसून ताजेर क्रिकेटचो स्कोअर पळयता, कसली कसली म्युझिकां लायता, ताजे बरोबर खेळ खेळटा. कांय विचारू नाका.

रेखाबाय : पळयलें? हांवच बुद्धु तर!

लक्ष्मीबाय : खंय आसा तुजो मोबायल? हांव हाडटां.

रेखाबाय : रांदचें कुडीत फळ्यार तांदळाचे डब्यांत बॉक्सात घालून घट्ट बंद करून दवरला. कोण्णाक सांगू ना न्हंय गे?

(लक्ष्मीबाय भितर वचून हाडटा सगळी हांसतात)

सगळी : आरे देवा! आंबे पिकोंवक घाल्याभशेन डब्यांत दवरला? (इतल्यांत शेंवतू येता) लक्ष्मीबाय - हो घे तुजो मोबायल. (हें शेंवतू आयकता.)

शेंवतू : वैनी, तुवे मोबायल घेतलो? (अशें म्हणून आपूण तो हातात घेंवक करता, इतल्यान रेखाबाय आडायता)

रेखाबाय : तुका कितें कळटा तातूतलें? दी तो हांगा. (आपल्या उशाकडेन दवरता)

लक्ष्मीबाय : शेंवतू वैनीक मात्शी घुंवळ आयली सकाळी. भुरगी ये म्हणसर तू तिज्याबरोबर राव. हांव जेवण बी करून येतां.

फातिमा : हावेंय भाजी फोण्णाक घाल्या. येता हां?

कोंसेसाव : तू मोबायलाचो हुस्को करूं नाका. सुशेगाद न्हीद. (इतल्यांत मिंगेल गुळयो घेवन येता)

मिंगेल : भाटकान्नी पात्रावान गुळयो धाडल्यात. वेळार घे म्हण सांगला (दवरता)

रेखाबाय : बरें बरें सारख्यो वेळ्ळार घेतां. हुस्को करू नाका म्हण सांग.

मिंगेल : येता हांव.

सगळी : बरें, रेखाबाय गुळी घेवन न्हीद. शेंवतू, तिका उदक हाडून दी. (शेंवतू भितर वचून उदक हाडून दिता. (नदर मोबायलाचेर) रेखाबाय गुळी घेता.)

शेजान्नी : बरें येतात आमी.

रेखाबाय : बरें, देव बरूं करूं (शेंवतूक) शेंवतू हांव मात्शें न्हिदतां. तू तुजें काम कर.

शेंवतू : हांव रांदून पुसून दवरतां. तू सुशेगाद न्हीद(भीतर वता) (थोडयावेळान ल्हवूच परत येवन मोबायल घेता आनी कोनशाक वचून हळू उलयता.) हलू ए हलू? कोण रत्नें गो? आय शेंवतू टॉकींग हांव यू? (हांसता हळूच) रत्न्या, वळखलें? आयक गो. हांवे तुका म्हजेखातीर एक नवें काम सोद म्हळ्ळें न्हंय? हय, नाका, आता नाका. आगो आता हांवे हें काम सोडचे ना. आ? ही मनशां तशी बरीं गो. पुण हिगेर मोबायल नाशिल्लो न्हंय? म्हण म्हजी सामकी अडचण जाताली. हय हय आता तिणेय मोबायल घेतलो. त्याच मोबायलावेल्यान उलयतां हांव. आता नो प्रोब्लेम.

रेखाबाय : शेंवतू कोण आयलो गो?

शेवतू : खंय कोण? कोण ना सुशेगाद न्हीद तू. (फोनार) रत्या आय क्लोंज मोबायल. (हळूच) मॉबायल दवरता तें रेखाबाय पळयता)

रेखाबाय : शेंवतू? तू मोबायलाचेर उलयता गो? तुकाय मोबायल चलोंवक येता? हय गो? (उठून बसता)

शेवंतू : आवंय तातूत कसली नवीदाद? हांव पांच घरांनी काम करता. त्या पांचय घरांनी मोबायल आसा. म्हाका मोबायलार उलयल्याबगर सुखच लागना. तुमगेरच नाशिल्लो.

रेखाबाय : म्हणजे? तुकाय मोबायलाचें सगळे कळटातर? आवय आवय (शेंवतू शेंवतू

करून घुंवळ येवन पडटा)

शेवंतू : आगे वैनी कितें जालें? कितें जाता तुका?

काळोख जाता

तिसरें दृश्य

(शांतारामबाब पेपर वाचता. इतल्यान मोबायलाचेर रिंग वाजता.)

शांतारामबाब : ह्या मोबायलान वीट हाडलो सामको. पेपर वाचीत पाच मिनटां सुशेगात बसतलो म्हळ्यार नशीब ना. (पेपर आपटिता) राग्गान हॅलो? आ? हांय वांयगणकार. हय उलयता. म्हजे बायलेन पर्चेस केला? केन्ना? म्हाका कांय खबर ना. तू तिज्या मोबायलार फोन कर. म्हाका सांग म्हणटा? तिजो मोबायल सदांच एंगेज लागता? हांवे कितें करूं?(इतल्यान स्वीटी आपलो खेळातलो मोबायल फोन घेवन फ्रेंडाबरोबर खबरी करीत हांशिल्याभशेन उलयता.

शांतारामबाब : आगो बाये भितर वचून उलय. म्हाका हांगा डिस्टर्ब जाता(फोनार) आरे बाबा, तू आनी ती कितें तें पळोवन घेयात(फोन बंद करता) (स्वीटीक) भितर वच म्हळें न्हंय?

स्वीटी : भितर उलयल्यार मम्मीक डिस्टर्ब जाता. तिणे म्हाका भायर धाडले. आतां तू भितर वच म्हणटा. म्हाका म्हज्या फ्रेंडाकडेन उलोवंक नाका?

शांतारामबाब : उलय बाये उलय. हो मोबायल घरात आईल्यान घरां ल्हान दिसूंक लागल्यांत. एकेकटीं महाराणी समजतात आपणांक. हांवूच भितर गेल्यार बरो. भितर वता. (रोखडोच एक करपल्लें आयदन भायर हाडून मेजार आपटिता.) पळयात. ह्या मोबायलार गजाली करतां करतां आयदनांच कित्याक? घर जळल्यार पुसून पत्तो लागपाचो ना. दूद जळून धूंवर जालो. पयर करपल्ल्यो रोट्यो खावच्यो पडल्यो. त्या दिसा शीत जळून गोबोर जाल्लें. काल भाजी करपली म्हणून ऐनवेळार फ्रिजांतली चा़र-पाच दिसा पयलीची भेळशेल्ली बाजी पानार पडली. हो कोळसो आनी गोबोर खावचे परस शेण खाल्यार जायतें बरें मोबायल आयिल्ल्याक हिचें कामार लक्षच ना. घेतलो मोबायल आनी होगडायली बायल. (पेपर घेवन वाचीत बसता इतल्यात रेखाबायची आवय मोठ्यान बोवळ करीत येता.)

मांय : कांय बरो भांगराभशेन जावय म्हजो. कोणाची दिस्ट लागली काय म्हणटा? देवा! एकल्या एकसुऱ्या म्हज्या अपुर्बायेच्या धुवेच्या संसाराचेर खंयच्या दोळे फुटक्याची नदर पडली रे सायबा?

शांतारामबाब : आगे, आगे अशी अकस्मात आकांत शी करता?
मांय : आकांत करू नाका जाल्यार कितें तुस्त करूं? काय फुलांनी पूजा करूं?
शांतारामबाब : अशें कुबाड्यान शी उलयता? कितें जाला?
मांय : आतां आनी कितें जावपाचे उल्ला? सामकें नाक कापले तुवे आमचें.
शांतारामबाब : हावें नाक कापलें? कितें उलयता गे? लोक आयकतात मगे?
मांय : लोक आयकतात तांजी लज दिसता? आनी लोक दोळ्यानी पळयतात ताजी लज दिसना?
शांतारामबाब : कितें? अशी लज दिसपासारकें किते केलें हांवे? खंयच्या फटकीऱ्यान सांगलें तुका?
मांय : फटकिऱ्यान? म्हजो दिगंबर केन्नाच फट उलोवचो ना. तांणे आपणाल्या दोळ्यांनी पळयला खंय.
शांतारामबाब : तुवें बरीऽऽमोऽऽव बायल हाडल्या आनी नाक कातरो कसो तिच्याबरोबर गुलूगुलू करून खबरी करीत भोंवता खंय? हांव म्हणटां, अशी कोण अप्सरा मेळळी तुका ह्या वयांत?
शांतारामबाब : शी! शी! आगे? वोगी राव लोक आयकतात मगे? (भितर पळोवन) ऐ रेखा आयकलां? ही भानगड कितें तें पळय पळोवया?(कोण लक्षदिना) आयकलां? तुजी आवय आयल्या
मांय : तें आनी भायर येता? खंय तोंड लिपोवन बसलां कोण जाणा. आतां ताका मेळूंक म्हाका पुण तोंड आसा? आरे, हांव म्हणटां, म्हज्या धुवेंत कितें उणे पडलें? बरी गोरी-धवी, सुंदर चली म्हजी. घसघशीत भांगर शिंगर घालून व्हडल्या दबाजान लग्न करून दिलां.
शांतारामबाब : हिज्या माथ्यार खंयचो म्हारू बसला कोण जाणा.
मांय : इतली वर्सा संसार करतकीच कसली. अवदसा येवजली रे पुता?
शांतारामबाब : आगे, बाये मात्शी सुशेगाद बसून शांत जा. हांव रेखाक आपोवन हाडटां. हें आनी खंय खबरी करीत बसलां कोण जाणा (म्हणत भितर वता.)
(मांय सोफार बसता. तकलीसकल घालून दोनय कानशिलार हात धरून बसता. ह्या वटेन रेखाबाय मोबायलार खबरी करीत येता.)
रेखाबाय : खरें? साडयांचो सेल? खंय? कितें? दोन घेतल्यार एक फुकट दिता? आब्बा? गार्डनाकडेन? कसलो? डायमंडाचो सेलय लागला? नाका, नाका सांजेची

नाका. दनपारांच वचया सांजेच्या बायलो झूंडी करतात. हय येता (आवयचे नदर पडटा. फोन बंद करता) आई तू केन्ना आयली?

मांय : (मोठ्यान रडत तिका वेंगान घेवन) तू कशें दिस काडटा गो बाये? म्हज जावय ह्या लक्ष्मीक सोडून खंयच्या अवदशेच्या फाटलयान लागलो काय म्हंटा

रेखाबाय : आगे, रडटा कित्याक? अशें कितें जालां?

मांय : तुवें बऽऽरें लिपयले म्हण लोकांक कळचें रावता?

रेखाबाय : (उलयतास्तनाच शांतारामबाब भायर येता) आगे, हांव मोबायलाचेर उलयतालें तू केन्ना आयली तें कळ्ळेंच ना.

शांतारामबाब : अशें! आता हो घुसपागोंदळ ध्यानांत आयलो. हाड गो तो मोबायल (मायक दाखयता) आगे हीच ती म्हजी नवी मोऽऽवबायल.

मांय : म्हाका फटयतात? ही कसली मोवबायल?

रेखाबाय : आगे हिकाच मॉबायल म्हणटात. हो फोन मगे?

मांय : हो कितें जादूचो फोन? वायर नासतना म्हण फोन आसता?

शांतारामबाब : आगे तुगेल्या दिगंबरान म्हाका ह्याच मोबायलाचेर खबरी करतना पळेल्या जातलें.

मांय : आरे देवा! अशें? म्हाका अनाड्याक खंय कळटात ह्यो फशनी? (इतल्यात पोलीस दारार येता.)

पोलिस : शांताराम वांयगणकाराले घर न्हंय? आसात घरांत?

शांतारामबाब : हय. हांवच तो. कितें जाय?

पोलिस : शर्मिला वांयगणकार तुमचे चली न्हंय?

रेखाबाय : हय कितें जाला?

पोलिस : ताका ॲक्सिडेंट जाला. आमी ताका हॉस्पिटलात पावयला. तुमकां रोखडेंच आपयलां.

दोगांय : कितें म्हणटा? शर्मिलाक ॲक्सिडेंट जालो?
देवा हें आनी कितें आयकतां रे बाबा?

आवय : साबुददीर आसा मूं तें?

मांय : आवय, सोसूं नज रे बाबा!

पोलिस : तशें बरें आसा तें. पुण पांयाक फ्रॅक्चर जाला शें दिसता.

शांतारामबाब : कोणे गाडी बी हाडून माल्ली ताजेर?

ोलिस : ना. ना. तेंच मोबायलाचेर उलयत स्कूटर चलायतालें. बॅलन्स वचून स्कूटर लायटींच्या खांब्यार आपटली.

ांतारामबाब : कितले फावटी सांगले हाका, मोबायलाचेर उलयतना स्कूटर चलयनाका म्हण. पूण कोण आयकता?

ेखाबाय : तुमी आनी वेल्यान तोंड घेवन उलयतात? तुमी गाडी चलयतना मोबायलार उलयनात? तुमच्याच कडल्यानच शिकलां तों आता हांव आसा बेकार तुमचीं दुयेंसा काडूंक.

शांतारामबाब : आतां आनी आनी उलोवपात वेळ काडनाका तयार जा बेगीन.

रेखाबाय : (फडफडत भितर वतना) आपणाचेर आयले म्हणकीच रोखडे विषय बदलतात.

पोलिस : तुमका पोलिस स्टेशनार येवचे पडटलें

रेखाबाय : (परत येता) (शांतारामबाब आनी मांय, रेखाबाय सगळीं) - पोलिस स्टेशनार आनी कित्याक?

पोलीस ताचेकडेन लायसन्स नाशिल्ले. तुमकां फाईन भरची पडटली.

रेखाबय : जाले ना? आता हो आनी खर्च वेल्यान

मांय : देवा, ही हालींची भुरगी वारे आंगान भरिल्ले भशेन गाडयो चलोवन. सगळ्यांक त्रासांत घालतात (रेखाबायक) आता चला मगो बेगीन

शांतारामबाब : आयकलां? ते तुवें आरमारीत दवरल्या ते १० हजार बरोबर घे.

रेखाबाय : हांवे दवरल्यात? खंय?

शांतारामबाब : ते तुवे भांगर करूंक लिपोवन दवरल्यात ते?

रेखाबाय : जालें? ते दिसलें तुमकां? हांव जाणाच आशिल्लें तुमचो त्या पैशाचेर दोळो आसतलो म्हण. हांव पयलींच सांगता. हांव ते पैशे कशेंज दिवचें ना (भितर वता)

मांय : आगो, पापणी, धुवेपरस भांगर चड प्रिय तुका?

शांतारामबाब : हावेंच वचून हाडल्यार बरें (भितर वता)

मांय : ह्या मोबायलाक लागून सगळ्यांच्यो तकल्यो घुंवल्यांत (मोबायल घेवन एके कोनशाक शेंवटिता.) हो मोबायलच नाच्च करून उडोवंक जाय.

पोलिस : आगे, आगे मोबायलाचेर कित्याक राग काडटा? आगे, मोबायल वायट न्हंय. आमी ज्यातरेन तो वापरतात ती रात वायट. मोबायलाचेच कित्याक? खंयच्याय वस्तूचें तशेंच आसता.

शांतारामबाब : आयकलां? यो बेगीन. (ती येता) चला चला

मांय : म्हाका हांगा सूख लागता? हांवय येतां.

रेखाबाय : आई तू आनी येनाका. आमी रोखडो फोन करून कळयता तुका कशें आ
तें

मांय : (मांय दोळ्यांक पदर लायता) बरें बाये. वाट पळयता तुमच्या फोनाची दे
सोसू नज रे. सांबाळ सगळ्यांक (इतल्यांत भुरगी परत माचयेर येतात. नाच
नाचत तेंच पद म्हणटात

आयलो मोबायल, मोबायल, मोबायल
सांबाळात गो बाय, गो बाय, गो बाय
आयलो मोबायल, मोबायल, मोबायल
झगडटात घोव-बायल, घोव-बायल, घोव-बायल
भुरगी आटापा येनात गो बाय, गो-बाय, गो बाय
आयलो मोबायल, मोबायल, मोबायल.

सोंपता

म्हाका वाज येता

(माचयेर आवय सुप्रियाचे केंस वळयता. जटा सोडयतना केंस दुखतात सुप्रिया एके वटेन अभ्यास करता, दुसऱ्या वटेन सँडविच खाता)

सुप्रिया : (आड्डता) आवय, आवय दुखता मगे!

आवय : जटा पळय कितली जाल्या. सद्दां सकाळी आपूण वेळान उठता आनी मागीर सगळ्यांक ताकतीक करता. (सुप्रियाची तकली आपलेवटेन घुंवडायत) फाल्याबेगीन उठलेना जाल्यार तुजे तूच वळय केंस

सुप्रिया : सकाळी कितलें शीं खाता जाणा मगे? पांघरूण घेवन सुश्शेंगाद न्हिदन कशें दिसता. सकाळी बेगीन उठूंक वाज येता.

आवय : तुका किते करूंक वाज येना? सकाळीं उठूक वाज येता. अभ्यास करूंक वाज येता, आपली कामा वेळच्या वेळार करूंक वाज येता.

सुप्रिया : ए बाये, सकाळी उठून शेरमांव आयकूंक वेळ ना म्हाका, जाले केस वळोवन? चल्ले हांव (होमवर्क करीत आसा)

आवय : तकली सारकी धर मगो! हो वेळ गो होमवर्क करपाचो? रातीं कितें करतालें?

सुप्रिया : मोगरू? ये मोगरू? म्हजे मात्शे सॉक्स घेवन यो गो?

मोगरू : (भितरल्यानच) हाडटां, हाडटां, जाली हाजी सकाळ ! मोगरू, हें हाड मोगरू तें हाड. मोगरू हें कर. मोगरू तें कर. आपूण मात सायबीण कशी एका जाग्यार बसून वोंद सोडीत रावतलें.

सुप्रिया : (हारशांत आपले केंस पळोवन) आवय आवय? कसल्यो विणयो घाल्यात गे? सामकी बोकडेचीं शिंगा कशीं दिसतात मगे? शी! परत्यो सारक्यो घाल गे!

मोगरू : (लोकांक) बोकडी खंयची? म्हस कशी दिसता म्हस! शू...! आयकत जाल्यार राक्षीण कशी आंगार येतली म्हज्या (सुप्रियांच्या म्हऱ्यांत सॉक्स उडयता) हे घे तुजे सॉक्स

सुप्रिया : आगो पिशा, ते उरफाटे आसात मगो? सारके करून दवर (तें वाजेवन सारके करूंक लागता)

आवय : आतां आनी हांव तुजे केंस परते वळयना. पयलीच वेळ जाला मगो? फाल्याच्यान सकाळी बेगीन उठ मागीर अशी धांदळ जावची ना.

मोगरू : वैनी, जाणा मगे? सुप्रिया बाय रातचें लेट म्हणसर टी. व्ही. पळयत बसता.

सुप्रिया : ना गे मम्मी, हें फटकिरें. ओगीच कितेंय सांगता.

मोगरू : खरेंच वैनी. दिवे पालयता आनी आवाज करिनास्तना रातचे पिक्चर पळयता.

सुप्रिया : (ताज्या आंगार गेल्ल्याभशेन) तू आनी चोंबडेपणा करूं नाका हां? थापट मारतलें. चल पयली भितर वचून तुजें काम कर. (मोगरू हांसत भितर धांवता.)

आवय : सुप्रिया, तें सांगता तें खरें गो?

सुप्रिया : (बुका एकठांय करीत) आय सायबा! आयज स्पोर्ट्साची प्रॅक्टीस आसा. व्हायट युनिफॉर्म घालूक सांगिल्लो. तो आनी खंय आसा कोण जाणा मम्मी, मात्शे सुप्रियाक सांग गे. चल, चल (आवय भितर वता)

सुप्रिया : मोगरू ए मोगरू? मोगरू? हें एक केन्नाच बेगीन जाप दिना. भेड्डें खंयचें. मोगरू?

मोगरू : आतां आनी कितें उल्लां गो?

सुप्रिया : आगो म्हजो व्हायट युनिफॉर्म मात्सो घेवन यो. बेग्गीन. चल (थोड्या वेळान) आजे ए आजे?

आवय :(भायर येवन) सुप्रिया, तिका आनी कित्याक आपयता गो? कितें जाय तुका?

सुप्रिया : तेंय खरें तिजी पालखी भायर येता म्हणसर अर्दवर लागतलें.

आवय : सुप्रिया? चड सुबेज जाला मगो तू? ती कितली जाण्टी जाणां मगो?

आजी : (सवका हातात दुदाचो पेलो घेवन येता) बाय सुप्रिया? हें दूद थंयच मेजार उल्लें मगो? पिवन उडय पळोवया? घे (म्हणून म्हन्यांत व्हरता)

सुप्रिया : शी. हें दूद म्हाका नाका. तांतूत साय आसा. बॉक्क (ओंकारो आयिल्ल्या भशेन करता.) भायर काडून उडय तें

आजी : पळय. मनशान चड खोडी काडच्यो न्हंय. आनी सारकें खायना-जेवना जाल्यार अभ्यास करूंक शक्ती कशी उरतली?

सुप्रिया : (हांसत) अभ्यास? अभ्यास कोणाक करूक जाय हांगा? म्हाका पयलींच वाज येता अभ्यास करूंक.

आजी : बाय शाणेच. पिवन उडय पळोवया?

आवय : सुप्रिया, सडसडीत पिये पळोवया? ना जाल्यार मूस पडटलो भितर

सुप्रिया : दवर गे मात्शी. पितां. म्हाका पयलीच टायमटेबल काडूंक तशे जाय(थोड्या वेळान) पप्पा? ए पप्पा? म्हाका मात्सो गाडयेन पावयता मरे बस गेली दिसता. पप्पा?

आजी : आगो पप्पाक कित्याक उठयता? तो बाबडो दीसभर काम करून रातीं लेट घरा आयला. सामको थकला आसतलो बाबडो! न्हिदूनी ताका सुशेगाद.

सुप्रिया : तुका तुज्या पुताची बरी काकुळट दिसता. नातीची मात इल्ली पुसून दिसना.

आजी : आगो, तुजें इश्कॉल १०-१५ मिनीटांच्या वाटेर आसा. एक दीस चलत गेल्यार कितें जालें? ल्हानपणांत मात्शे कश्ट काडले म्हणटकीच जाण्टे पणान त्रास जायना. तुज्या पप्पान ल्हानपणात त्रास काडले म्हण आज पळय केद्या पोजिशनार पावला.

सुप्रिया : हावें चलत ईश्कॉलाक वचप? Chief Engineer's daughter going walking to school? मम्मा? (हासत) Catch me going walking to school? what nonsense?

आजी : चलत वचूक कितें लज दिसता? आगो, तुजे पप्पा दो-दोन तीन तीन मैल चलून ईश्कॉलाक वतालो. ताज्या तेंपार कारय नाशिल्ली आनी बसय नाशिल्ली. (आजी भितर वता)

आवय : आता अती जालें तुजें हजार फावटी सांगलें रातचे न्हिदचे पयली टाईम टेबल काडून दवर म्हण.

सुप्रिया : सद्दां तें एक टाईमटेबल काडप म्हळ्यार सामके बोरींग पप्पा? ए पप्पा?

बापूय : (दाडी अर्दी करीत करीत येता) जाली, जाली सकाळ जाली शेंपडेक उजो लागिल्याभशेन किंळच्यो मारता. आतां कितें उल्ले गो तुजें?

सुप्रिया : (ताज्या म्हऱ्यात वचून ताका लाडी-गोडी लायत) पप्पा you are a sweet father you know?

बापूय : (ताचो हेत कळून) आय नो! आय नो! असो मस्को मारून कामां करून घेवपाक बरें शिकलां तूं!

सुप्रिया : पप्पा प्लीज म्हजो टायमटेबल पळोवन बुकां म्हज्या बेगांत घाल पळोवया.

बापूय : कितें? तुजें इश्कॉलाचे बॅग हांव भरू?

सुप्रिया : पप्पा प्लीज हांव तुजें पेट म्हणटा न्हंय रे तूं?

आवय : चड जाली आं तुजी अपुर्बाय.

सुप्रिया : पप्पा प्लीज पयलींच ह्या म्हयन्यात तीन-चार फावट लेट रिमार्क पड म्हाका. आनीक रिर्माक पडल्यार तुकाच येवचें पडटलें टिचरीक मेळूंक.

बापूय : म्हाका स्कुलांत येवचें पडटलें? कित्याक? लज काडून घेवपाक? बाये, जा जाल्यार तुजीं बुकां भरतां पुण तुज्या इश्कॉलात वचून लज जावंक नाक (भितर वता)

सुप्रिया : ह्यो आनी टिचरी कितलो होमवर्क दितात? हात दुखले सामके. आवय ग (हात सांसपिता)

मोगरू : म्हाका तुजो व्हायट युनिफॉर्म मेळना गो! खंय दवरिल्लो तुवें?

सुप्रिया : कुड्ड्याभशेन करनाका सारको सोद मगो!

मोगरू : (आवयक) पळयले मगे? आपूण गुड्ड्याक मारता आनी म्हाका कुड्डें म्हणट म्हाका वीट आयलो तुमच्या कामाचो.

आवय : तूं ताजें उलोवणें कित्याक मनाक लावन घेता? चल सारको सोद. यं पळोवया. (दोगाय भितर वतात आनी रोखडी भायर येता) पळय पळय हो पळय तुजो युनिफॉर्म.

मोगरू : तुज्या कुडीनच तुवें गुड्ड्या मारिल्लो.

सुप्रिया : (तो चुरिल्लो युनिफॉर्म वयर उकलून लोकांक दाखयत) हो घालून इश्कॉलाक वचूं? तुजें मात पूसून लक्ष ना कामांत. दिसभर टिव्ही लावन बसता जातलें.

मोगरू : (रडकुरें जावन) वैनी, पळय मगे कशें उलयता तें? हांव वोगी रावचें ना आं? पप्पाक सांगतलें. (आवय मोगरूक कुरू करून वोगी रावं सांगता)

सुप्रिया : सांग, सांग.

मोगरू : सांग सांग? तुजी दाडी-मिशी लांब. (ताका चाळयता)

सुप्रिया : थापट मारतले आं? पयलींच म्हाका वेळ जाला. चल फेर्र मारून हाड बेगीन.

बापूय : (बॅग आनी पिंजील्ली बुकां दाखयत) हीं तुजी पुस्तकां? काय पत्रावळी गो? बुकांच्यो अशो पत्रावळी जावपाक तू इतलें शिकता तरी गो? आजी हो रिर्पोट केन्ना मेळ्ळो गो? म्हाका दाखोंवकच ना मगो? तीन विषयानी फेल जाला मगो तू? शी.शी.शी. शी!

आवय : हय गो सुप्रिया? तीन सब्जेक्टानी फेल जाला गो? शी.शी.शी.शी! आमची

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
2737
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

सामकी लज काडूंक उठलां हें चली.

बापूय : अशें केल्यार तुजे वर्स बुडटलें मगो?

सुप्रिया : पप्पा? ही युनिट टेस्ट रे! फायनलीक हांव बेस्ट अभ्यास करतलें. तूं कांयच हुस्को करीनाका.

आवय : आगो? तुका कितले फावटी समजायलें हावें. बरें शिकून व्हड मनीस जावन खूब पैसो जोडपाक जाय मगो तुका?

बापूय : पुण ताका खंय आसा ताची चिंता?

सुप्रिया : पुण तुमीं तरी कित्याक चिंता करतात म्हजी? हांव तुमचे एकलेंच अपुर्बायेचें भुरगें न्हंय रे? तुमचेकडेन आसा तो सगळो पैसो म्हाकाच मेळटलो. म्हाका आनी पैसो कित्याक जोडूंक जाय?

आवय : चड जाली तुजी सुबेजपणां. चल एकदाचें तोंड घेवन. वेळ जाता म्हणटालें मगो? (बॅग ताच्या हातात दिवन ताका दाराकडेन धुकलता)

आजी : बाय सुप्रिया, उदकाची बाटली भितरच विसरलें मगो? ही घे.

सुप्रिया : ही आनी एक अशी सदांच आडायता. दी बेगीन. (हातातल्यान बाटली घेता आनी वता) मम्मी बाय! पप्पा हॅव अ नाइस डे!

आवय : (बापायक) पळयलां? कशें सुबेज जाला तें? फुडें हाजें कशें जातलें हाचीच चिंता पडल्या म्हाका. बापूय तू. पुण तुजो मात पुसून धाक ना धुवेचेर तुवें सामकें पिड्ड्यार करून उडयलां ताका

बापूय : कितें? हांवे पिड्ड्यार केलां?
ताका पिड्ड्यार करपाक आनी अपुर्बाय करपाक हांव घरा तरी आसतां? तुजी तकली दीस -रात ऑफीसाच्या कामांत घुसपल्ली आसता.
वर्षा (भितरल्यान भायर येवन) ताई, आज सकाळी सकाळी कितें जालें गो तुमचें? तापतात शी एकमेकांचेर?

आवय : तूंच पळय. हें आमगेलें सुप्रिया सामकें आळशी आनी सुबेज जायत चल्ला. बापूय म्हणून हाजो मात पुसून धाक ना ताजेर.

वर्षा : ताई, भावोजीक एकल्याकच कित्याक दोष दिता? सांगता म्हण रागार जायनाका.

बापूय : (वर्षाक) सांग, सांग. सारकें समजावन सांग ताका. हावें पिडड्यार केलां खंय ताका. दीसभर घरा आसून तें कितें करता तेंय विचार म्हाका वेळ जाता ऑफिसाक वचूक जाय.

वर्षा : ल्हानपणांतल्यान पळयता हांव. तुमी ताजी नसती अपुर्बाय करून सामकें माथ्यार बसयलां ताका. आता तें तुमचें कशें आयकतलें?

आवय : आगो, ल्हानपणातली खबर वेगळी. आमचे हें एकलें एकसुरें अपुर्बायेचें चली. ताजी अपुर्बाय करचीं ना जाल्यार आनी कोणाची करतलीं?

वर्षा : ताई, आज-काल कोंणागेर आठ-धा भुरगीं आसतात? सगळ्यांगेर एक ना जाल्यार दोन. सगळींच अपुर्बायेची.

आवय : तें खरें गो. पुण आतां हें दिसान दीस व्हड जाता तसो म्हजो हुस्कोय वाडूंक लागला. हाजें फुडें कशें जातलें काय पडलां म्हाका (वर्षाची ल्हान भुरगी न्हिदून उठून येतात.)

एक भुरगें : मम्मी, मम्मी आज आमी खंय भोंवक वचपाचें?

वर्षा : आगो अमेरिकेतल्यान गोयांत आयिल्याक कितलें भोंवडायलें मगो तुमकां? सगळे बीचस जाले, देवळा जाली. कितली मजा केली तुमी? आज मात्सो सुशेग घेयात.

दुसरें चली : मागीर आज आमी मिरामार बिचार स्विमिंग करूंक वचूया?

वर्षा : बरें. पुण तुमी आज पप्पाबरोबर वचात. म्हाका मात्शें काम आसा बेगीबेगीन तोंड धुवन ब्रेकफास्ट करात आनी तयार जायात.

धाकटे भुरगे : आमी एकलींच वचू ताच्याबरोबर? तूं येना?

वर्षा : हांव आज म्हजें काम सोंपयतां शिवाय तुमी आपणाक कशे सांबाळूक जाय हेंय सगळे सांगला तुमकां आनी हें पळय, तुमी उठटकीच हातुळणांची सारकी घडी करून बी दवरल्यांत मगो?

दोगाय : हय गे! तुवे सांगचे पयलींच दवरल्यांत

वर्षा :गुड गर्लस चला तर. पप्पाक उठयात. मागीर वत तापलें (भितर वतात)

आवय : तुजी भुरगींय अपुर्बायेचींच. पूण ती ल्हान आसून पुसून आपली कामा आपूणच करतात तें पळोवन तांची म्हाका तोखणाय दिसता. नाजाल्यार हें सुप्रिया पळय.

वर्षा : आगो, भायल्या देशांत आमकां वावराड्यो खंय मेळटात? सगळीं कामां आपल्याकच करचीं पडटात.

आवय : हय. आयकलां. हांवे पूण तुजी भुरगी पळय तुवें सांगिल्ले सगळें आयकतात.

वर्षा : ताई, हांव ल्हान भयण तुजी. तरीय रावूं नज म्हण सांगता. भुरगी ल्हान आसतनाच तांकां ही शिस्त लावंक जाय. झाड ल्हान आसतना वाकडे वाडूंक

लागलें जाल्यार ताका बडी बी लावन सरळ करूंक जाता. पूण तेंच वाकडे झाड जून जालें जाल्यार सरळ जावप खूब कठीण.

आवय : खरें गो बाये! पयलीं साकुनच म्हजें चुकलें. सामको पश्चाताप जाता म्हाका. आता तर तें आमकां कशेंच आटापा येना. कितेंच उपाय नागो?

वर्षा : असो धीर सोडून कशें जातलें? आनी पांच-सात वर्सांनी हेंच चली कोणाची तरी बायल म्हणून सून म्हणून दुसऱ्याल्या घरा वतलें. ताका देख शिकवचीच पडटली.

आवय : आवय? अशे सांगून भेश्टायनाका गो म्हाका (इतल्यान वर्षाची दोगांय भुरगी बापायबरोबर बिचार वतात. हातांत धाकली बालदी, बॉल आनी तुवालो)

भुरगीं : मम्मी आमी येतात.

वर्षा : आगो, ब्रेकफास्ट करनास्तना चल्ली तुमी?

बापूय : दूद घेतलें ताणी. खावंक येवन खातात खंय. रोखडो हाडटा तांका परत भुरगी

भुरगीं : मावशी, आमका उंडे घेवन दवर. येतात गे? आनी बटाटाची भाजी कर.

वर्षा : चलात, सांबाळून वचात. उदकांत चड फुडे वचनाकात. पप्पा बरोबर रावात.

बापूय : तू चिंता करनाका. येतात रोखडी

भुरगी : मम्मा, बाय! आण्टी बाय!

दोगाय : बाय! (आवय तकली धरून सोफार बसता)

वर्षा : ताई, अशी तकलेक हात धरून कितें जातलें? कशेंय करून सुप्रियाक सुधारचेंच पडटलें. चल सुशेगादीन चितया कितें करपाचें तें यो. आई (दोगाय भितर वतात) बरें करतली हें काम, तिकाय विचारया.

दुसरें दृश्य

(सुप्रिया शाळेतल्यान सामकें पुरो जावन येता. बॅग आपटीता आनी बूट काडून शेंवटून कॉनशाक भिरकायता. आवय सोफार सुशेगाद न्हिदून पुस्तक वाचता तें पळोवन.)

सुप्रिया : मम्मी उठ मगे? वाड म्हाका (आवय उठना तें पळोवन) न्हिदल्या कित्याक गे जिवाक बरें दिसना काय कितें?

आवय : बरें दिसना? परतें हांव बऱ्या मुडांत आसा. कितल्या दिसानीं म्हज्या आवडीचें पुस्तक वाचता हांव.

सुप्रिया : मम्मी जाणा मगे? आमच्या शाळेच्या स्पोर्ट्सडेची प्रेक्टीस चल्ल्या. आवय. आवय. दोन वरां वतात उबे रावन प्रॅक्टीस करूंक लायली. हात पाय दुखतात सामके. बांगडे सुकयतात तशें सुकयलें आंमका वतात इतली भूक लागल्या म्हण सांगू.

आवय : (न्हिदूनच) भूक लागल्या मगो? चल भितर बरी तांबड्या तांदळाची पेज केल्या ती रूचीक पेज आनी पापड, पोटभर जेवन घे.

सुप्रिया : कितें? पेज केल्या? कित्याक? म्हाका जोर आयला कितें?

आवय : आगो, सद्दा सकाळ-सांज जेवण करू करून म्हाका वाज आयलो. सकाळसावन रात मेरेन रांद, वाड, उष्टी काड वीट आयलो सामको. आता आठ दिस तरी पेजच करपाचें थारायलां हावें.

सुप्रिया : तुका वाज आयला जाल्यार त्या मोगरूक कित्याक सांगूक ना?

आवय : मोगरू? तें सकाळीच गेलें काम सोडून. ताका काम करून करून वाज आयलो खंय.

सुप्रिया : कितें? मोगरू काम सोडून गेलें? फाल्यां म्हजो बर्थ डे मगे? हावें म्हज्या सगळ्या फ्रेंडाक पार्टेक आपयलां. आता पार्टेची सगळीं कामां तुकाच करचीं पडटली.

आवय : हांव? हांव कांयच करचें ना घरा. इतले जाणांचे जेवण करूक म्हाका वाज येता. तुज्या पप्पाक सांग. तो हॉटेलातल्यान बी हाडटा जाल्यार पळय.

सुप्रिया : ग्रेट आयडिया (भितर पळयत) पप्पा? ए पप्पा?

बापूय : (भितरल्यान पोटार हात भोंवडायत धेंकर दितां दिता भायर येता) आज कितलें दिसांनी आवडीची पेज जेंवक मेळ्ळी. मात्शी चडच जेवलों शें दिसता. (सुप्रियाक पळोवन) आयलें गो? चल बरी रूचीक पेज जेवन घे.

सुप्रिया : पप्पा, पप्पा, मम्मीक जेवण करून वाज आयला खंय. फाल्यां म्हज्या बर्थडेक सगळ्या फ्रेडांक हॉटेलांत व्हेल्यार मज्जा येतली न्हंय? ग्रेट आयडिया हय पप्पा? सगळी जाणां सामकीं हॅपी जातली.

बापूय : इतले जाणांक हॉटेलात व्हरप? कितले पैशे खर्च करचे पडटले जाणा मगो तू?

सुप्रिया : कित्याक भिता रे तूं? आमचेकडेन कितलेशेच पैशे आसात.

बापूय : ते सगळे पैशे आमच्या फुडाराखातीर सांबाळून दवरचे पडटले.

सुप्रिया : अशें किते रे पप्पा? तू आनिक कितलेशेच जोडशीत.

1048

बापूय : हांवे नोकरी सोडपाची थारायल्या नकळ तूं?

सुप्रिया : कित्याक? दुसरी बरी मेळ्ळ्या काय कितें?(खोशेन विचारता)

बापूय : दुसरी नोकरी? आनी आनी नोकरी करचो ना हांव. हांवे आता शिर्विसच करचो ना अशे थारायला. काम करून करून जीव विटलो म्हजो. आता बरो सुशेग घेवप अशें थारायलां हावें.

सुप्रिया : म्हज्या स्कुलाची टूर वतली, त्या टुराचे पांच हजार रूपया पुण दितलो मरे?

बापूय : पांच हजार? ना म्हळें न्हंय? आता आसा तो पैसो सांबाळून खर्च करूंक जाय.

सुप्रिया : आजे ए आजे! शी बाबा! ह्या सगळ्यांक कितें जाला तेंच कळना आजे?

आजी : (भितरल्यान भायर येत) आयले गो बाय शाळेतल्यान? चल भितर. बरी पेज केल्या. जेवन घे.

सुप्रिया : भायर उडय ती पेज. म्हाका काय नाका तुमचें. आजे, तू तरी सांग मगे पप्पाक तो शिर्वीस सोडून घरा बसतलो खंय!

आजी : (खोशी जावन) खरें? जाव बाये. देव पावलो. कसल्यो गो बाये ह्यो हालींच्यो शिर्विशी. रात-दीस सारके जेवण-खाण पुसून घेंवक वेळ मेळना. कितली वर्सा जाली. कष्ट काडटा बाबडो.

सुप्रिया : आगे? तुका कितें फकाणां दिसली? ही मम्मीय फाल्या बर्तडेचे जेवण बी कांय करचीना म्हणटा. पप्पा म्हजे फ्रेंडाक हॉटेलातय व्हरचो ना खंय. म्हाका लज करपाचेंच थारायलां ताणी.

आजी : तशें न्हंय गो. पुण मम्मी बाबडी रात दीस वावुरता रांदचे कुडींत तिका वाज आयल्यार अजाप. ना, हांवय आता जाण्टी जाल्या म्हजीय काय मदत ना तिका. (इतल्यान दारार बेल वाजता) बापूय वचून दार काडटा.

जॉन : पात्रांव, रागार जायनाका हा! सुप्रिया बायन माकोडे ड्रेस शिवोंक लुगट दिलोले. पुणड्रेस शिंवप जालेंचना. रात-दीस शिवण करून करून सामको वाज येयला म्हाका.

सुप्रिया : कितें? तुवे म्हजो ड्रेस शिवंक ना? फाल्या बर्थ -डेक हांव कितें घालू? पयलीं तरी हाडपाचें न्हंय लुगट? हांव रेडिमेड पुण घेतलें आशिल्लें मरे! तातूतय आयज आयतार सगळी दुकाना बंद.

जॉन : हांव कितें करतलो बाय? रात-दीस रोप शिंवोन -शिंवोन जीव विटलो म्हजो. वाज येयलो म्हाका घे हें तुजे लुगट.

सुप्रिया : असो ऐन वेळार घात माल्लो मरे तुवे म्हजो? फटींग खंयचो घातमारो.

आवय : शू.... सुप्रिया? जाण्टयांक अशें म्हणटात गो?

सुप्रिया : (रडकुरें जावन) पप्पा पळय मरे. आतां हाव बर्थ-डेक कितें घालू?

बापूय : (ताजेकडेन लक्ष दिनास्तना) हाचे पयलीं तुवे सदांच आमचे कपडे वेळार शिंवन दिल्यात. आता तुका वाज येता ताका तूं तरी कितें करतलो? तू वायट दिसून घेनाका. चल घरा वचून सुशेग घे.

जॉन : थँक्यू पात्रांव देव बरें करू. सुप्रिया बाय रागार जाय नाका. येता हां!

सुप्रिया : पप्पा हाऊ मीन! हांव फाल्या बर्थ-डेक कितें घालूं? (पाय आपटून रडटा.)

आजी : बाय सुप्रिया, यो शाणें म्हजें जेंवक यो. वाडटा तुका.

सुप्रिया : म्हाका कांयच नाका तुमचें. कुसकी खंयची. (तोंड लिपोवन रडटा.)

आजी : आगो, अशें ल्हान भुरग्याभशेन रडटा कितें? कितेंय उपाय सोदून काडया मगो?

सुप्रिया : असो म्हजो घात करून कसलो उपाय सोदून काडटली तूं? म्हाका लज करपाचीच थारायल्या तुमी सगळ्यांनी.

आजी : सुप्रिया, तकली थंड दवरून मात्शें चिंतून पळय. तू सद्दां म्हाका हें करूंक वाज येता तें करूंक वाज येता म्हणत आसता.

सुप्रिया : येताच म्हाका वाज. हांव किते तुमचे सारकें मुद्दाम करता?

आजी : तशें जाल्यार एक दिस तांणी सगळ्यांनी आपणांक काम करूंक वाज येता म्हळ्यार तुका इतलो कित्याक राग आयलो?

सुप्रिया : ऐन म्हज्या बर्थ-डेच्या वेळार सगळ्यामुखार म्हाका लज करूंक तुमकां बरें दिसलें मगे? आता म्हाका कांयच सांग नाकातू. म्हजो बर्थ-डे बी काय करनाकात फाल्या. कांय गरज ना म्हाका.

आजी : आगो प्रत्येक जाण तांची तांची कामा तोंड धापून वेळार करतात म्हणुनच तुका सगळे वेळार आयते तयार मेळटा. चितलां तुवें केन्ना। तुजी सगळीं कामा दुसऱ्यांनी करचीं अशें तुका दिसता. तु केन्ना दुसऱ्यांची सोडच, आपलें पुण काम वेळार करता? याद करून पळय.

आजी : (सुप्रिया जाप दिना. तकली लिपोवन रडटा.) तुका लज जाल्यार आमकां बरें दिसता? चल हांव कितें सांकता तें आयक. तुज्या बर्थ-डेक तुका ड्रेस हाडून दवरला तो दाखयतां तुका. तूं आमचे सामके अपुर्बायेचे मगो? आनी तुज्या

सगळ्या फ्रेंडाक पार्टी दिवपच. आमी हॉटेलांतल्यान जेवणाची आर्डर दिवया. हांव पैशे दितां तुका यो. बाय शाणेंच. जेवन घे चल. आगो प्रत्येकान आपापलें काम वेळार केलें जाल्यारच आमचे जीवन सुखी जातलें. चल ड्रेस दाखयतां तुका.

सुप्रिया : (तकली सकयल घालून) आजे तूं म्हणटा तेंच खरें. हांव आता म्हजी सगळीं कामा हांवूच करतलें. आळशीपणा सोडून बरें शिकून व्हड मनीस जातलें आनी तुमचें नाव वयर काडटलें म्हाका नवो ड्रेसय नाका आनी पोर्टेक पयशेय नाकात. म्हाका व्हड आनी गुणेस्त मनीस जांवक फक्त तुजो आशीर्वाद दी. (अशें म्हणून आजेच्या पांया पडटा.)

आजी : (ताका वेंगान घेवन) देव तुका बरी बुद्ध दिंव. बरें जांव तुजे!

सोंपता

वेंचणुकेची सभा

(एका खेड्यातली वेंचणुकेच्या दिसातली सभा. गांवचे तरेकवार लोक, जाण्टे, बायल तरनाटे सगळीं आमदाराची वाट पळोवन वाजेल्यांत. इतल्यान माचये फाटल्यानच्या आवाज येता-)

आमदार सायब आयले, आमदार साबय आयले...

(माचयेर बशिल्लो मनीस-सरपंच-लोकाक उठून उबे रांवक सांगता आनी आपूण आमदाराव हाडूक दाराकडेन वता इतल्यात आमदार आनी कांय लोक येवन माचयेवेल्या कदेलां बसतात. आमदार लोकांक नमस्कार करता आनी लोक म्हण्टात-श्री गुण्डापती की जय!)

सरपंच : जाण्टयांनों, नेण्ट्यानो आनी सगळ्या मोगाळ मतदारांनों! आमचे भौमानेस्त आमदार श्री. गुंण्डापती हे आज आपलो मोलादीक वेळ खर्चून आमकां सगळ्यांव मुजरत मेळूंक आयल्यात. म्हणून हाव तांका फुलांझेलो दिवन येवकार दिता (माचयेच्या कोनशाक वचून फुलां झेलो हाडटा आनी दिता).

एकलो तरनाटो : हो सरपंच आमदाराचो चमचो काय कितें रे?

दुसरो तरनाटो : चमचो खंयचो? दवलो, दवलो, पळय कसो लाळघोटेपणा करता.

एकलो जाणटो : ह्या आमदाराक हाच्यापयली हावें केन्नाच पळयलो ना मरे!

दुसरो जाणटो : आरे सभाग्या, गेल्ल्या वेचणुकेवेळार तो मतां मागूंक आयिल्लो मरे, विसरलो तू?

एक तरनाटो : तो हो? आरे बाबा? तेन्ना सामको बारीक खोडू कसो आशिल्लो.

दुसरो तरनाटो : आता पळय तो खोडू जालो लाडू. तोंडाचो जाला बोटाटो आनी पाटाचो जाला बोंमाडो. (बायलो तोंडाक पदर धरून हासतात).

जाणटेलो : (त्या तरनाट्यांक) शू--! ओगी बसात रे! सुबेज खंयचे.

सरपंच : आमचे मोगाचे आमदार श्री. गुंण्डापती हांची पवित्र पावलां आमचे गांवच्या

भुयेंक लागिल्यान आमची भूंय पवित्र जाल्या. आमची खोस परगटावपाखातीर आमी आतां एक गीत सादर करून तांका येवकार दिवया. (माचयेच्या कुशीक उब्या आशिल्या कांय भुरग्यांक कुरू करून माचयेर येवपाक सांगता. भुरगी आपापल्या जाग्यार उबीं रावन गायतात.)

जय जय, जय जय, जय जय,
जय देवा, जय देवा, जय गा आमदार,
कृपा तुजी जाल्यार अरिष्टां काबार
माथ्यार सोबता तोपी तुजी धवी धवी,
कर्तुपां गा आसू काळी कुट्ट जरी
पोट पळय लांमता धोलुक कशें
कितलो दुडू खाला तें जाणचे गा कशें?
जय देवा, जय देवा, जय गा आमदार,
कृपा तुजी जाल्यार अरिष्टां काबार
तुस्त तुजी कितली करची गा कळना
पैशे चारल्याबगर नोकऱ्यो गा मेळनात
जय देवा, जय देवा, जय आमदार गणा
पांय तुजे धरल्याबगर कशीच सुटका ना
जय देवा, जय देवा, जय गा आमदार,
कृपा तुजी जाल्यार अरिष्टां काबार

सरपंच : आमदार महाराजाचो जयजयकार आसूं (लोकांक म्हणूंक कुरू करता)

लोक : आमदार म्हाराजांचो जयजयकार आसूं.

सरपंच : भावांनो, भयणींनो आनी तरनाट्यांनो! आतां आमचे आमदार श्री. गुण्डापती हांका हांव विनंती करता कीं, आपल्या भाशणातल्यान ताणीं आपली मोलादीक उतरां -फुलां आमच्या गांवच्या भूंयेर शिंवरावचीं

आमदार : (भाशणाक उबो रावन) म्हज्या सगळ्या कालच्या आयच्या आनी फाल्यांच्या उदेत्या मतदारानो, हांव तुमचे गावात पावलो हाची म्हाका खूब खोस भोगता.

एक तरनाटो : पूण आमकां मातपुसून भोगना.

आमदार : कितें? तुमका खोस भोगना? कित्याक?

एकलो तरनाटो - भुकेल्या पोटार तुजी वाट पळयत आमी कितलो वेळ हांगा वतांत

तापतात जाणा तू? पापड कशे सुकयले आमका हांगा.

एकटो बेबदो : (उबो रावन) पापड? कोण भाजता रे पापड? दोन - चार हांगा हाडरे !

एक जाणटो : (ताका सकल बसयत) आरे वोगी बस रे! (ताका हाताक धरून बसयता पू ताचो हात बेबदो झाडून उडयता)

बेबदो : आरे, सोऱ्याबरोबर कुरकुरीत पापड काय बरो लागता म्हण सांगू? हाड रे त हांगा.

दुसरो जाणटो : हाका कोणे आपयला हांगा कोण जाणा! (बेबद्याक) बस रे असो!

आमदार : पोटा भुकेर बसल्यात? जेवन कित्याक येंवकनात?

एक तरनाटो : पोटभर जेवण आसा खंय घरांत? गरीबीक लागून आमकां कितलेशा जाणांक अशेंच उपाशी रावचें पडटा.

आमदार : मागीर काम करात आनी पैशे जोडात.

दुसरो तरनाटोः काम करूं? आमका शिर्वीस दिता कोण? तूं दिता?

आमदार : हांव? हांव सगळयांक काम कसो दितलों? म्हाका आनी कामां ना काय किते?

तरनाटो : मतां, मागूक आयिल्ले तेन्ना कित्याक उतर दिल्लें तर? आनी तूं आमदार कित्याक जाला तर?

आमदार : हांव आमदार जालां जनतेची सेवा करूक तुजे काम करूंक न्हंय आनी तू इतलो उलयता तो तुवें म्हाका मत तरी दिलां?

तरनाटो : दिलां तर? एक फावट न्हंय, दोन फावट. स म्हयन्यात पयलें सरकार पडलें म्हण परतो चान्स मेळ्ळो म्हाका.

आमदार : इतलो पिटपिटटा तों शिकप कितले जालां रे तुजें?

तरर्नाटो : हाव ग्रॅज्युएट आसां.

आमदार : कितें? चोवीस वर्सा तुका? सामको एदोसो शेड्डो कसो दिसता मरे तूं.

तरनाटो : शेड्डोच दिसता? म्हाका तर अजाप दिसता हाव भेड्डो आनी कुड्डो कसो जालों ना काय म्हण. आमच्या वाडीक फावो तशें खांवक-जेवंक मेळूंक नाका?

सरपंच : हे पळय आमदार सायबाक आनीक कितलेशाकडेन भाशणां दिंवक वचपाचे आसा. तू ताचो वेळ वोगडायनाका.

आमदार : तू काम कितें करता रे?

तरनाटो : ह्या ऑफिसांतल्यान त्या ऑफिसांत खेटो घालप. आनी घरा वतकीच आवय-

बापायचीं उलोवणीं खावप.

आमदार : तशें जाल्यार रोजगार केंद्रात नांव कित्याक घालूं ना?

तरनाटो : ॲप्लॉयमेंटात? चार वर्सा जालीं नांव घाल्यार. म्हजी फायल खंयच्या कोनशाक माल्या कोण जाणा.

आमदार : ओगीच कोनशाक कित्याक मारतले?

तरनाटो : म्हजेकडेन वजन ना वजन. म्हजेकडेन गुड्डो लावपाक दुडूय ना आनी फावोर घालपी कोण मंत्रीय ना. आमी अडचणी सांगप कोणाक?

आमदार : हांव आसा न्हंय? तू कित्याक भिता?
तर भावांनो, भयणींनो जनतेची सेवा करपाक आमी वेंचून आयल्यात. पुण वर्सां कशी गेलीं कळ्ळेंच नां. फाटले फावटीं जिकून येतकीच जी कामा करतलों अशें हावें तुमकां उतर दिल्लें तीं चडशी करपाचो हावें वचन केलां.

एकलो : हीं साप्प फटींगपणा मरे!

तरनाटो : तुवे कसलीं वचना दिल्ली तीं याद पुण आसा तुका?

आमदार : आमी गावांगावांनी भाशणां करतात. तेन्ना जायती वचनां दितात. आमकां सगळीं कशीं याद उरतलीं?

तरनाटो : मागीर दिता कित्याक? लोक ताळयो मारतात म्हण?

आमदार : आरे, तु सामको तन्नो आसा अजून वचन दिवप हें आमचें कामच आसा. तुका पुण याद आसा हावे कसलीं वचना दिल्लीं तीं?
कसलो नागरीक जातलो रे तूं? अशा तरनाट्याक लागून देश बुडटलो मरे!

तरनाटो : देशाचे मागीर पळोवया. पयली आमचो गांव बुडटा तें पळय.

आमदार : आरे सायबा, गांव बुडटा जाल्यार तो गावकऱ्यानीं वाटवपाचो.

दु. तरनाटो : गावकऱ्यांनी कितें करपाचें आमी पळयतात, पुण तुगेले काम तरी तू कर मरे! आमच्या गावांत सारके रस्ते नात, रस्त्यार लायटी नात. नळांक उदक येना, शिकिल्ले बेकार तरनाट्यांक शिर्वीसो नात.ही सगळी कामां तुवे करपाची. ती केन्ना करतलो? शिर्वीसो नात.ही सगळी कामा तुवे करपाची. ती केन्ना करतलो?

आमदार : हांव अशें वचन दितां कि, फाटल्या फावटीं वेंचून येतकीच जी कामां हांव करूंक पावलो ना, तीं सगळीं कामां ह्या फावटी वेंचून येतकीच रोखडी करतलो.

एक तरनाटो : आमकां तुजी सुकी वचनां नाकात. आमी ह्या फावटीं तुका मत दिवचे नात.

आमदार : अशें रागान फुगून तुमची कामा कशीं जातली? मात्शे समजुतीन घेयात. ह्या

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
2737
विश्व कोंकणी केंद्र

फावट म्हाका वेंचून हाडात. हांव शेर्त तुमची सगळीं कामां करतां.

तरनाटो : आतां गांवचे तरनाटे शिकल्यात. आमकांच आमच्या गांवची उदरगत कर पडटली. गेल्ल्या फावटी तुका मतां दिवन पस्तावले आमी.

एक जाण्टो: आरे तुमीं तन्ने भुरगे. कितें कामां करतले? तो जिकून आयल्यार करत म्हणटा न्हंय? वोगी बस पळोवया.

तरनाटो : वोगी बसू? तुमी वोगी बसले म्हण हे आमदार तुमच्या माथ्यार बसले.

आमदार : आब्बा? बरो पिटपिटटा मरे? वर्सां कितली रे तुका?

तरनाटो : म्हाका? सव्वीस.

आमदार : सव्वीस सामको पोराटो कसो. दिसता मरे!

तरनाटो : पोरांटो दिसू ना जाल्यार भुरांटो दिसू.

दुसरो तरनाटो : पोटभर जेवतले म्हळ्यार जेवण मेळना, न्हेसतलो म्हळ्यार कपडो न रांवक सारके घर ना. आमी वाडटले कशे?

आमदार : मागीर हांव किते करूं?

एक तरनाटो: आमका अन्न दी, रांवक घर दी, शिर्वीस दी.

आमदार : तू एकलोच म्हजो अपूर्बायेचो न्हंय. म्हाका सगळ्यांचीच चिंता करूंक जाय.

भुरगो : मागीर आमकां चुरचुरून भूक लागल्या. तुजीं सुकीं भाशणां आमकां नाका खावन-पिवन सुखी आशिल्या लोकांमुखार वचून भाशणां दी.

आमदार : चुकता तूं. आरे, खावन-पिवन सुखी आशिल्ले, सुशिक्षित लोक भाषण आयकनात. पोट भरतकीच मनीस सुस्तेता. सगळें सोपेपणान मेळटा त्या मनशांव म्हजी गरज नासता. जो भुकेला, तानेला, आशेला अशी गरीब जनताच आमचे खरो आधार. हांव तुमकां परत एक फावट वचन दिता, तुमीं म्हाका व्हड संख्येन वेंचून हाडात. हांव तुमची सगळीं कामां रोखड्या रोखडीं करून दितां.

एक तरनाटो : हावें सांगले न्हंय? आता आमची कामां आमीच करतले. आमी डिग्र्यो घेतल्यात, कांय दोतोर जातात, कांय इंजिनियर जातात आतां आमीच लिडर जातले. आमदार जातले आनी फुडें मंत्रीय जातले.

गुंडापती : आब्बा? सपना व्हडली व्हडलीं पळयतात मरे! शाळांनी आनी कॉलेजींनी शिक्षण घेतलां जायत तुमी. पुण पॉलिटिक्स खेळपाचे खाशेलें शिक्षण घेतलां तुमी?

ए. तरनाटो : ते आमी पळयतात. तू ताजो हुस्को करूं नाका.

ुंडापती : तशें आसत जाल्यार हांव विचारतां त्या प्रस्नांच्यो जापो दिवशात?

ेक तरनाटो : विचार बरे भशेन विचार.

ुंडापती :(एकल्याक) आयत्या वेळार तोपी कशी घुंवडावप तें जाणा तूं? (तरनाटो दुसऱ्याकडेन पळयता. हे आनी कितें? अशा अर्थान)

ुंडापती : तोंड बंद मरे? फटाशो बऱ्यो मारतालो. (दुसऱ्याक) तू सांग रे? ह्या बोटावेली थुकी त्या बोटार करप म्हळ्यार किते? (तोय बाबडो दुसऱ्याकडेन पळयता. जाण्टेले आपापसात खबरी करतात.) येना मरे?

तरनाटो : हांव कॉलेजीत जादू शिकूक वचनाशिल्लो.

गुंडापती : आरे, कॉलेजीत जादू करूंक जमना तो पॉलिटिक्सांत कशी तग धरतलो? (तिसऱ्या तरनाट्याक) तू सांग रे! समज, तुका लांच घेतना पोलिसानीं धरलो, जाल्यार त्या पोलिसाकच लांच दिवन आपली सुटका कशी करून घेवप हें शिकयलां तुका? (भुरगो वोग्गी) आता वोगी कित्याक रे?

एक जाण्टेलो : आरे, आमी जाण्टयांनी भर मर कष्ट करून तुमकां शिकयलें.

आनी एकलो : ताणें विचारिल्या एकाय प्रस्नाची जाप दिंवप येना मरे? लज मरे. तुमकां आनी आमकांय बी.

दुसरो : जाणटो - आरे, इतली वर्सां कॉलेजीत वचून हातूतलें कांयच शिकलेनात? मागीर शिकले तरी कितें रे तुमी?

गुंडापती : आरे, तोपी कशी घुंवडावप, ह्या बोटावेली थुकी त्या बोटार कशी करप, व्हडलीं व्हडलीं भाशणां दिवप पुण तातुतलें आपणें कांयच करप ना, वचनां व्हडलीं व्हडली दिवप, पुण ती केन्नाच खरी करप ना, आपणाक लज जाल्यार पुसून माथें उंच करून कशें भोंवप हें पयलीं शिकात. आरे, पॉलिटिक्साक डिग्री नाका, बिगरी पुसून चलता. पॉलिटिक्स म्हळ्यार खावचीं कामा दिसली रे? पयलीं हं सगळें शिकात आनी मागीरच आमदार आनी मंत्री जावपाची सपनां पळयात (जाण्टेल्यांक) म्हणून परत एक फावट मागतां तुमचेकडेन - म्हाका ह्या फावटी व्हडा संख्येन मतां दियात आनी उदरगत करून घेयात.

सरपंच : म्हणात रे! आमदार श्री. गुंडापती हांचो विजय आसूं.

सगळे जाण्टे : आमदार श्री गुंडापती हांचो विजय आसूं.

परत सरपंच - आमदार श्री. गुंडापती झिंदाबाद.

लोक : आमदार श्री. गुंडापती झिंदाबाद

लोक उठून वता. वतना खबरी करीत वतात. सरपंच आमदारा फाटल्या
वता.

परत भुरगीं येवन गीत गायतात

जय देवा, जय देवा, जय आमदार गणा,
कृपा तुजी जाल्यार अरिष्ट बादना
माथ्यार सोबता तोपी तुजी धवी फुल्ल
कर्तुपां गा आसू तुजीं काळी कुट्ट
जय देवा, जय देवा, जय आमदार गणा,
कृपा तुजी जाल्यार अरिष्ट बादनां
पोट पळय लोमता धोलुक कशें.
कितलो पैसो खाला कळचें गा कशें?
आश्वासनां आयकून कान गा किटले
फटींगपणा पळोवन लोक गा विटले
जय देवा -------- अरिष्ट बादना
पैशे मोडल्याबगर नोकरी गा मेळना
तुस्त तुजी कितली करची गा कळना
मतां मागल्याबगर तुका सुख लागना
पांय तुजे धरल्याबगर आमकां मोक्ष ना
जय देवा -------- अरिष्ट बादना

(सगळी -) श्री. गुंडापती की जय ।
श्री. गुंडापती की जय ।

सोंपता

फाल्तु ट्रॅव्हल्स

(एक मिनी बस लोकांनी अर्दी भल्ल्या. कंडक्टर आग्रो करून करून लोकांक हाडीत आसा.)

कंडक्टर : डायरे, डायरे, डायरे, तायगां, तायगां. यो, यो यो चल्ली चल्ली (करून लोकांक ओडून भितर धुकलता दोन तीन कॉलेजीची भुरगी, अेक माद्री भितर चडून बसतात. इतल्यान एक मोठेली नुस्तेकान्न व्हडलो पांटलो घेवन हातांत सत्री फुलोवन येंवक लागता. इतल्यांन एक पुडवेंकार येता ताका हाताक धरून) चड चड चल्ली चल्ली, डायरे डायरे -- (करून ताका भितर धुकलता. तो राग्गान)!

पुडवेंकार : डायरेक्ट डायरेक्ट म्हणटा आनी गोरांव गोरांव करून अर्देवर काडटा. फटींग खंयचे. (भायर उबो रावन पेपर वाचता.)

(नुस्तेकान पांटलो हांडीर घेवन, सत्री फुलोवन भितर सरूंक पळयता)

कंडक्टर : आगे सायबीणी, एदो व्हडलो पांटलो भितर खंय व्हरता? फाटल्यान डिकींत दवर.

नुस्तेकान्न : कॅबिनान घालांत रे? फाटल्यान नुस्ते चोरल्यार कशें कळटलें?

कंडक्टर : पाटल्यांचे दोबराद पैशे दिवचे पडटले. तूंच पयलीं एदी मोठी तातूंत एदो व्हडलो पाटलो. (दुसऱ्या पॅसेंजराक) यो यो, चल्ली चल्ली

नुस्तेकान्न : कितें? दोळे फुटल्यात रे? शापोतेर खंयचो वळखना कांय कितें म्हाका? (तसोच पाटलो घेवन भितर सरूंक करता. सत्रीय फुलयल्या तीय घेवन चडूंक सोदता.)

कंडक्टर : (तिजेर व्हडल्यान तापून) आगे ती सत्री पालय मगे? बसीत कितें वत लागता? काय पावस गे?

नुस्तेकान्न : पालयता मरे बाबाः असो सुण्याभशेन आंगार सो येता?

ड्रायव्हर : आगे, वेळ जाता. चड गे बेगीन. रागार जावचो ना जाल्यार कितें मोगान वेग घेतलो?

नुस्तेकान्न : (सत्री पालयता) हेंचे तोंडाक कोण लागतलो? बुरशे खंयचे! (पांटलो भि वचना देखून पुडवेंकाराक सांगता) मात्सो हात लाय रे बाबा? पुडवेंक फाटल्यान तिज्या कमराक हात घालून तिका वयर चडोवपाचो यत्न करत नुस्तेकान्न सामकी आंगार आयिल्ल्याभशेन) मोठा मालक्रियाद मरे तू? म्हज आंगाक हात लायता? (ताका राग्गान पळोवन) बरो दिसता सांत कस (ताका थापट दिल्याभशेन करून) थापट दितली धरून. सुबेज खंय (दुसऱ्याक) पळय मरे, पांटल्याक हात लाय म्हळ्यार कमराक लायता (भित बशिल्ले दोग-तीग जाण - आगे, मागीर झगड. पयली भितर सर. केदो वे जालो, बसल्यात आमी(नुस्तेकान्न पांटलो धुकलून भितर येवन बसूंक जा सोदता.)

एक जाण्टेलो : शी. हिंवळाण येता मगे. फुडें सर (ती फुडें वता)

आनी एक बायल : आंवय, घाणी मारतात. नुस्तें पोंवशेलां काय कितें? (आपसात)

दुसरो दादलो : आगे फाटी वच गे. वास सोसू नज. कसलेंय झेलांतलें कुशिल्लें नुस विकतात हालीं.

नुसतेकान्न : कितें? म्हुज्या ताज्या फडफडीत नुसत्याक कुसलां म्हणटा? (ताज्य नाकाकडेन हात व्हरून राग्गान) म्हजें नुसतें कुसलां?तुजें नाक कुसलां (लोव हांसतात).

बाकीचे : आगे, तू मात्शी कॅबिनात वचून बस. घामसाणीन पयलींच जीव नाका जाला तातूंत ही हिंमसाण.

एकली जाण्टी बायल : आगे, कॅबिनात वचून बस. म्हाका आफूड नाका म्हजो आज उपार आसा.

कंडक्टर : (बसीत येता) आगे, तू उपासा दिसा कित्याक भोंवता? (नुस्तेकान्नीक) बाये, तू मात्शी केबिनात वच. (तिका हाताक धरून भितर धाडटा.) (लोकांक) चला, घोळून रावात. ए, एके सायडीन राव. भुरगी मांडयेर, भुरगी मांडयेर आगे, ए मामी, आयकूंक येना? (दुसरेक) ए आण्टी? (ती लक्ष दिना) आगे, ए आण्टी? फुडें सर मगे? झेमेता गे?

आण्टी : कोणाक रे? म्हाका आण्टी म्हणटा? हांव इतली जांटी दिसता रे? दोळे फुटल्या दिसता हाजे. (लोक हांसतात)

एक मनीस : आगे, फुडें सर गे! ना जाल्यार हांगाच उरतले आमी.

आण्टी : पळय मरे! हांव आण्टी कशी दिसता?

कंडक्टर : आगे बाये चूक जाली. तू जाण्टी न्हंय हां! सामकी नेण्टी. (लोक हांसतात. एकमेकांत ताळी दितात.)

दुसरी एक बायल : सायबिणी, पांया पडटा, मात्शी वोगी राव. ह्या झगड्यांनी कान फुटले आमचे. (इतल्यान घांटी भुरगी पेप्सी घेवन भितरसरूंक करता)

पेप्सीवालो : पेप्सी, पेप्सी, मँगो पॅप्सी आयस कोल्ड पेप्सी. एक रूपया, एक रूपया. घे घे पेप्सी. ऑन रूपी, ऑन रूपी

कंडक्टर : अे, तू आनी खंय भितर सरता रे? (ताका हात धरून फाटल्यान काडटा) कंडक्टाराबरोबरचो ल्हान घाटी भुरगोय. आड्डटा).

ल्हान कंडक्टर : यो, यो, यो, यो, मारिकिट, मारिकिट, डायरे डायरे, डायरे, डायरे,तायगां, तायगां, चल्ली चल्ली.

एकलो पॅसेंजर : आरे, हो कंडक्टर तबलो बी शिकला काय कितें रे? तिरकीट तिरकिट धा, तशे मारिकिट, मारीकीट यो, करता मरे!

दुसरो पॅसेंजर - आरे खंयचोय घांटी पोर धरून हाडटात. ताका तिरकीट कितें आनी मारिकीट कितें - दोनय सारखे. पैशे मेळ्ळे काय जाले.

कंडक्टर : डायरे डायरे, चल्ली चल्ली मिरमा, मिरमा, मिरमा चल्ली यो यो तायगां, तायगां. (इतल्यान एक भेड्डो बसीकडेन येता)

भेड्डो : कितें? काळगां? ह्या शियांच्या दिसानी कोणाक जाय रे तुजी काळगां? पयलींच थंडेन म्हजें दांत शिणशिणटात

कंडक्टर : (तांका कांय आयकूक येना) तायगां, तायगां, यो यो चल भितर सर रे भेडड्याक हाताक धरून दाराकडेन भितर व्हरूक धरता. भेड्डो ताजो हात फाफुडटा आनी राग्गान)

भेड्डो : आब्बा? चोर? चोर कोणाक म्हणटा रे तू? (कंडक्टर पळयत रावता)

कंडक्टर : आरे, भितर सोर रे. सकाळी उठून कोपाचे मारून येयला सो दिसता.

एक पॅसेंजर : आरे, तू आनी ताजेकडेन उलोवन वेळ कित्याक काडटा? तो भेड्डो मरे?

दुसरो : एदोळच्यान सांगतात तुका. बस सोड मरे! तो एक भेड्डो, तूंय भेड्डो?

भेड्डो : (जनेल्याकडेन बशिल्या चलयेनच आपल्याक भेड्डो म्हळा अशें दिसून तिव पळोवन) आगो? म्हाका शेड्डो? जाल्यार तू बरी दिसता शिल्ली. (लो हांसतात) (त्या चलयेच्या तोंडाभोंवतणी हात उंवाळिल्ल्याभशेन करून) ह शिल्ली! आगे, तू खंय चल्ली? (लोक परत हांसतात.) बसल्या पळय लिपू जशी काय खडपांतली कुल्ली. (लोक परते हांसतात.)

एकलो पॅसेंजर : आब्बा? हो भेड्डो, बरी कवनां करता मरे.

दुसरो : हे बसीत एक एक सवंगा बरी पळोंवक मेळटात (इतल्यान चली जाग्यावेल उठून रागान भायर सरूंक करता. लोकांक धुकलता तेन्ना)

एकली बायल : आगो, खंय धुकलता? (तरी चली भायर सरूंक करता)

दुसरो दादलो : आगो, तू आनी खंय भायर सरता?

चली : हांव चल्ली दुसऱ्या बसींत. हो भेड्डो वोगीच म्हजो इन्सल्ट करता त पळोवनात तुमी? (एकल्याक) उठ, कुशीन सर. (इतल्यान एक उबी राविल्ली बायल)

बायल : (मोठ्यान) तू आनी खंय धुकलता गो? आवय गे! म्हजो पाय चिड्डिलो मगो पाड पडूं हाजे (तरीय ते रागान भायर सरूंक पळयता.)

कां लोक : आगो बस गो. त्या भेड्ड्याचे कितें मनार घेता?

चली : तो भेड्डो जांव ना जाल्यार कुड्डो हाव चल्लें हांव कितें कुल्ली?

सिस्टर : Sit my child. He is deff forgive him (तिका हाताक धरून बसयता. फाटीर थापटिता आनी परती बस म्हुण मानेनच सांगता.)

भुरगो : (एक ल्हान घांटी भुरगो) भिकणां भिकणां, टाईमपास, टाईमपास एक रूपया, एक रूपया टाइम पास (बस सुरू जाल्लो आवाज)

ड्रायव्हर : (बायलेक पळोवन) ए, कोसेंसांव, बरें मगो? बरें मात्ताय मगो पोझिसांव केन्ना येयलें गो?

कोंसेसांव : आरे? फाल्तु मरे? कसो आसा? आजूनूय बोसच चलयता रे? गाडी बा घेवंक ना?

ड्रायव्हर : तुजे भाशेन म्हाकाय शिर्वीस पळय मगो कुइटाक. मागीर गाडीच न्हंय विमान पुसून घेतां.

कोसेंसाव : हांव तुका कुइटाक व्हरू? तुजी बायल म्हाका जिती दोत्ता?

डायव्हर : यो गो कॅबिनात बस. कुईटाच्यो खोबरो पुण सांग मगो!

फ्रोंसेसाव : येता. (इतल्यान दुसरी बायल मेळटा)
युरिफिकेशन : कोंसेसांव गो? हॅल्लो? (एकमेकांक वेंग मारून पोल्याक पोलो तेंकोवन) फॉर्त मगो? आगो, तुका पयली वळखूंकच ना. बोरें फुगलां मुगो?
फ्रोंसेसांव : तू प्युरिफिकेशन मगो? सामके सुकलां मगो तू? भुरगी बा बरी मगो?
कंडक्टर : (बसींतल्यान) ये कोंसेसांव बस सोडटां. यो बेगीन तुज्या त्या पिकासावांकय हाड भितर.
एकलो पॅसेंजर : आरे त्या कोंसेसांवक आमी पिकासांवाक कित्याक आपयता रे?
दुसरो : तांका आनी खंय बसयतलो माथ्यार? आमकांच जाता हांगा फुगासांव.
एकलीबायल : पाड पडूं हांचें. बस कितलीय भरली तरी पोट भरना हांचे. दळदिरे खंयचें. बस सोड मरे आतां.
ड्रायव्हर : आगे, दळदिरे. कोणाक म्हणटा गे? तुका त्रास जाता जाल्यार गाडी घे. व्हडलो झेत दाखयता.
बायल : गाडी घेंव? बरे भशेन घेतां. पैशे तुजो मांव दितलो?
कंडक्टर : पात्रांव यो यो, चल्ली चल्ली. डायरे - डायरे, तायगां, तायगां (इतल्यांन एक पोलिस येवन पिल्लुक वाजयता. वच म्हण कुरू करता.)
एकलो दादलो : हो पोलिस इतलो वेळ खंय न्हिदिल्लो?
दुसरो : गेल्लो जातलो कुट्ट करूंक (हातान सोरो पिंवक अशें दाखयता) दोळे पळय पोंवशेंल्ल्या नुस्त्याभाशेन जाल्यात. (पोलिस परत पिल्लुक वाजयता)
पोलिस : (रागान) चल मरे! तुजो टाइम जावन गेलो. चल बस भायर काड (परत पिल्लुक वाजयता)
ड्रायव्हर : तू आमचे फाटल्यान कित्याक लागला? दुसऱ्यो बसी अजून वचूंकच ना मरे! तांचो टाइम जांवक ना?
टूरिस्ट : (एक टुरिस्ट शीख आनी बायल-भुरग्यां येतात. बसीकडल्या एका मनशाक) आप गोवा के है?
किरिस्तांव : हां. आम गोवा का है।
टूरिस्ट : ये बस किधर जाती है?
किरिस्तांव : तुमको किधर जाना माँगता? तुम भायलो हाय क्या?
टूरिस्ट : हम दिल्ली से गोवा देखने आये हैं।
किरस्तिांव : आचा! तुम गोवा देखने आया! तुमने क्या क्या देखा?

टूरिस्ट : हमने कळंगुट देखा, बागा देखा, ओल्ड गोवा देखा और क्या देखनेलाय है?

किरीस्तांव : आवयस! जायतें है। मंदिर देखा?

टूरिस्ट : हाँ, सब मंदिर देखा। आग्वाडो फोर्ट देखा, मिरामार बीच देखा, सब देख

बसीतलो मनीस : (मोठ्यान) गोवा का फेमस सिटी बस देखा?

टूरिस्ट : (हांसता) सिटी बस? उसमें क्या देखने का? हमारे दिल्ली में कितनी सारी बसें है

दुसरो पॅसेंजर : आरे गोवा आय तो सिटी बस देखनाच माँगता। आव आव

बायल भुरग्या : हमें बस नही देखनेका चलो जी!

कंडक्टर : (परत तांका ओडटा) अरे ऐसा बस तुम्हारे दिल्ली में क्या? पूरा इंडियामें भ देखने को नही मिलेगा।

दुसरो मनीस : हम सांगता है ना तुम आव रे!

टूरिस्ट : (बसीत वचत) अरे भाई, हमारे पास टाइम नही। हमें बस नही देखना है.

एकलो : हम सांगता है ना? आयको रे!

दुसरो : डरता कायको रे? (कंडक्टर तांका भितर धुकलता)

कंडक्टर : घोळून रावात. भितर सरात रे!

बायलो : आरे, ह्या शिकड्यांक आनी भितर खंय घालता रे? गोंयकारांकच पयली जागो ना.

कंडक्टर : अरे हमारे बस में ट्रॅव्हल करेगा तो सदाच याद दवरेगा। (पिल्लुक मारता) जाव, आगे जाव. चल वच (ड्रायव्हराक) (बस फुडे लता असो आवाज लोक बशिल्ल्याकडेन धोलिल्याभशेन दाखयतात. एकमेकांचेर पडटात)

कंडक्टर : डायरे, डायरे, मिरमा, मिरमा, तायगां, तायगां (थोडो वेळ बस वता इतल्यान ठो करू मोठ्ठो आवाज जाता.)

(टूरिस्ट मोठ्यान किळच्यो मारतात. बोवाळ करतात.)

टूरिस्ट : भागो, भागो, बम फूटा, भागो (करीत लोकाक धूकलून भायर येवपाचो यत्न करता. कंडक्टर भायर येता. बाकीचे लोक सुशेगाद)

एकलो : (टुरिस्टाक) : आरे भायर कहाँ जाता है रे?

दुसरो : सुशेगाद बैठो रे!

टूरिस्ट : रागान बॉम्ब फूटा और बैठो बोलता है? अरे, हम गोवा देखने आये है.

बायल : यहाँ मरने नहीं आये है। चलो जी (तीय धुकलता)

भुरगी : पप्पा, भागो, भागो (भुरगी रडटात)

एकलो : आरे, बॉम्ब फूटने को ये क्या तुम्हारी दिल्ली है?

टूरिस्ट : क्या बात करते है? यहाँ बॉम्ब नहीं फुटता?

दुसरो : आरे बाबा नहीं! कभीच नहीं।

पयलो : आरे यहाँ सिर्फ बस का टायर फूटता है। आराम से बैठो। (कंडक्टर भितर येता)

कंडक्टर : चल्ली, यो, यो, डायरे, डायरे (बस सुरू जाल्याचो आवाज) मिरमा, मिरमा, मारिकिट, मारिकिट, डायरे, डायरे, डायरे...

सोंपता

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
2737
विश्व कोंकणी

अंदू मॅट्रिकेके मगो तू?

पयलें दृश्य

(रेश्मा अभ्यास करता. भायल्यान अभ्यासाचें पुस्तक आनी भितर स्टार आन
स्टायल वाचता. भितरल्यान आवय दुदाचो पेलो ट्रेचेर दवरून घेवन येता. पेल
मेजार दवरून लोकाक पळोवन)

आवय : (हांसत रेश्माकडेन हात दाखयत) अंदू मेट्रिकेक आसा म्हणून ह्यो अपुरबाय करच्योच पडटात (रेश्मा म्हऱ्यांत वचून) बाय आता पुरो कर मात्सो अभ्यार आनी हें दूद हाडलां तें पियेवन उडय पळोवया!

रेश्मा : (तकली पुस्तकांत.) पिता गे दवर.

आवय : पळयला? दनपारच्यान बसलां अभ्यास करीत. खाणा-जेवणाचेर लेगीत लक्ष ना. बाय, पुरो गो आता. (लोकाक) दिस-रात अभ्यास करूंक सामकें सुकलां बरें जालें गे बाये! आमच्या वेळार नाशिल्ल्यो गे बाये ह्यो जिवाच्यो भोयो! न जाल्यार म्हजी माणुसकी आशिल्ली? च्चे पळयले अभ्यासात कशे गुल्ल जाला? अशें आयकुचेंच ना हें! (पुस्तक ओडून घेता) हाड पळोवया तें पुस्तक! मागीर वाच (स्टार आनी स्टाइल सकल पडटा, तें पळोवन) आवय आवय! हो अभ्यास चलिल्लो दनपारच्यान? हांवय म्हणटां, सामकें गुल्ल जावन केन्नाच्यान असो अभ्यास करूंक लागलें काय म्हण! कितें काय पळयल्यार स्टार आनी स्टाइल? उजो लाय त्या अळशिकावण्या मॅगझिनाक.

रेश्मा : हाड गे तें हांगा!

आवय : आब्बा! वेल्यान म्हाका तापयता? अंदू मॅट्रिकेक मगो तू? परीक्षा सामकी फाटीक तेंकल्या आनी तू ही अळशिकावणी पुस्तकां वाचता? कोणे दिलें गो हें पुस्तक तुका?

रेश्मा : हावें हाडूंक ना! बाबानच हाडिल्ले ते ऑफीसातल्यान.

आवय : कितें? तुजो बापूयय वाचूंक लागलो ही पुस्तका? आनी म्हाका लिपोवन? परमेश्वरा पाव रे बाबा!

रेश्मा : तूं आनी एक! आगे ताच्या ऑफीसातली क्लार्क काम करचें सोडून हें वाचताली खंय! म्हण ताणे काडून घेतिल्लें. तें उल्ले खंय ताचे बेगांत.

आवय : अशें सांग. म्हाका दिसलें हाका म्हातारचळ बी लागला कांय किते?

रेश्मा : आई कितेंय उलयनाका. हांव बाबाक सांगतलें.

आवय : तुजी सुबेजपणा नाकात. तोंड बंद कर. शेजारी-पाजारी सोयरे-दायरे, गांवभर लोक विचारतात. अंदू चली मॅट्रिकेकमगे? पेटलां मगे अभ्यासाक? आनी हांगा पळयत जाल्यार तुजे अकलेक लागला उजो.(भितर पळोवन) आयकलां? (मात्शें रावन)

रेश्मा : आई, बाबाक सांग नाका गे. (तिजे तोंड हातान धांपता)

आवय : (भितरल्या दाराकडेन वचून) कितें म्हणटा हांव? ही पळय तुजे अपुर्बायेच्या धुवेन अभ्यासाची नवी स्टाईल सोदून काडल्या पळयल्या?

रेश्मा : आई, आगे आत्ताच मात्शे घेतिल्लें गे! हांवे वाचूक! बाबक सांग नाका गे!

आवय : अंदू मॅट्रिकेक कितें दिवे लायतलें तें तुमीच दोळ्यानी पळयात आयकलां? (मोठ्यान)

बापूय : (भितरल्यान भायर येत) कितें? कितें जाला? आतां ऑफीसातल्यान पुरो जावन आयला हांव येवन मात्सो पेपर वाचतालो. आयली वॉर्द. सामको शेंपेडेक उजो लागिल्याभशेन कित्याक आड्डता?

आवय : वेल्यान म्हज्या शेपडेक उजो लागला काय विचारता? विचारा तुमच्या अपुर्बायेच्या धुवेक. घराक उजो लावक उठलां. (ताचो कान पिळीन) नाक कापूक उठलां तें आमचें नाक!(ताजो कान धरून पिळटा)

रेश्मा : आवय आवय कितली आड्डता गे?

आवय : आड्डना हां आड्डना! दिवे उबळटा दिवे! ह्या सायबिणीक एक म्हयनो जालो हांव ऑफीसातल्यान लीव काडून घरा रावला बायची सेवा करूंक.

बापूय : पुरो गे आता. अशें पिशे लागिलेवरी कितें उलयता? कितें जाला ते तरी सांग.

आवय : वेल्यान म्हाका पिशें लागला काय विचारता? हय, हय, म्हाका पिशेंच लागपाचें उल्लां. पुण म्हाका पिशें लागलें, नाजाल्यार उजो लागलो तरी तुमचें कितें सरता?

तुम्ही स्वस्थ बसतले पेपर वाचीत. पांय वरशे करून!

बापूय : हिजे जिबे मुखार माणुसकी ना रे बाबा! आतां कुवाड्यानीच उलयतली काय.

आवय : हाका मॅट्रिकेक बरे मार्कस पडचे म्हण हांव उपास-तपास करतां. सांगण्यो-आंगण्यो करता. हाची बरी सेवा जावची म्हण ऑफीसातल्यान लीव घेव रावलां. हाका लागून म्हजो टी. व्ही. पार्ट्यो सगळे बंद आनी हें पळयला कि वाचतालें? स्टार आनी स्टाइल.

रेश्मा : रात दीस अभ्यास करून वाज आयलो म्हण मात्शे घेतिल्लें हातांत.

आवय : लज दिसना तुका? मॅट्रिकेक मगो तूं अंदू? आमच्या वेळार असल्यो अभ्यासाच्य स्टाईली नाशिल्ल्यो. फटींग खंयचे!

बापूय : आता तें अभ्यास करतले म्हणटा न्हय?

आवय : तुमी ओगी रावात. पडिल्लो दांत कसो मर्दी मर्दी उलयतले (लोकाक) हाक ९० टक्के मार्क्स पडचे म्हण हांव हांगा जीव घसटीता आनी हो दादलो थंड झे कसो.

बापूय : तूच जीव घस्टिता? प्रिलिमीचे वेळार हांव लीव काडून रांवक ना तर? सगळ तयारी करून घेतली हांवे. म्हाका म्हजी चली इंजिनियर जाल्यार सी. ए. जाल्लें नाका तर? कित्याक?

आवय : इंजिनियर ना जाल्यार सी. ए. कित्याक?फाल्या लग्न जातकीच घोवागेर वतले? आमका कितें मेळटलें? हांव ताका दोतोरच करतलें म्हज्या जाण्टेपणात म्हाका गरज पडल्यार वकदा फुंकट दिंवक तरी उपकार पडटले.

बापूय : जाली सुरवात कोंबी कशी झगडटली हांवे सी. ए. म्हळें काय हिणे मोडटो घालोच. म्हजें एकलें एकसुरें भुरगे तें म्हजे भुरगेपणाचें स्वप्न आशिल्ले. सी. ए. जावचो म्हण. पुण पांच-स फावटी आपटी खाली मॅट्रिकेक म्हजे रेश्माक तरी सी. ए. करतलोच हांव.

आवय : हय पळयता कशें सी. ए. जाता तें (लोकांक) म्हाका भुरगेपणांत दातोर जावपाची खूब्ब उमेद आशिल्ली पुण...

बापूय : पूण कितें? गाडी रूळावेल्यान घसरली ती मॅट्रिकेचे फुडेंच वचूंक ना. आनी दोतोर जातली आशिल्ली खंय! परीक्षा म्हळी काय हिका शेळो घाम फुट्टालो खंय!

आवय : हांव आता वोगी रावची ना? हांव दोतोर जाल्लीच जाल्यार तुज्यासारख्याकडेन

लग्न जातली आशिल्ली काय कितें? (लोकाक) हाका बि. ए. जावंक तीन वर्सा लागली खंय.

बापूय : बरें सायबिणी बरें (लोकांक) ह्या राक्षिणीकडेन आनी वाद घालपाची माणसुकी आसा? एक सांग म्हाका इतल्या ताकतिकेन कित्याक आपयिल्लो.

आवय : तुमची ही अपुर्बायेची धूव दनपारपासून हांगा बसून कसलो सब्जेक्ट तयार करता जाणा? हो पळय स्टार आनी स्टायल! ही अभ्यासाची स्टायल. शाळेत टिचरीनी शिकयल्या काय ट्यूशनाक वता त्या मास्तरांनी शिकयली गो? पापणी उलय मगो?(केस धरून हालयता)

रेश्मा : अशें आंगार आयिल्ल्याभशेन किते करता गे? (रडूंक लागता)

आवय : तुका जर ९० टक्के मार्कस् पडले नात जाल्यार सोडटा काय कितें? जिवेच मारून उडयता.

बापूय : शी! कितें आकांत आयिल्ल्याभशेन उलयता?

आवय : आकांत आयलाच. आमगेल्या शेजारांल्या मनिषान गेल्या वर्सा ८५ टक्के मार्कस मेळयले. म्हज्या मावशेभावाच्या मेवण्यान ८८ टक्के. इतलेच कित्याक? गेल्या वर्सा म्हज्या वावराडेच्या चलयेन पुसुन ८० टक्के मेळयल्यात. आनी हाका जर आता ९० टक्के तरी मार्कस पडलेनात जाल्यार म्हाका आनी तोंड दाखोवंक मेळटलें? (रेश्माक) कर गे पापणी करगो अभ्यास! (केसांक धरून ओडटा)

रेश्मा : आवय, आवय गे!

आवय : घुंवळ आयिल्या भशेन (सोफार पडटा) आवय गे ! हाच्या मेट्रिकेन म्हजो जीव काडलो रे! आवय...देवा सोसू नज रे! देवते पाव गे बाये!

बापूय : मात्शी सुशेगाद न्हीद पळोवया. (वारो घालता)

आवय : आवय, आवय, ताळो सामको सुकला. हाड गो मात्शें तें दुद हाड पळोवया

रेश्मा : घे. थंड राव पळोवया.

आवय : आवय! सामको कलकल सुटला.

बापूय : हांव दोतोराक आपयतां.

आवय : नाका नाका. तो न्हिदेच्यो गुळयो दितलो. मागीर हाचेर नदर कोण दवरतलो? आवय! हाची परीक्षा जाय म्हणसर हांव आनी जितें उरना रे देवा?

बापूय : चल. भितर वचून सुशेगाद न्हीद. रेश्मा तू तुज्या अभ्यासाक वच. तशी बरी आसा ती. (तीका हाताक धरून भितर व्हरता.)

दुसरें दृश्य

(दारार पाटी दोतोर मा. र. पी. (M.D.) (BOMB)

(दोतोर, मेज, कदेल. कुशीक एक नर्स. दोतोर कदेलार पसला मुखार मे शेजारा पेशंट तपासपाचे लांब मेज)

दोतोर : सिस्टर पेशंटाक धाड

नर्स : (भायर पळोवन) मिसेस वंदना?

मि. वंदना :(कुडकुडत भीतर येता कदेलार बसता बरोबर वावराडी.)

दातोंर : अजून कुलकुलो खाता?

वंदना : हय दोतोर कसोच थांबना.

दोतोर : रक्ताचो रिपोर्ट हाडला तुवे? दी पळोवया!

वंदना : हय दोतोर (पर्सीतल्यान काडटा आनी रिपोर्ट दिता)

दोतोर : (रिर्पोट पळोवन) रिर्पोट बरो आसा मलेरिया बी कांयच दुखणे ना तुका. पु अजून कुलकुलो खाता तुका?

वंदना : हो पळय दोतोर सामको सोसूंक जायना.

दोतोंर : अजापच दिसता म्हाका. न्हिद पळोवया? (दोतोर उठून तिका तपासता (नर्सय वता) असो कुलकुलो कित्याक खाता तुका?

वंदना : चिंता? आसा तर? आनी भंय दिसना कसो तर? म्हजी चली मॅट्रिकेक बसत अंदू! याद काडल्यार पुसून दीस-रात तेंच दोळ्यामुखार दिसता आनी कुलकुल सुट्टा

दोतोर : चली मॅट्रिकेक आसा? तें पयली कित्याक सांगूक ना? ब्लड टेस्ट कर युरीन टेस्ट कर करून म्हाकाय सामको घुस्पावन उडयलो तुवें!

वंदना : हय! चुकलें म्हजें!

दोतोर : ह्यो घे गुळयो. दिसाक दोन घे. सकाळी एक आनी रातची. न्हिदेची पयली एव आनी वोग्गी हुस्को करू नाका. तू भियेवन चलयेकय नर्व्हस करतली. बरें! चल सुशेगाद (परत आपोवन) तू चड ताज्या म्हन्यान बी वचनाका तुजो कुलकुलो ताका लागत.

वंदना : बरें दोतोर येता.

नर्स : (भायर पळोवन) मिसेस नलिनी. (पेशंट येता ताका) चल बस (पेशंट कदेलार बसता.

दोतोर : बस. कितें जाता?

नलीनी : दोतोर, सात-आट दीस जाले तोंडाक रूच ना. न्हिदय पडना कितेंच खाल्यार जिरना. ओकूंक आयिल्ल्या वरी दिसता. पोटांतय मुड्डता. मात्शे फिग्दाचे बी कितेंय आसा काय विचारूंक आयिल्ली.

दोतोर : यो. न्हिद पळोवया (तपासता) जीब पळोवया? चे! फिग्दाचे बी कांय ना. जीबय नितळ आसा. जेवण कित्याक चलना? बरें नुस्ते बी हाडीना?

नलीनी : दोतोर? कामीण बी न्हंय मूं? कामीणीचें पयली कळना म्हणटात वखद दीच तू म्हाका कामीणीचें

दोतोर : कामीण? दोळे पळोवयो? कामीण? बी कांयच ना. न्हिद पडना म्हणटा ती.... विचारता म्हण राग घरनाका हां? घोवाकडेन झगडी बी कितेंय जातात?

नलीनी : झगडी? ताचेकडेन झगडूंक तो आसा दुबाय.

दोतोर : आं? तो दुबाय आसता? मागीर ताची चिंता बी जाता?

नलीनी : चिंता ना कशी तर? पुण ताची न्हंय.

दोतोर : मागीर आनी कोणाची तर? कसलेंय टेन्शन बी......

वंदना : टेन्शन? टेन्शन आसा तर? म्हगेलो पिंटू अंदू मॅट्रिकेक आसा ताची एझाम लागी पावल्या कशें जातले काय? टेन्शन येता म्हाका.

दोतोर : अशें सांग. हांवय म्हणटा. सगळे बरें आसतना तोंडाक रूच ना खाल्ले पचना, ओकारो येता. म्हाकाय गोंदळायलो तुले पयलीच पिंटू मॅट्रिकेक आसा हें कित्याक सांगू ना?

वंदना : हय. चुकलें म्हजें.

दोतोर : हें पळय, तु हुस्को करून ताकाय नर्व्हस करतली. तो बरो शिकता मगे? तु सुशेगाद राव.

वंदना : तेंच जमना म्हाका, घोवान वॉनींग दिल्या. आपूण दुबाय आसलो तरी म्हज्या चल्याक ९०% पुण मार्कस पडंकच जाय. नाजाल्यार आपणाक इंडियेक येंवक पुसून लज दिसतली म्हण.

दोतोर : आब्बा? अशें म्हणटा? चल्याक बरे मार्कस् पडूंक जाय जाल्यार थंय कित्याक वचून बसला तर? हांगा येवन चल्याचेर नदर दवर म्हण सांग. जांव तूवें चिंता करून कितें जातले? ह्यो गुळयो घे. लार्पोज रातची न्हिदतना एक गुळी घे.

वंदना : दातोर एकच पुरो? दोन-तीन पुण..

दोतोर : दोतोर कोण? तूं काय हाव? तीन गुळ्यो घेवन म्हाका कादयेन धाडपाचो ...
आसा काय कितें?

वंदना : सॉरी दोतोर (पैशे दिवन वता) येता हां (ती वता)

दोतोर : हांची भुरगी मॅट्रिकेक, हींय पिशी जातली आनी म्हाकाय पिसो करत...
नॉनसेन्स.

नर्स : मिसेस्स सलमा? सलमा भितर येता आनी कदेलार बसता.

दोतोर : आतां कशी आसा तू? काळीज ढडढडटाले तें थांबलें?

सलमा : ना दोतोर. आता चडच ढडढडटा. सामके सोसूं नज हांव सांगता म्हा...
हार्टाचे बी दुयेंस जालां आसतलें. पयर तुका कळूक ना जातलें.

दोतोर : हांव दोतोर कायय तूं? गेल्या फावटी तुजो कार्डिओग्राम काडला. सारके ...
तपासला. वोगीच कलकलता? प्रेशर पळोवया? (दोतोर प्रेशर पळयता) ...
न्हंय? प्रेशर पुजून नॉर्मल आसा तुका ओगीच दुबाव तो.

सलमा : ना दोतोर काळीज सामकें घब्ब घब्ब जाता. मात्शे काम केले काय खर...
मारता, घुंवळ आयिल्यावरी दिसता.

दोतोर : कसलो हुस्को वा चिंता बी सतायता तुका? ऑफीसात, घरा कितेंय संकट ...
सतायता? कोणाकडेन झगडें बी जाला?

सलमा : तुका आनी कितें फटयतलें दोतोर? म्हजो चलो मॅट्रिकेक आसा ताजी परीक्ष...
लागी पावल्या तसो म्हाका चड कलकल सुटला.

दोतोर : कळ्ळे, कळ्ळें! आनीक फुडें कांय सांगपाची गरज ना. हें तुवें पयली सांगिल्ले...
जाल्यार हो इतलो घुस्पागोंदळ जांवचो नाशिल्लो बरें ह्यो घे गुळयो आनी सुस्त...
न्हिद वचून कलकलूंक लागलें काय ही गुळी घे.

सलमा : बरें येता दोतोर.

दोतोर : भायर बसल्यात तेंय सगळे असलेच पेशंट काय किते? ही मेट्रिकेची परीक्षा
म्हळ्यार भुरग्यांच्या आवय बापायक पिशें लायतातच, पुण म्हाकाय पिसो
करतली शें दिसता. (कपलाक हात लावन बसता) परतो उठून भायर येता.
(पेशंटाक) तुका किते जाता?

एक पेशंट : म्हाका वायट वायट सोपनां पडटात

दोतोर : घरात कोण मेट्रिकेक आसा?

एक पेशंट : हय दोतोर

दोतोर : कळ्ळे बस मात्शी(दुसऱ्या पेशंटाक) तुका कसलें दुयेंस आसा?

पेशंट : म्हाका कांय जायना दोतोर. पुण म्हजें चली सोपनात न्हिदांत कोण गळो चिड्डिता म्हणटा.

दोतोर : मेट्रिकेक बी आसा?

पेशंट : हय दोतोर

दोतोर : बस हाव वखद बरोवन दिता

पेशंट : हांव वखद व्हरूंक येंवक ना दोतोर.

दोतोर : मागीर कित्याक आयला तर?

पेशंट : रागार बी जावचेना मू?

दोतोर : असो कुवाड्यानी उलयनाका. बेगीन सांग.

पेशंट : खरेंच रागार बी जावचो ना मू?

दोतोर : असो कुवाड्यानी उलयनाका बेगीन सांग.

पेशंट : खरेच रागार बी जावचो ना मू?

दोतोर : (राग्गान) ना म्हळें न्हंय!

पेशंट : म्हज्या बायलेक ही एजाम जमत अशें दिसना म्हाका पयली तीन वेळा फेल जाल्या पुण अजून पास जायना.

दोतोर : आरे मागीर हांव कितें करू? हांव परीक्षेक बसू तिज्या वाट्याचो?

पेशंट :ना तशे न्हंय!पुण..

दोतोर : मागीर कशें तर

पेशंट : मॅट्रिकेची परीक्षा पास जायनास्तना कॉलेजीक वचूंक मेळत अशे सर्टीफिकेट बरोवन दिवंक मेळत काय विचारूंक आयिल्लो

दोतोर : कितें ? कितें म्हळें तुवे? सारके कळ्ळें ना म्हाका

पेशंट : तें मेडिकल सर्टिफिकेट काय कितें म्हणटात तें ...

दोतोर :अशें अशें! हांव बोर्डाक दिंवक मेडिकल सर्टिफिकेट बरोवन दिंव?

पेशंट : उपकार जायत दोतोर!

दोतोर : तुज्या बायलेक मॅट्रिकेची परिक्षा पास करनास्तना कॉलेजीक बसूंक दी म्हण?

पेशंट : (खोशेन) हय हय दोतोर!

दोतोर : तकलेन बरो आसा मरे तू? काय सामको विरार बी जाला?

पेशंट : तुवे सांगिल्ले आपणाक राग येवचो ना म्हण! म्हणून सांगलें तुका तुजे कितले

अंदू मॅट्रिकेक मगो तू?

पैशे आसत तितलेंय हांव दिंवक तयार आसा.

दोतोर : आरे, तू सर्टिफिकेट व्हरूंक आयला? काय म्हाका कादयेंत उडोवंक? मात चल पळोवया हांगच्यान?

पेशंट : आयक तरी......

दोतोर : चल म्हळें न्हंय? ताका हाताक धरून भायर काडटा (तकली धरून बसता

पेशंट : बरें बाबा वतां

दोतोर : सिस्टर हें पळय, भायर बशिल्ल्या पेशंटाक सांग रातची न्हिदतना ही एक ए गुळी घेयात म्हण! सगळ्यांक घरा धाड. दोतोराक मात्शें अर्गंट भायर सर आसा, तेन्ना तो आनी कोणाक तपासचों ना म्हण सांग.

नर्स : पुण दोतोर

दोतोर : हावें सांगलां तशें कर पळोवया! म्हाका मात्सो सुशेगाद बसूं दी, ह्या मॅट्रिके बशिल्ल्या भुरग्यांच्या आवय-बापायनी म्हाका सामकें पिशें लायलां. म्हज दोतोरकी विसरून हांवच सायकीक जातलो अशीच चिंता दिसूंक लागल्यां म्हाका.

नर्स : बरें दोतोर, हांव भायलें दारच बंद करता (नर्स दार बंद करून परत येता)

दोतोर : म्हाका एक सांग आमचेकडेन कांपोज एंजेसांव आसा? एक तयार क पळोवया?

नर्स : दोतोर? सगळ्या पेशंटाक घरा धाडले हांवे इंजेसांव कोणाक दिंवक जाय?

दोतोर : मात्शें हांवे सांगलां तशें कर पळोवया? आनी ड्रायव्हराक सांग गाडी तया दवर म्हण.

नर्स (इंजेसांव करून हाडटा) हें पळय, हाडले इंजेसांव

दोतोर : दी म्हळें न्हंय? (सिस्टर इंजेसाव दिता)

सोंपता

काळो देंवचार

(माचयेचेर मेजार काळो फोन दवरला. ताजेर बरो सोबेचो तुवालो घाला. निलाबाय नटून-थटून भांगर बी घालून खोशी आसा)

निलाबाय : (लोकांक) आज आमचो कितलो खोशेचो दिस जाणा तुमी? आमगेर एक व्हडलो सोयरो आयला. तो घरात येवचो म्हण गेल्ली पांच स वर्सां तपश्चर्या करताली हांव. आज प्रसन्न जालो.

(इतल्यान मेघना भायल्यान येता. हातात सामानाची पिशवी. पुरो जावन बसता.)

मेघना : दिलो गे बाये तुजो रकाद मावशेक आनी हें घे तुजें सामान. मम्मी, म्हाका सामकी भूक लागल्या. चल चल. बेगीन कितेंय खांवक दी म्हाका. (आवयक धुकलीन धुकलीत भितर व्हरपाचो यत्न करता.)

निलाबाय : तुका भूक लागल्या? दिता आं खांवक. पुण म्हजी तर तान-भूकच न्हिवल्या आज. आमगेर एक सायरो आयला. पळयला तुवें?

मेघना : (ह्यावटेन त्यावटेन पळवन) खंय गे तो? भितर खंय लिपयला काय किते? घरात सोयरो आयला म्हणटा आनी तू खंय चल्ली तर नटून-थटून?

निलाबाय : सोदून काड पळोवया? (मेघना सोदता)

मेघना : आगे सांग मगे बेगीन. आज अशी कुवाड्यान शी उलयता?

निलाबाय : (फोनोवेलो तुवालो काडीत) हो पळय. दिसलो?

मेघना : (सामकें अजाप दिसून) मम्मी? आमचो फोन आयलो? (आवयक घट्ट मिठी मारून तिका घुंवडायता आनी आपुणय खोशेन नाचता, ताळ्यो पेट्टा) आमचो फोन आयलो, आमचो फोन आयलो. (फोन करूंक वता) मम्मी हांव पयलो फोन पप्पाक करतलें.

निलाबाय : (ताजो हात घट्ट करून) उठ. पेल्यान सर हात बी लायशीत.

W.I.D KONKANI CENTRE LIBRARY विश्व कोंकणी 2131

मेघना : आगे, पप्पाक गुड न्यूज दिवया मगे?

निलाबाय : आगो, ताजे सारके बरे उक्तावण करचे पयलीं ताजी दिश्ट काडूंक ज ताका आरत दाखोवंक जाय. मागीर फोन करपाचो.

मेघना : शी. हें आनी बाये कितें? फोनाची म्हण कोण दिश्ट काडटा? तो किते नातू? काय तुजो जांवय गे? (परत फोन करूंक भायर सर;ता)

निलाबाय : (ताका आडायत) चल. हुतहुतेपणा करू नाका. आगो, आमगेर फोन आर तें पळोवन थोडे जाणांचे दोळे फुटचे नात. अजून आमच्या शेजाऱ्यांगेर -सोयऱ्य कोण्णागेर फोन ना. चल. भितर आरत तयार करून दवरल्या, ती घेवन चल, चल बेगीन.

मेघना : हिजे आनी एकेक नाका जाल्ले. (भितर वता)

(निलाबाय साडी सारकी करता, केंस सारके करता, मागीर फोना म्हऱ्यात व ताका बरो मायेन सांसपिता. मेघना निरांजना पेटोवन आरत घेवन येता. ता पिठागुळे दवरिल्ले आसतात)

मेघना : घे. बेगीन आटपीय तुगेले. म्हाका केन्ना काय पप्पाक फोन करीन अशें जात

निलाबाय : मात्सो धीर धर गो हुतहुत्या. म्हाका काचाबूल करनाका (फोनाक हळद कुव लायता. पिठागुळे उवांळून दोनय वटेन उडयता. आनी पांच वेळां आरत भोंवडाय म्हणटा) शेजाऱ्या-पाजाऱ्यांची, भायल्या -भितरल्यांची, लागशिल्या पयसुल्यांची, आयल्यांची-पेल्यांची, भुतां-खेतांची (मोठ्ठ्यान)दोळे फुटक्यां दिश्ट वचूं गे बाये. आनी कसलीय नड-झड बादनास्तनां, बंद बी पडनास्तना भशेन चलूं. (आरत दवरून मेघनाक दूदफेंणो दिता.) घे. तोंड गोड कर. (आपूण एक दूदफेणो खाता) फोन घरात येतकीच दूदूफेणो पुसून गोडऽऽ लागलो, न्हं गो?

मेघना : मम्मी, आता आमचें घर बरें सोबलें न्हय गे? उठ, हांव पयलो फोन पप्पा करतलें (इतल्यान भायल्यान आवाज येता).

राधाबाय : हे निलाबाय, आसा हय गे घरात?

निलाबाय : (बेगीबेगीन फोनार तुवालो धांपता) आगो, राधाबाय येता चल, चल, तूं भित वच. मोठ्ठी दोळे फुटकी बायल ही.

मेघना : जाली हिजी सकाळ. कितेंय उष्णे मांगूक आयल्या जातली. सामकी लज सोडल्या हे बायलेन केन्ना केन्नाय उसणे मागपाचे निमित्त करून आमगेर त

रांवलां, कोण आयलो, कोण गेलो सगळ्यो खबरी काडून घेता.

नेलाबाय : आगो, आगो, वोगी राव. ती आयकतली मगो!

मेघना : आयकुनी. आनी तिजी नदर तर सद्दां आमच्या घराचेर आसता. सामकी कावळ्याभशेन. मोट्टी पाडी बायल.

राधाबाय : (आरत ताज्या हाता दिवन) आगो, पापणी ही आरत लिपोवन दवर. (इतल्यांन राधाबाय येता)

निलाबाय? अशी व्हकल कशी नटून खंय चल्ली गे? साडी नवी घेतली? (नदर हांगा - थंय भोंवडायत, कितें तरी सोदिल्याभशेन करता) आगे ही कांकणां केन्ना केलीं?

निलाबाय : देवळांत वताली. म्हण घाल्लीं

राधाबाय : देवळांत वता? चल हां चल.

निलाबाय : पुण तूं कित्याक आयिल्ली? कितेंय उष्णें बी जाय आशिल्ले?

राधाबाय : हें! काय नाका. (परत सगळे कडेन नदर भोंवडायता) हें पळय, तुका एक विचारूंक सोदताली. येदो ऽऽळ एक मनीस कसलेशे बॉक्स घेवन तुगेर भितर सरिल्लो पळयिल्लो हांवे. कोणेय किते गिफ्ट बी धाडल्या काय कितें? मेघनाचो पप्पा गव्हर्मेंटान कामाक आसा न्हंय गे! तसो तो कोणाकडल्यान कांय घेवपी न्हंय. पुण घरा धाडल्यार कितें करतलो?

निलाबाय : आमगेर कोण आयिल्लो? ना गे बाये. आनी कोणागेरय गेलो आसतलो.

राधाबाय : (मेजार धांपून दवरिल्या फोनाक पळोवन) ये ऽऽ तें कितें धापून दवरलां गे? सोयची कापां, काय दूदफेंणे केल्यात गे? (अशें म्हणून तुवालो काडून पळयता आनी अजापान) आगे निलाबाय? आयकना मगो! फोन घेतलो तुवे? हुशार बाये! ह्या कानाची कबर त्या कानाक लागूंक दिनास्तना कशें रांवक जालें गे तुज्यान?

निलाबाय : तातूत कितें लिपोवपाचे? तुका 'सरप्राइज' दिंवक सोदतालें. आताच भायर सरतना पयली तुगेर येवन कळयतलेंच आशिल्लें. हो घे दूदफेणो. तोंड गोड कर.

राधाबाय :तुवें फोन घेवंन. एकदम बेस्ट केले. बाकी तुमगेर फोन आयलो म्हणटकीच, तो आमगेर आयिल्याभशेनच जालो.

निलाबाय : हय तर! तु कितें परकी तर गे? यो हां केन्नाय गरज पडल्यार.

राधाबाय : आतां म्हाका त्या दुर्गाबायचो फावोर कित्याक जाय? केन्नाय मात्सो फोन करूंक गेल्यार किरायतें पिवन तोंड कोडू जाता तशें तोंड वांकडें करून व्हडलो

झेत दाखयताली. आता कोण वता तिगेर? बरें गे! रान्नीर भाजी फोण्ण उडयल्या ती करपत बी. (दाराकडल्यान परती भितर येता) म्हाका मात्सो अर्जंट फोन करूंक जाय आसलो. म्हज्या भयणीच्या नंडेच्या देराक. फोन नंबर घेवन येता हां!

निलाबाय : यो हां यो. आसात आमी घरा. (ती वता. इतल्यान फोन वाजता निलाब ऊकलना. बरें आवडीचे पद आयकतात तशें ती रिंग आयकत रावता. मेघ भितरल्यान धावत भायर येवन रिसीव्हर उकलूंक करता)

मेघना : आगे, फोन वाजता मगे. उकलना शी? (आवय ताका आडायता)

निलाबाय : (खोशी जावन) वाजूनी, वाजूनी घरात असो फोन वाजता तो आयकूंक येव म्हण म्हजो जीव सामको आशेल्लो. राव. असोच वाजत रांवदी.

मेघना : आगे, ही आनी कसली पिशेपणां? तो कोणाचो तो तरी पळोवया मगे (इतल्या बोवाळात रिंग बंद जाता) विटयलें बाबा हिणें.

निलाबाय : कितेंय अर्जंट आसत जाल्यार परत फोन करतोलो गो. कित्याक भिता (इतल्यान राधाबाय परत येता)

राधाबाय : हे निलाबाय?

मेघना : आयली ही परती. हिजेर नदर पडल्यार पुसून तिडक मारता. हांव चल्लें भितर नाककात्री खंयची (राधाबाय येता)

राधाबाय : मेळ्ळो गे बाये नंबर . मात्शें म्हज्या भयणीच्या नण्डेच्या बापोलभावाक फोन करता. म्हज्या भयणीच्या नण्डेच्या बापोलभावाक. ताका मातशें बरें नाशिल्ले म्हण आयकलां हावें.

निलाबाय : तुवें बरो लागी केला मगे ताका.

राधाबाय : काल मात्सो जोर आशिल्लो खंय. तू विचारी न्हंय तो इतलो पयसुल्लो पुण हांवे ताका लागी कित्याक केला म्हण? आगे, घरात वाडिल्ले चली आसली काय पयसुल्ल्यांक पुसून लागी करचें पडटा.

निलाबाय : तू तुज्या कल्पनाखातीर उतर घालपाची तजबीज करता काय कितें? (तिजी फकाणा करीत हांसत) कळ्ळे, कळ्ळें, ह्यो राटावळी कशो करप हें तुका जुस्त कळटा बाये. असलेकडेन म्हजी मात सामकी तकली चलना.

राधाबाय : चलयेक तर वाडयल्या. आता हातपांय बडयल्याबगर जाता? बरें गे, फोन करून पळयता.

नेलाबाय : कर कर.

राधाबाय : (फोनार हातवारे करून उलयता. लागोळेपणा दाखयता. पुण उलोवप आयकूंक दिवप ना. फोन सकल दवरून) आज मात्सो बरो आसा खंय.पुण सांजे कल्पनाकच घेवन ताका मेळूंक वतां.

नेलाबाय : पुण आता बरो आसा मगे?

राधाबाय : आगे, तुका म्हण सांगता एका निमतान आयले गेल्यारच वळख वाडटा. वळख वाडल्यार आपशींच मना जुळटात. आनी मागीर फुडलें एखाद्यार नकळतच घडटा. बरें येता गे. तुका भायर सरूंक जाय आशिल्लें म्हण्टाली न्हंय? येता हांव (दाराकडेन वचून परत येता) हां. फोनाचे कितले पैशे दिवप गे?

निलाबाय :(तिच्या खांदार हात दवरन) आगे, तू आमची शेजान्न. तुजे कडल्यान किते पैशे घेतलीं? चल तू. मागीर पळोवया. आनी पयलो फोन तर सगळ्यांकच फुकट करूंक दितली.

राधाबाय : हांव जाणाच आशिल्ली.तू आनी म्हजेकडल्यान पैशे घेतली? येता हां (राधाबाय वता तें पळोवन मेघना परत भायर येता).

मेघना : गेली पिडा? मम्मी तूं तिका बोट दाखयल्यार हात गिळूंक सोदतली. तुज्या माथ्यार बसतली. सांबाळून राव हां!

निलाबाय : आगो, शेजाऱ्याक अशें दुखोवन चलता?

मेघना : आगे, खरीच गरज आसता, कोणय बरो नासता, अर्जंट काम आसता तेन्ना कोणय आयल्यार तांका ना म्हणप ना. पुण हिका? ही दुसऱ्याचो जाता तितलो फायदो करून घेतली. लज सोडिल्ली बायल. असल्यांक चार हात पयसच दवर

निलाबाय : बरें बाये. आता तू अभ्यासाक वच. म्हजेंय सगळें काम तशें पडलां सगळी सकाळ ह्या फोनाच्या बोवाळांत गेली. चल भितर. तुजी एजाम पावल्या मगो?

मेघना : आगे, ह्या बोवाळात पप्पाक फोन करपाचो उल्लो. म्हाका केन्ना एक फावट फोनार उलयन कशें जालां.

निलाबायः मेघना, आमी ताजी मात्शी फकाणा करया. ताका सांगूच नाका घरात फोन आयला म्हण. तो घरा आयलो काय एकदम सरप्राइझ दिवया.

मेघना : हय, हय गुड आयडिया (आवय आनी मेघना दोगांय भितर वतात थोड्या वेळान मेघना हळूच लिपून आवय ना अशें पळोवन भायर येवन आपल्या इष्टीणीक फोन करता). हॅलो?हां हॅलो?कोण हेमा गो? कोण उलयता वळखलें? आवय?

रोखडें वळखलें मगो. आ? खंयच्यान उलयता काय म्हणटा?आमच्या घरच्यान हय हय आमगेर फोन आयलो. तेंच सांगूक फोन केल्लो. किते? थँक्यू थँक्यू. ए हेमा? हांव दोन दिस कॉलेजीक ॲब्सेंट आशिल्लें तेन्ना तुमी मजा माल्ली मगो? म्हजी चौकशी करतालो? आब्बा? अजाप मगो. आनी त्या खाडयान किते शिकयलें? आवय? एका पिरियेडांतच चॅप्टर सोपयलो? येदे बेगीन? शी बाये म्हाका तो ऑप्शनाक उडवचो पडटलो सो दिसता. आनी त्या खड्ड्यान? (इतल्यान निलाबाय येता)

निलाबाय : आगो, मेघना, हो अब्यास चल्ला? आनी ही कॉलेजात उलोवपाची भाशा काय कितें गो? शी. शी. शी. शी! कोणाक खड्डो, कोणाक खाडयो, तांका नावां नात गो? हालींच्या ह्या भुरग्यांक उलोवपाची रीत पयली शिकोवक जाय. व्हडल्यो व्हडल्यो डिगऱ्यो घेतात.

मेघना : ही आनी एक आगे, फकाणांनी म्हणटात आमी. तूं सगळेंच सिरियसली घेता मगो!

निलाबाय :उठ, पेल्यान सर. हांव मात्शे वत्सला बायक फोन करून तो स्वीट होमचो सेल केन्ना लागतलो काय ती चौकशी करतां. आनी इतलो वेळ फोनार फ्रेंडाकडेन खबरी करता बिल कितलें येतलें तें जाणा मगो?

मेघना : बरी मगे तू? तू फोन करून खंयचो सेल आयलो, खंयचो गेलो, कोणाची सोयरीक जाली, कोणाची मोडली, कोणाची सून बाळंत जाली, कोणाची धुव फेल जाली सगळ्यो चवकशो करतली तेन्ना बिल वाडचेना दिसता.

निलाबाय : तुजी सुबेजपणां नाकात. तू तुजी अक्कल अभ्यासांतच दाखय. चल भितर.

मेघना : रागार कित्याक जाता? हावे कितें फट सांगलां?

निलाबाय : चल म्हळें न्हय भितर? (मेघना भितर वता राधाबाय फोन करता. आवाज ना इतल्यांन भायल्यान राधाबायचो आवाज येता)

राधाबाय : ए निलाबाय? निलाबाय?

निलाबाय : (घरातल्यानच - जनेलावेल्यान) कितें जाय राधाबाय?

राधाबाय : आगे, सुमतीबायक फोन करून तो 'डायमेंड सेल' आनीक कितले दिस आसतलो ती मात्शी चवकशी कर पळोवया? सुमतीबाय गावांतले सगळे सेल केन्ना येतले, केन्ना वतले, खंय कितें सवाय मेळटा, खंय कितें फुकट मेळटा, सगळे सारकें बरें पाठ आसता.

मेघना : कांयच गरज ना विचारपाची. तिका एक फावट अशी संवय जाली काय ती सगळीं कामा बशिल्लेकडेन तुज्याकडंल्यान करून घेतली.

निलाबाय : आगो पुण .....

मेघना : तूं मात्शी वोगी राव हांव ज्युस्त करता (जनेलाकडेन वचून मोठ्यान) मम्मी, 'आगे, फोन सारको चलना मगे! हांव मात्शे कप्लेंट दिवन येता हां! (आवयक वोग्गी राव म्हण कुरू करता आनी तिका भितर वोडून व्हरता)

दुसरें दृश्य

(घराकडेन भायर लोकांची व्हडली लायन लागल्या. पयलो फोन फुकट अशें आयकून सगळे आयल्यात. एकामेकांक धुकलत ल्हवु ल्हवु करून लोक बरेच भितर पावल्यात.)

एकलो : (फुडलो मनीस) आरे, म्हाका धुकलीत धुकलीत आमची लायन सामकी तिज्या घरांत पावली मरे!

दुसरो : (एक दादलो आपल्या म्हन्यांतल्याक) सारको उबो राव मरे, आंगार सो पडटा? न्हिद आयल्या रे? घरावचून न्हिद.

तिसरो : पयलो फोन फुकट करूंक मेळटलो हें कळटकीच सकाळपासून आमी हांगा उबे आसात. आनी तू खंय फुडें वचूंक सोदता रे?

एक बायल : आरे, तुमी फोन करूंक आयल्यात ते विसरले रे? थेटरात सिनेमाची तिकिटा विकती घेवंक आयिल्याभशेन वादयांवपणा करूंक लागल्यात शे?

एक दादलो : मात्शी वोगी रावात पळोवया? तिगेली चली येत जाल्यार वाग कशी आंगार येतली आनी सगळ्यांक धांवडान घालतली.

दुसरी बायलः रेस्पेतान रावात रे.

(इतल्यान पुरशेबाब घरात येंवक सोदतात. पुण लोक ताका वळखनास्तना ताका भरभरीत ओडून भायर व्हरतात.)

पुरशेबाब : (राग्गान) आरे, हे कितें चल्लां? म्हज्या घरांत येंवक म्हाकाच आडायतात? ही लायन कसली रे? (भितर पळोवन) आयकला? मात्शी भायर यो पळोवया? (लोकांक) तुमका कोणे आपयलां रे? ना आमी फोन कररूक आयिल्ले.

पुरशेबाब : (निलाबाय भायर येता) हांका तुवे आपयलां? (ती वोग्गी मान सकल करून उबी रावता। (लोकांक) चलात पयलीं आपापल्या घरा. (लोक तोंडाकडेन पळयत रावतात)चला म्हळें न्हंय? (वचून राग्गान दार आड करता)बायलेक हो कितें गांवावेलो फोन समजली काय किते? आनी तुवें ही कसली पिशेपणा

चलयल्यांत? आगे, सकाळपासून हांव फोन करतालो. पळयता पळयता ते फोन एन्गेज्ड. म्हजी एक म्हत्वाची फायल म्हाका ऑफिसात मेळना जाली. घरा बी विसरलां काय पळय म्हण विचारूक फोन करतालो.फोन लागलो म्हण इतले पयसुल्यान घरा येवचो पडलो. हांव म्हणटा -इतल्यो कोणाकड खबरी करताली?

निलाबाय : हांव खबरी करताली? म्हाका आनी फोनार उलोवंक मेळ्ळा पयली राधाब आयली, मागीर तो कृष्णमूर्ती आयलो, मागीर बुडकुलो, ताज्या मागीर भें एकाफाटल्यान एक येत रावले. ताच्याकडेन खबरी करप, तांका च्या-खा दिवप हातूतच वेळ वता म्हजो. म्हाका जाय तेन्ना पुसून फोन करूक मेळना.

पुरशेबाब : फोन घरात हाडिल्याक ही एक पिडा लागल्या घराक. आमी फोन घेतला त आमचे गरजेक काय फक्त लोकांची गरज भोगोवक गे? सकाळच्यान फोन लायताल कसोच लागना. म्हणटकीच इतले पयसुल्यान हातातलें काम सोडून घरा येवच पडलो म्हाका. तिडकीन तकली पुसून सणसणूक लागल्या म्हजी. मात्शी कडकश च्या कर पळोवया परतो ऑफिसात वचूक जाय म्हाका. मेघना? ए मेघना.

मेघना : (भितरल्यानच) आयले पप्पा.

पुरशेबाब : आगो, हांगा येवपाची गरज ना. काल हांव वाचतालों ती फायल भितर आरमारीत आसल्यार घेवन यो.

निलाबाय : तुमी मात्सो सुशेग घेयात. हांव रोखडीच बरी आल्याची कडकशी च्या घेवन येतां. (ती भितर वता. पुरशेबाब कपलाक हात धरून बसता)

पुरशेबाब : मेघना? मेळ्ळी गो फायल?

मेघना : हय, हाडटा हाडटा. (मेघना फायल घेवन येता) पप्पा ही पळय फायल. किते जाला? कपल उसळटा? कपल उसळटा?हांव गुळी हाडून दिव?

पुरशेबाब : तूं आनी वेळ व्होगडायनाका. चल. अभ्यासाक बस. गुळी मम्मीक हाडूंक सांग. च्या बरोबर घेतां. (मेघना वता इतल्यांन फोन वाजता.) ऑफिसात सुशेग ना तो ना. घरापुण सुशेगाद बसूंक मेळटा? च्ये! ही आनी एक पिडा देंवचार हो! म्हज्या माथ्यार बसला. (फोन घेता) हॅलो? (मोठ्यान) हॅलो? आं? हय.हय. उलयतां. सांगात कितें? भायर पडली? केन्ना? आरे रे! आमचेकडल्यान कंडोलन्स सांगात हां! हां? रकाद मू? बरें आत्ता वचून दिवन येतां. हय हय. च्ये! राग कसलो? अशा वेळार पावकच जाय एकामेकांक. बरे (फोन दवरून भितरल्यावटेन

पळोवन) आगे, हांव मात्सो गांवकारागेर वचून तांगेलो रकाद दिवन येता च्या थोड्यावेळान हाड.

(कांय वेळान पुरशेबाब पोलो सांसपीत येता. त्यावटेन निलाबाय च्या घेवन येता.)

रशेबाब : घे! पळयले मू तुज्या फोनाचो परिणाम? फोन घे, फोन घे म्हण जीव खालो. कित्याक? तर खंय आमचो स्टेटस वाटडलो. चार-चौगात हिजो रेस्पेद वाडटलो. आता वाडलो मू तुजो रेस्पेद?

नेलाबाय : अशें जाला तरी कतें?

ुरशेबाब : वेल्यान जाला कितें काय म्हणटा? सांगूक पुसून लज.

नेलाबाय : अशें लज दिसपासारखें कितें जालें? आनी तातून म्हजी कितें चूक?

ुरशेबाब : तुगेल्या ह्या अपुर्बायेच्या फोनाक लागून म्हाका गरजेशिवाय शेजाऱ्या कडल्यान कडकडीत थापट खावचें पडलें. आयकलें तुवे? आता वाडलो मू तुजो रेस्पेद?

निलाबाय : कितें? एदो व्हडलो पोजिसावाचो मनीस आनी बशिल्लेकडेन शेजाऱ्या कडल्यान थापट खावन वोग्गी रावन परत आयले?

पुरशेबाय : आवयस! (दाडी पोशेता) याद काडल्यार पुसुन सणसणटा दाडवण.

निलाबाय : तुमी वोगी रावले म्हण हांव वोगी रावता काय, कितें त्या गांवकाराक? ताजो कितें पोटलो घेवन खाला आमी? आत्ता वचून विचारता त्या गांवकाराक (पायात जोतें घालून वचपाची तयारी करता. तिका हाताक धरून फाटी ओडून)

पुरशेबाब : आगे आगे, अशी यो. चड हुशारी दाखोवंक गेल्यार तुकाय एक थापट खावचे पडत. आयकय पयलीं कितें घडलें ते? म्हणजे? अशें कितें घडलां तर?

पुरशेबाब : तू च्या करूंक भितर गेली, तेन्ना मुंबयच्यान एक फोन आयलो. तुमच्या बिल्डिंगेत गांवकार रावता, ताजी आवय भायर पडली. तेन्ना मात्सो तांगेर वचून रकाद दी. हांव आपलो चार माळे चडून वयर गेलों आनी जाता तितले कोडू तोंड करून गांवकार बाबाक ताजी आवय भायर पडिल्याचो रकाद दिलो. तर तो म्हणूक लागलो, तू दुसऱ्या कोणाचो रकाद म्हाका दिंवनाका. हावें परत ताका सांगपाचो यत्न केलो तर ताणे रागान भरभरीत भितर ओडीत व्हेलो आनी विचाल्ले - ही न्हंय म्हजी आवय न्हिंदल्या ती? दोळे फुटल्यात तुजे?

निलाबाय : त्या उपरांत तुमी थापट घेवन तोंड धापून परत आयले? हरशी घरा खेव करतात.

पुरशेबाब : हांव आनी कितें करतलो? कपल? ताजी आवय फुड्यातच आशिल्ली. म्हाव असो संताप मारलो? पुण रेकाद दिवन चुक हांवेच केल्ली अशें जालेना? एक त लोकांक रकाद दिवन उपकार करात आनी वेल्यान कानसुलार थापटा खायात हें सगळें तुज्या फोनाक लागून जालें.

निलाबाय : हांव किदे जाणा फोन घरात आसल्यार असलीय किजीलाय जातात म्हण!

पुरशेबाब :तात्पर्य किते? तर आयच्या म्हुर्तार म्हज्या नशिबात शेजराकडल्यान थाप खावचे आशिल्ले. तुज्या हट्टाक लागून रेस्पेद वाडंवक गेलों आनी रेस्पेद व्होगडाव आयलो.

निलाबाय : पुण हांव म्हण्टा, कोणे बाये असली जीव घेणी फकाणां केली? हालीं लोकांव ताळतंत्रच उरूंक ना. हांव च्या हून करून हाडटा.

पुरशेबाब : काय नाका. हाड ती तशीच पिता. आता हे सुजिल्ले तोंड घेवन ऑफिसाव कसो वतलो? (च्या पिता निलाबाय पेपरान वारो घालूंक सोदता)

पुरशेबाब : उठ पेल्यान सर. सगळ्या आगांक हुलोप पडला. (च्या पिवोन पासयो मारीत रावता निलाबाय) आता पुण भागली मू तुजी उमेद? याद दवर. हाज्याफुडें हांव कोणाचोच रकाद दिवचो ना पासयो मारीत रावता. इतल्यान फोन वाजत निलाबाय आनी पुरसोबाब एकामेकाकडेन पळयतात कांय वेळ वाट पळोवन निलाबाय फोन घेंवक वता. भितरल्यान मेघनाय येता)

मेघना : आवय तुमी दोघाय हांगाच आसा. फोन कोणेच उकलूक ना. म्हाका दिसलें भायर कोणच नासतलो - (अशें म्हणून फोन उकलूंक वता) पुरशेबाब ताका आडायता.

पुरशेबाब : फोन उकलपाची कायच गरज ना. वाजूनी तस्सो (पासय मारता) आसतलो कोणाय शेजाऱ्यांचो. अमक्याक मात्सो रकाद दी. तमक्याक मात्सो आपोवन हाड म्हण सांगपाक. खंयची पनवत हाडली शी जाली घरांत. रात ना दीस ना खाण जेवण पुसून वेळार घेवंक मेळना. हें सगळे उणे म्हण वेल्यान लोकांची थापटां खावप.

मेघना : किते? कोणे कोणाचेर थापट मारले?

पुरशेबाब : थापट मारतलो ! चल भितर याद पुसून काड नाका ताजी (मेघना आवयकडेन पळयता हे आनी कितें जाला? अशे नदरेन विचारता आवय ताका भितर वचपाची कुरू करता. इतल्यान सावकारबाब रागारागान भितर सरता)

ावकारबाब : आरे पुरशेबाब भितर खंय तोड लिपोवन बसला? असो यो रे! आरे, फातराकाळजाच्या? फोन घरात आयल्याबरोबर दोळ्यांर कितें खवळा आयली? इतली मिजास चडली तुका?

ेलाबाय : आवय, आवय,हो कोण अवतार गे बाये?

ुरशेबाब : आरे, आरे सावकारबाब, असो खुबदळटा सो कित्याक रे? कितें घडलां तें सारकें सांग मरे!

ावकारबाब : वेल्यान कितें घडलां म्हण विचारता? आरे, तुका म्हज्या भावाच्या शेजाऱ्यान मुंबयच्यान फोन करून म्हजी आवय भायर पडली असो रकाद दिंवक सांगिल्लो खंय आनी तू तो रकाद दिनास्तना सुशेगाद रावलो? आरे, चार सोपणा देवन म्हगेर आयिल्लो जाल्यार कितें पाय झरतले आशिल्ले?

नेलाबाय : पूण कितें घडलें तें आयकून तरी घेयात. वोगीच इतले रागार कित्याक जातात?

सावकारबाब : आतां आयकून ती कितें परत येतली? आरे पुरशाबाब,तुवे वेळार रकाद दिल्यार हांव विमानान वचून तिजेर नदर पुण घालतलों आशिल्लो आता सगळीं विमानां गेलीं.

पुरशेबाब : सावकार बाब, मात्सो थंडसाणेन -

सावकारबाब : आतां थंडसाण खंयची? काळीज भगभगता म्हजें ! हें पातक भोगल्याबगर सुटचो ना तूं. घरात फोन घेतलो म्हणटकीच सादें मनीसपण पुसून विसरलो?

पुरशेबाब : मात्सो बस, आनी आयकय तरी हांव कतें सांगता ते?

सावकरबाब : आयकय? आता तुजें आयकून कोण घेता? जाय कोणाक तो फोन तुजो? असल्या संकटाच्या वेळार उपकार पडना जाल्यार कित्याक दवरला तो? सोबेक? तूंच बस आता तुज्या फोनाक वेंग मारून. थूत तुज्या फोनार! (थुकिल्ले भशेन करून रागान वता)

पुरशेबाब : (पुरशेबाब ताज्या फाटल्यान दाराकडेन बेगीन वता) आरे, आरे! सावकारबाब?

निलाबाय : कांयच आयकून घेवचो ना जाल्यार आपयता कित्याक? वचू ताका

पुरशेबाब : आतां बशिल्लेकडेन आमच्या माथ्यार पातक न्हंय हें?

निलाबाय : म्हाका मात हो घुस्पागोंदळ कितें ते कांयच कळ्ळें ना.

पुरशेबाब : कळटलो कसो? देवान तुका तकली दिल्या ती फक्त सुरंगावळेसर माळूंक.

निलाबाय : बायलेमुखार मात सगळो नेट दाखयता. म्हजेर सो राग काडटात?

पुरशेबाब : आगे बाये, येदोळ तो जो फोन आयिल्लो तो सावकाराक रकाद. दी म्हणून

आनी हांवे तो रकाद दिलो गांवकाराक.

निलाबाय : आ. अशें जाले? आमचोच वेळ फाल्स आशिल्लो तर! चलात, तुमी भि वचून मात्शे आड पडात. वोगीच जिवाक त्रास करून घेनाकात आमी कितें मु केलां? (इतल्यान फोन वाजता. निलाबाय फोनाक पळोवन. पुरशेबाबाक पळयता. पुरशेबाब भितर वतात. फोन वाजत रावता कांय वेळान दारार) पोस्ट (पोस्टमन येवन पत्र उडयता. मेघना धांवत भायर येता. पत्र उगडून पळयत

निालबाय :कोणाचे पत्र गो?

मेघना : तुज्या अपुर्बायेच्या फोनाचें. फोनाचे बिल आयलां.

निलाबाय : पळोवया, पळोवया? कितलें आयला तें?

मेघना : (हळूच, बापायक आयकूक येवचे न्हंय म्हण) मम्मी, आवय? बिल कित आयलां जाणा? (दिता) पळय, पळय.तूच वाचून पळय.

निलाबाय : (बिल पळोवन) आवय, देवा, इतले बिल? इतले पयशे आमी खंयच्च भरतली? आवय हो फोन? हो आमच्या माथ्यार बशिल्लो काळो देवचार मगो

मेघना : आनी तेंय एकाच म्हयनाक न्हंय. दर म्हयन्याक येतलें.

निलाबाय : आवय, आवय, देवा! (करीत सोफार घुंवळ येवन पडटा)

मेघना : पप्पा, पप्पा बेगीन भायर यो. मम्मीक घुंवळ आयली. पप्पा? ए पप्पा ? (पुरशेबाब भायर येता.)

सोंपता

व्हनींबाय मुंबय वता

(माचयेर कोण ना. दारार ट्रिंक ट्रिंक बेल वाजत. भितरल्यानच) व्हनीबाय.

व्हनीबाय : पूजा, बाय दारार कोण आयला पळय गो!

पूजा : (भितरल्यानच) पळयता गे! (भायर येवन दार काडटा. पोस्टमन पत्र दिता पूजा पत्र वाचता)

व्हनीबाय : (खोशेन) कितें? म्हज्या राजूचे पत्र आयलां? कितें म्हणटा तो?

पूजा : तो ह्या दिसानी येवपाचो आशिल्लो तो येवचो ना खंय

व्हनीबाय : मुंबय वचून व्हडलो मनीस जाला तो. जाण्टे आवयची भेट घेवपाक ताका खंय वेळ आसा? काय मुंबयचो चकचकाट पळोवन भूल पडल्या गो ताका?

पूजा : सगळें आयकून घेवचे पयलींच कित्याकितेय उलयनाका पळोवया? आगे, ताज्या जिवाक बरें दिसना खंय ह्या दिसानी. रगतात कामीण शी मेळ्ळा खंय.

व्हनीबाय : कितें? म्हज्या राजूक कामीण जाल्या? तरीच हांव सांगताली गोयांत कितें शिरविसो पाड पडल्यात? पुण ताका मुंबय वचपाची उमेद न्हंय? कोण आडायतलो? ही आताची भुरगी शिकल्यात, आमी अनाडी, आता ताका मुंबय कोण पळयतलो?

पूजा : आगे, अशी वोगीच काचाबुल जायनाका गे! ताणे मुंबयच्या दोतोराक दाखयला खंय.

व्हनीबाय : ते मुंबयचे अनोळखी दोतोराक दाखयलां? ते लायतले राजूच्या बोल्साक बरी कातर आनी दुखणे? ते उरतलें भितरले भितर

पूजा : आगे हळू उलय गे! गोंयच्यान लोक मुद्दम ट्रीटमेंटाक म्हण मुंबय वतात आनी....

व्हनीबाय : तूं आनी शिकयनाका म्हाका तुजी शाणेपणा उपाशी पोटार दीस काडटा

जातलो. बाबडो. थंय ताका पथाचे जेवण कोण वाडटलो? आवऽऽय, आवऽऽ म्हाका सामके कलकलूंक लागलां. देवा पाव रे बाबा! (थंयच न्हिदिल्या भर करता)

पूजा : असो धीर सोडीनाका गे. ताजे मित्र आसात न्हंय ताजेबरोबर?

व्हनीबाय : आवय, ताळो सामको सुकून आयला. पूजा, म्हाका इल्लें उदक हाड गो पिंवं आवऽऽय, आवऽऽय... (पूजा भितर वचून उदक हाडून पिवक दिता) देव सांबाळ रे म्हज्या राजूक. देवते पाव गे बाये!

पूजा : तसो बरो आसा खंयगे! पुण इतले बेगीन प्रवास करूंक जावचो ना म्हण.

व्हनीबाय : वेल्यान बरो आसा म्हणटा? कामिणीचे दुखणे भायल्यान कळना ते जाणा म तू?

पूजा : मात्शी सुशेग घे पळोवया. (तिज्या फाटीर हात भोंवडायता आनी न्हिदोवपाच यत्न करता).

व्हनीबाय : (ताजो हात पेल्यान काडीत) - आमी आत्ताच्या आत्ता मुंबय वचया म्हाक आनी आता हांगा सुख लागता? बाय खरेंच. चल तिकेटी काडून हाड.

पूजा : आगे, वचया पुण आता खंयच्यो बसी मेळटल्यो? फाल्यां वचूंया.

व्हनीबाय : म्हज्या राजूक पळोवन कोणाचे दोळे फुटले काय म्हणटा. देवते पाव गे!

दुसरें दृश्य

(दुसऱ्या दिसा. पुजा भायर वचपाची तयारी करून पर्स बी घेवन भायर सरता सरता)

पूजा : आई, तिकेटी घेवन रोखडे येता गे! तू सामान बी बांदून तयार दवर

व्हनीबाय : (भायर येत) आगो, राजूक खांवक बी कितेंय व्हरूंक नाका? कितें हाडटा?

पूजा : हें पळय, तो बरो ना म्हण आमी वतात. कितें खावोवपाचें ते थंयच वचून खावय. आनी हें पळय, जाता तितके उणे सामान घे.

व्हनीबाय : बरे बाये, तु हुस्को करू नाका. (पूजा दाराकडेन पावतकीच) आनी हें पळय, तीन, सात असले सीट नंबर घेनाका हां! अपशकून कसो

पूजा : तुजो तो भैरोजेळोप मात्सो पेल्यान दवर. आयत्या वेळार जाय ते सीट नंबर मेळूक ती कितें म्हज्या मावाची बस?

व्हनीबाय : बरें बाये! तुज्या तोंडाक कोण लागतलो?

पूजा : (परत भितर येवन) आनी हें पळय, आमी मुंबय वतात ते ओगीच कोणाक

सांगनाका. गेल्या फावटी तांचे कितले सामान घेवन वचचें पडला, याद आसा मगे?

ःनीबाय : हांव आनी कोणाक सांगूक वतलें? तकली पयलीं विरार जावपाक पावल्या.

जा : येतां गे! (व्हनीबाय भितर वता) (थोड्या वेळान)

ीताबाय : (भायल्यान भितर सरत) व्हनीबाय? ये व्हनीबाय? आसा हय गे घरांत? (हांडीवेले बुयांव हळूच कदेलाफाटल्यान दवरता)

ःनीबाय : कोण? सीताबाय? यो बस

ीताबाय : आज तूं मुंबय वता म्हण आयकलें (हांसत पुजाक सोयरीक बी आयल्या काय कितें? सामकी ह्या कानाची खबर त्या कानाक कळयनास्तना अकस्मात चल्ली म्हण म्हणटा.

हनीबाय : सोयरीक ? सोयरीक आनी खंयची? आगे, म्हगेल्या राजूक कामिण जाल्या खंय. आता म्हाका आनी सूख लागता हांगा?

सीताबाय : हय तर! वचपाचे थारायलें ते बरेंऽ केलें. कामीणीचे दुखणें म्हावायट पयली कांयच कळना. सांबाळ गे बाये एकलो एकसुरो पूत तुजो

व्हनीबाय : म्हाका तर सामको कलकल सुटला

सीताबाय : तूं कित्याक आयिल्ली? खबरेकच मगे?

सीताबाय : तू मुंबय वता म्हण कळ्ळें. आता आयत्यावेळार कितें धाडूं? म्हण घरात आशिल्ले इल्लेशे लोणचें हाडला. (अशें म्हणत फाटलें बुयांव तिजेकडेन दिता.)

व्हनीबाय : तो आनी कित्याक त्रास घेतलो? राजूक काय खांवक मेळचेना आमकां आनी कित्याक हाडूंक जाय आशिल्लें?

सीताबाय : तुमका न्हंय गे! हें बुयांव मुंबय म्हज्या धुवेच्या नण्डेगेर व्हरून पावय

व्हनी बाय : तुज्या धुवेच्या नण्डेगेर?

सीताबाय : आगे, म्हज्या हातचें लोणचे खावपाची रूच आयल्या खंय तिका ती भायली लोणची म्हज्या लोणच्याभशेन जातात? निरूपाय म्हण खावप. रागार जायनाका हां!

व्हनीबाय : चे राग कसलो? पुण...

सीताबाय : पुजा पावयतलें मगो व्हरून. हांवे सांगला म्हण सांग.

व्हनीबाय : बरें सांगता

सीताबाय : हांव जाणाच आशिल्ली. तू आनी ना म्हणटा? बरें येता हां! (दाराकडल्यान

परत भितर येत) आनी हें पळय, बुयांव मात्शें मांडयेर दवरून व्हर हां! सक दवल्यार धाडोवन फुटत बी! तुका वोगी त्रास. येता (वता) (परत येता) बु सांबाळून व्हर गे!

व्हनीबाय : (बुयांव उकलतां उकलतां) आवय गे! इतले जड बुयांव रातभर मांडयेर दव व्हर खंय! पिशार पडल्या काय कितें ही? हे बुयांव मांडयेर घेवन व्हरूंक कितें म्हजो नातू? (पायान धुकलत थंयच कुशीक दवरता) आसू दी हांगाच (इतल्यान दारार काकीबाय कमरार पेत्रोलाचे हात तें सकयल दवरून व्हनीबाय वेंगात घेतिल्ले भशेन करीत)

काकीबाय : असो अकस्मात कसो दुयेंत पडलो गे राजू? एकलो एकसुरो पूत तुजो.

व्हनीबाय : बस तसो बरो आसा खंय गे! पुण दुयेंत आसा म्हण कळटकीच म्हजो ज रावत?

काकीबाय : बरो आसा म्हण बरयल्यार किते जालें? हालींच्या दुयेंसांचेर विश्वास दवरपा आसा? कामीण केन्ना कॅन्सराचेर पडत कांयच सांगू येना. बरें केलें तुवें वच थारायलें तें.

व्हनीबाय : थुमेकाल. कामीणच आसल्यार पुरो. पुण तू हें पेत्रोलाचे कात घेवन ख वताली?

काकीबाय : खंय वताली लात घेवन हांगाच आयिल्ली.

व्हनीबाय : एदया व्हडल्या लातात कितें घेवन आयल्या आमकां?

काकीबाय : आगे कितें सांगतली तुका? म्हगेल्या भयणीच्या जांवयाक म्हज्या हातच्य नेवऱ्यो खूब आवड्टात. तू मुंबय वता म्हणटकीच रातभर बसून रूचीक श चाऽऽर नेवऱ्यो करून हाडल्यात. सामक्यो ताज्या घरा पावतल्यो न्हंय गे?

व्हनीबाय : गोंयच्यान मुंबय नेवऱ्यो व्हरूंक मुंबय मेळटात तरेतरेची खाणा!

काकीबाय : शी! ती भायली खाणा खावपाची माणसुकी आसा? इल्ले पुसून खाल्यार तेला धेंकर येत रावतात आनी म्हज्या हातच्यो नेवऱ्यो कशो जाणा? विरविरीत. दा नाशिल्यान पुसून खावच्यो.

व्हनीबाय : आता तुवें इतले ताकतीकेन उमेदीन करून हाडल्या न्हंय? व्हरतां हांव.

काकीबाय : म्हज्यांन तरी जाता आता? पूण तुका म्हण सांगतां. म्हज्या भयणीच्य जावयाचो भाव लग्नाचो आसा. म्हगेल्या राखीखातीर उतर घालतले म्हणटा मनशां अशी सांबाळची पडटात न्हंय गे?

बरे! बरी करून वच.

व्हनीबाय : बरें!

काकीबाय : (दाराकडल्यान परत येवन) नेवऱ्यो मातशो सांबाळून व्हर गे! मोडत बी.

व्हनीबाय : कर्म म्हजें बुयांव मांडयेर दवरून व्हर खंय! आनी हें लात आता खंय माथ्यार दवरून व्हरूं? भयणीच्या चलयेच्या देराक मस्को मारूंक म्हाका त्रासात उडयलें हिणे! (कांय वेळान)

कोंसेसांव : वो घरकान्नी? आसा हय गे घरांत?

व्हनीबाय : जीव खालो गे बाये हाणी. आता आनी कोण आयलो?

कोंसेसांव : ए व्होनीबाय ! सामान बांदता काय कितें? सारकी वोक्तार पावली हांव. (गार्रफांव कमरार दवरून भितर सरता)

व्हनीबाय : कोण कोसेसांव? यो यो. ह्या वटेन खंय आज?

कोंसेसाव : तूं बोमाय वता म्हण कळ्ळें म्हण मुद्दम आयलां तुका (बाय') करूंक

व्हनीबाय : तुका कोणे सांगलें तर गो?

कोंसेसाव : म्हाका कित्याक सांगूक जाय? हायेंनच खोबोर काडली. सकाळच्यान सिताबाय, काकीबाय तुगेर सामान घेवन वतना पळयले आनी हावे अदमस काडलो. तू शेर्त बोमाय वता आसतेली म्हुण. ना जाल्यार ही सिताबाय, काकीबाय तुका साग्वाद हाडून दिवपी मनशां?

व्हनीबाय : बरी मुगो नदर तुजी. आता तू कितें घेवन आयला?

कोंसेसाव : कितले दीस जाले. म्हगेले मारीक घोरची विनग्र धाडूकच मेळूंकना आता तूं वेता म्हुणटोकीच सारकी घरची मनीस वेता कशे दिसलें चान्स सोडू येता?

व्हनीबाय : (अजापान) म्हणजे? हो गार्रफांव मुंबय व्हरूंक हाडला? आगो मुंबय विनाग्र मेळटा कितली!

कोंसेसाव : उजो लाय त्या विनाग्रीक. आमची घोरची विनाग्र सामकी प्युअर. हाव जेजूकडेन तुज्या पुताखातीर भलायकी मागतां. विनाग्र मातशी मारीगेर व्हरून दीवंक लाय. बरे येता हांव! गार्रफांव सांबाळून व्हर गे

व्हनीबाय : बरें बरें ! (तकलेर हात मारून बसता.) सांबाळून व्हर खंय! आता पूजा येवन म्हजो फोग काडटले. अजून जेवण पुसून तयार ना.

फातीमा : ये व्हनीबाय? जेवता काय कितें गे?

व्हनीबाय : फातीमा गो? यो

फातीमा : तुजो चेडो बरो ना म्हण कळ्ळे. तश्शे धांवत आयलें, अशें अकस्मात कितें जालें ताका?

व्हनीबाय : बरें केलें. तुका हांगा सुख लागतले? (दाराभायर उबो आशिल्या मानायाच्य माथ्यार नाल्लांचो साक. ताका पळोवन) रामुल्या वो रामुल्या भायर सो रावला रे? सामको झेंपो मरे तू! असो हांगा दवर साक. (मानाय भितर येवन साक आपटिता) व्हनीबायक भितारे?

रामुलो : ना. व्हय

फातीमा : ती भांगर मनीस मरे! (ताका पर्सीतलें पैशे काडून दिता) तू चल घरा.

रामुलो : बरें भाटकान्नी येतां.

व्हनीबाय : आगो फातिमा आमी घरांत दोगाच आसतात. इतले नाल्ल आमकां कित्याक हाडलें? तातूत आज आमी चल्ली मुंबय. राजू बरो जाय म्हणसर तरी रांवचे पडटलें.

फातिमा : तू मुंबय चल्ली म्हण कळ्ळे म्हणूनच तर मुद्दम घेवन आयला मात्सो हो नाल्लांचो साक म्हज्या मुमताजागेर व्हरून पावय. तुमच्या राजूच्याच गावात रावता खंय तें.

व्हनीबाय : कितें? हो नाल्लांचो साक हांव मुंबय व्हरूं? मुंबय कितें नाल्लांचो दुकळ पडला?

फातिमा : पाड पडले ते मुंबयचें नाल्ल. तांका गोंयच्या नाल्लांची सर आसा? तु म्हाका केन्नाच ना म्हणचीना म्हण चार घेवन आयलें.

व्हनीबाय : आगो, पुण हो येदो जड साक....

फातिमा : कांयच त्रास जावचो ना. एक फावट पणजे बसीत फाटल्यान डिकींत घालो काय बद्द मुंबय पावतलो.

व्हनीबाय : आगो पुण........

फातिमा : (हातात पैशे दिवन) हे पैशे दवर. मुमताजागेर नाल्ल पावोवपाक रिक्षक उपकरतले. बरें बरी करून. (दाराकडेन पावतना) रोखडी यो गे! (परत येवन) आनी हे पळय, बस मदी थांबली काय मात्शी सकल देंवन डिकींत साक आसा काय ना ते पळय. हां ना जाल्यार मदलेमदीं फारायत कोणय. (वता)

व्हनीबाय : सकाळभर हांचे सामान घेवपात गेली. आता म्हजी तयारी केन्ना करूं? जीव खालो हाणीं जेवण पुसून जांवना अजून (इतल्यान पूजा येता. सगळे सामान पोळोवन)

ज़ा : आगे हें कितें? तू चलो दुयेंत आसा म्हण वता काय ताज्या लग्नाक बी वता गे? इतले सामान आमचें? व्हरतली कशी गे?

हनीबाय : आमचें सामान अजून खंय बांदला? हें शेजाऱ्यापाजाऱ्यांनी मुंबय व्हरून पावोवंक दिला.

ज़ा : कितें? हे लोकानी हाडून दिला? आनी तुवें तोंड धापून दवरून घेतले? पिसावल्यात गे तुमी? आमी कितें ट्रक घेवन वतात शें दिसलें? तुका सांगिल्ले मगे हावें? कोण्णाक सांगनाका म्हणून?

हनीबाय : आवय आवय, सांगता आयकय तरी!

पूजा : म्हाका तुजें कांयच आयकुपाचे ना. तुवे लोकाक सांगलें कित्याक. आता सगळे सामान रोखड्या रोखडें परत धाडून दी.

व्हनीबाय : आगो बाये, हांवे कोण्णाकच सांगूक ना. फक्त वावराडेक मात सांगिल्ली सगळी खबर

पूजा : आ! वावराडेक सांगिल्ली मगे? कळ्ळे कळ्ळें ! पाड पडिल्ली गांवभर सांगत सुटली आसतली(इतल्यान दारार बेल)
(आवय दाराकडेन वता तिका आडायत) हांव पळयता आता कोण आयला तो. धांवडायता एकेएकल्याक. (दार उगडून पळयल्यार पोस्टमन अजापान)

पोस्टमन : तार आसा तुमकां (सही करून कागद फुडें करता)

पूजा : तार कोणाची रे बाबा? (वाचता सही करून दिता आवयक) चल एक काम जालें.

व्हनीबाय : कोणाची गो तार?

पूजा : राजूची. तोच येता खंय गोंयात

व्हनीबाय : म्हजो राजू गोयांत येता? देव पावलो रे बाबा (तिज्या तोंडार हात धरून)

पूजा : वोगी राव बोवळ नाका. आता तू हांव सांगता तशें करतली.

व्हनीबाय : आयकता गो बाये. पुण तातून लिपोवपाचे कितें आसा?

पूजा : थंडसाणेन आयकय (म्हणून तिका भितर घेवन वता वतां कानात सांगता)

काळोख

तिसरें दृश्य

(कोंसेसाव, काकीबाय व्हनीबायगेर बसल्यांत. इतल्यान सीताबाय येता)

सीताबाय : व्हनीबायन तुमकांय आयलां काय कितें? कितें जालें कळ्ळा? ती मुंबय

कित्याक वचूंक नात?

कोंसेसाव : आमीय आताच आयल्यात. काकीबायन सांगला. आपूण आत्ता न्हां आयल्या, पूजा करून येतां आनी सारकें सगळे सांगता.

काकीबाय : म्हजो जीव सामको वयर-सकयल जाता. भानगड कांयच कळना

(इतल्या फातिमाय येता) तुमका तरी कळ्ळे? व्हनीबांय मुंबय कित्याक गेली ना?

काकीबाय : आगो, मात्सो सुशेग घे. आमीय तिजी वाट पळयतात. देवाची पूजा करु येतली. बस (ती बसता)

(इतल्यात व्हनीबाय भितरल्यान येता)

सगळी : व्हनीबाय कितें गोदळ जालो? आमचो जीव समको गळ्याकडेन पावला.

व्हनीबाय : तेंच सांगता. आयकयात काल सांजे आमी सगळे सामान सारके दवरु बसीत बसली एकलो पॅसेंजर येवचो आशिल्लो कितलोच वेळ जालो. काकीबा मागीर बस सुटच ना म्हाका मात्शें पोट बाफार जाल्लेभशेन दिसूंक लागलें म्ह सोद पिवंक आमी सकल देवलीं. थोड्या वेळान परत यो जाल्यार बस दिसन चवकशी केल्यार एकलो सांगता थंय आसतली दुसरो सांगता हांगा आसतलं तिळसांज जाल्ली मगे? काळखात सोदता म्हणसर वेळ गेलो?

सीताबाय : पोलीसांक कित्याक सांगले ना?

व्हनीबाय : विचाल्ले तो म्हणूंक लागलो ती बस तांच्या ऑफीसाकडेन रावता आनी मागी फुडें वता. आमी काळखात वाट सोदीत थंय गेल्यार बस तर नाच आनी ऑफीस बंद.

कोंसेसाव : म्हणजे सामान बसीन उल्लें आनी तुमी...

(इतल्यांन पूजा भायल्यान येता)

व्हनीबाय : आयलें गो बाय? किते पत्तो लागलो?

पूजा : (घाम पुशीत बसता) आगे ऑफीसात वचून विचाल्ले. ताणी मुंबयच्या ऑफीसात फोनय केलो. ते म्हणटात सामान काय मेळूंक ना. कोण घेवन गेलो कशे कळटलें?

सीताबाय : किलींडरान सामान दुसऱ्याक कशें दिलें?

पूजा : आगे काल तांची बस खंय मोडली म्हण ताणी दुसऱ्याली बस ऐन वेळार धाडली. त्या मनशानी कितें केलें ते आमी कशें सांगतले? अशे म्हणटकीच म्हाकाय वोगी रावचे पडलें.

सीताबाय : आरे देवा येदे व्हडलें बुयांवभर लोणचें कोण खातलो कोण जाणा म्हजोच वेळ

फाल्स

ककीबाय : तुगेले लोणचेंच गेले. हांवे रातभर लागून कमर मोडसर बसून पेत्रोलाचे लात भरून नेवऱ्यो केल्ल्यो. कोणाच्या पोटांत वतल्यो कोण जाणा! आवय गे (कमर सांसपीत) रातभर कमर सणसणटा सोसूं नज)

फातिमा : तू नेवऱ्यांचे घेवन बसल्या. हावें साकभर बरे जूनशे नाल्ल धाडिल्ले. आमगेल्या माडाचे तन्ने दिसले म्हण शेजारच्या भाटकाराच्या माडाचे चोरून काडिल्ले. अजून तो गाळी घालता खंय!

फ्रोसेंसाव :तुमी हांगा खबरी करीत किते बसल्यांत? चला, पोलिसेत केस करया.

सगळी : हय चलात आमी सोडटात काय कितें ताका फटींग खयचे... (उठून वतात)

सीताबाय : (वता वता) खंयच्या म्हुर्तारसामान धाडले कोण जाणा रावात तुमी. केसच घालता तुमचेर . (ती सगळी गेली अशें पळोवन)

पूजा : (आवयक पळोवन हांसता आनी ल्हव पावलानी वचून दार बंद करता.) केस घालात ना जाल्यार एकमेकाचे केंस बुड्डियात. आमी सुशेगाद बसून नेवऱ्यो खावया (आवयक फाटीक धरून धुकलत भितर व्हरता) चल, चल, म्हाका नेवऱ्यो खावपाची रूच आयल्या.

सोंपता

चक्रमासिंगाचो न्याय

पयलें दृश्य

(माचयेर एक ऋषी दोळे धांपून तपश्चर्या करता. फाटल्यातल्यान दोन शिस्य भितर सरतात. खांदार झोळयो. खूबशी भिक्षा घेवन आयल्यात.)

दोनय शिष्य : गुरूजी नमस्कार करता

ऋषी : (हळूच दोळे उगडून) श्री गुरूदेव दत्त! खुशालकाय परगटायत बरे खोशी दिसतात मरे दोगय.

एक शिष्य : गुरूजी पळयात तरी? आमी कितें कितें हाडला तें? तुमी पुसून अजाप पावतले. हांगा सगळे सामकें सवाय

दुसरो शिष्य : लोकय मायेस्त आनी गिरेस्त. गुरूजी आतां आमी ह्याच गावात रावया.

पयलो शिष्य : हय गुरूजी. हांव जाल्यार हांगाच रावतलों हांगा. न्हंयचे देगेर एक देऊळय आसा. आमका तपश्चर्या करूक बरो एकांतय मेळटलो.

ऋषी : हें पळयात, खंयचोय निर्णय ताकतिकेन घेवचो न्हंय. बरें चितून मागीर थारावचें. हुतहुतेपणाचो परिणाम बरो जायना.

दुसरो शिष्य : क्षमा आसची गुरूजी. आमी दोगांयनी चितूनच थारायला. आमी आता हांगाच रावतले. तुमीय हांगाच रावात.

ऋषी : आरे, पुण हांगचो राजा कोण? आनी ह्या गावाचे नाव कितें?

पयलो शिष्य : हांगाचे राजाचे नाव आसा चक्रमसिंग.

दुसरो शिष्य : आनी गावाचे नाव आसा गोंदळगिरी.

ऋषी : कितें? आमी त्या हुतहुत्याच्या राज्यात आयल्यात? आनी वेल्यान हांगाच रावया म्हणटा हांव आनीक एक खीण पुसून हांगा रावचो ना. चला, चलात. तुमीय येयात.

दोगय : तशें भंयाचे कांयच ना गुरूजी. आमी हांगाच रावतात. तुमीय रावात आमच्याबरोबर.

ऋषी :पळयात, मागीर पश्चात्ताप पावतले. म्हजे आयकयात.

दोगय : (दोगय हात जोडून) तुमचो आशीर्वाद आसल्यार कांयच भंय ना गुरूजी. कांय काळ तरी आमका हांगा रांवक आज्ञा दियात.

ऋषी : बरें! हांव तुमका आनीक आडायना. पुण केन्नाय कसले संकट बी आयल्यार म्हाका उलो मारात. हांव रोखडोच पावतलो तुमकां तुमचो अणभवच तुमकां खरें गिन्यान दितलो.

दोगय : तुमी कांयच हुस्को करिनात गुरूजी. आमकां आशीर्वाद दियात (दोगय पाया पडटात.)

ऋषी : बरें. सांबाळून रावात. जय गुरूदेव दत्त!

दुसरें दृश्य

(राजा सिंहासनार बसला. दोनय वटेन दासी वारो घालतात. म्हन्यात मंत्री बसला.) (इतल्यात एक कुळंबी येता. वालो न्हेसला. हातात बडी खांद्यार कांबळ)

पेद्रू कुळंबी : घात जालो म्हाराज! साप्प नागवलों हांव. न्याय करात म्हाराज.

मंत्री : खामोश! किळच्यो कित्याक मारता रे? कितें जालां ते सारके थंडसाणेन सांग.

पेद्रू कुळंबी : म्हाराज त्या शाणूभटाल्या घराची वणत कोंसळ्ळी आनी म्हजी बोकडी मेली. त्या बोकडेच्या आदारान हांव म्हजो घराबो चलयतालो म्हाराज. आता म्हजी बायल-भुरगी उपाशी पडटली. म्हाराज न्याय दियात.

राजा : कितें म्हणटा? भटाल्या घराची वणत कोसळून तुजी बोकडी मेली? शिपाय, आत्ताच आता शाणुभटाक दरबारात हाजीर कर.

शिपाय : हो पळय चल्लों म्हाराज. आत्ताच्या आता हाडटा ताका.

म्हाराज : बशिल्लेकडेन दुसऱ्याची बोकडी मारता? राव तुका दाखायता. (कुंळब्याक) पुण तुवे तुजी बोकडी ताज्या घराकडेन शी बांदली रे?

कुळंबी : ताज्या घराकडेन बांदूना म्हाराज, म्हज्याच घराकडेन बांदिल्ली. आमची घरां तेकून तेकून आसात. (इतल्यान शिपाय भटाक धरून ओडीत हाडता. भट मोठ्यामोठ्यान किळांच्यो मारीत येता.)

शाणूभट : क्षमा करात म्हाराज. हो पेद्रू सामको फटींग. हावें बोकडी माल्ली ना म्हाराज (पायार तकली दवरून) पाया पडटां म्हाराज. हांव देवाचो मनीस. हांव बोकडी कुकड खावपी मनीस न्हंय. कोणाकय विचारात.

मंत्री. : चूप! बोवाळ नाका. तुजी वणत कोसळून ताजी बोकडी मेल्या.

राजा : म्हाराजा चक्रमसिंगाचो दरबार आसा हो. न्याय जांवकच जाय (मिशी पिळटा)

शाणूभट : पूण म्हाराज हांवें घर बांदपाचें काम सुकड्याकडेन दिल्लें

राजा : कोण रे तो सुकडो? खरें सांगता मरे तू?

शाणूभट : खऱ्यानीच म्हाराज. सुकडो गंवड्यान म्हजें घर बांदला. आता ताणे घर सारकें बांदूक ना ताका हांव किते करूं? म्हजो कायच गुन्याव ना म्हाराज!

राजा : अशें? बरें बरें (शिपायाक) सोड रे ताका आनी त्या सुकड्याक धरून हाड. (शिपाय वता शाणूभट म्हाराजाक नमस्कार करता)

मंत्री : वणत बांदपाक दिल्ले पैशाचो सोरो पियेला जातलो.

राजा : हांव सोडटा ताका? रोखडोच सोरो देवयता. सारको जाग्यार येतलो. (इतल्यान शिपाय सुकड्याक घेवन येतात)

सुकडो : सायबा भोगस म्हाका! म्हाराज म्हजी कांयच चूक ना. (म्हाराजाचे पायार घालून घेता)

मंत्री : ए, चड शाणेपणा नाकात. तुवें शाणूभटाचे घर बांदला मरे? ताजी वणत कोसळून पेद्रूची बोकडी मेली. वेल्यान भोगस म्हणटा?

सुकडो : म्हाराज, म्हजी कायच चूक ना. हावें सारकें बांदला घर. पुण शिमिट तयार करतल्यान रेंव चड आनी शिमिट उणे घाल्यान वणत कोसळ्ळी जातली. खरेंच सांगता म्हाराज. म्हाका न्याय दियात. (परतो पायार तकली दवरता)

राजा : अशें? शिमिट कोणे कालयल्लें रे?

सुकडो : फोंडू मानायान म्हाराज.

राजा : फोंडू? कोणरे तो? खंय रावता?

सुकडो : (मोठ्या खोशेन) आमच्या थंय लागीच रावता म्हाराज. आसत्यांत फटींग मनीस.

राजा : शिपाय सोड हाका. त्या फोंडूक धरून हाड (शिपाय वता)

सुकडो : बरी खर ख्यास्त मेळूंक जाय ताका.

मंत्री : तें आमी पळयतात. चल तूं.

सुकडो : देव बरें करूं म्हाराज (धांविल्याभशेन वता इतल्या शिपाय फोंडूक धरून हाडटात)

फ़ोंडू : आरे देवा! त्या सुकड्यान म्हजो घात केलो म्हाराज. (पायार पडटा)

मंत्री : उठ पयलो. काम सारके करना आनी वेल्यान बोवाळ करता? त्या पेद्रूची बोकडी मारली मरे तुवे? भोग आता ख्यास्त.

फ़ोंडू : म्हाराज- हावे शिमिट सारकें तयार केल्लें. वणतय सारकी बरी बांदिल्ली. पुण त्या शेंवतून उदक सारके घालें ना जातले. देखून ती रोखडीच कोसळ्ळी.

मंत्री : पळयले म्हाराज? ओगीच त्या बाबडेचे नांव घेता.

फ़ोंडू : देवाच्यान म्हाराज शिमिटाचे काम सोपतकूच ताचेर बरे उदक मारूंक जाय. म्हाराज म्हजी कांयच चूक ना.

राजा : कोण रे तें शेंवतू? शिपाय त्या शेंवतूक धरून हाड. (शि. वता)

फोंडू :(फोंडू खोशी जावन राजाक) तुमका सदाच जैत मेळूं म्हाराज!

राजा : हाचें फुडे आपलें काम जिस्तात जिस्त जांवक जाय. समजले मरे?

फोंडू : हय सायबा. येता. (इतल्यात शिपायक शेंवतूक धरून हाडटात)

शेंवतू : आपलें हात सोडयत) शी, बुरशे खंयचे! म्हजो हात धरतात? म्हाराज ह्या फटिंगानी म्हाका वोगीच धरून हाडला. (शिपाय ताका धरून पळयता) ए, सोड रे म्हाका.

मंत्री : आगे, बोवाळ कित्याक करता गे? त्या पेद्रूची बोकडी तुवें माल्ली. म्हणटकीच तुका ख्यास्त जांवकच जाय.

राजा : राजा चक्रमसिंगाचो दरबार आसा हो! गुन्यावकारी केन्नाच सुटना. न्याय जावकंच जाय.

शेवतूं : देवा तूं पाव! हांवे बोकडी माल्ल्या? आमी बोकडीय खायनात आनी कोंबीय खायनात म्हाराज. हांव वोगीच कित्याक मारतली? हे फटींग. हाणीच मारून खाल्या जातली.

शिपाय : एक थापट उडयतलो. चड बडबड करूंक लागल्या.

राजा : आगे, शाणूभटाल्या घराच्या वणटींक तुवें उदक घालां मगे? तुवें उदक सारके घालू ना देखून वणत कोसळून पेद्रूच बोकडी मेली. गुन्यांवकारी दादलो आसूं वा बायल, ख्यास्त दिंवकच जाय. शिपाय, व्हर तिका आनी कादयेंत दवर.

शेंवतू : देवा सायबा! कादयेंत? म्हाराज पुण म्हाका ख्यास्त कित्याक? दिवपाची

जाल्यार त्या पोपटलाल सावकाराक दिंवक जाय.

राजा आनी मंत्री : पोपटलालाक? ताणें कितें केलां?

शेवंतू : तेच तर सांगूक सोदतालें हांव. म्हजी कांयच चूक ना. हांव बऱ्या भशेन म लावन वणटीर उदक घालतालें. कांय वेळातच पोंपटलालाच्या धुवेच्या लग्नाच व्हकल-पावणी वताली. सगळ्यो बायलो बऱ्यो वस्ती-बिस्ती घालून, नवीं नव झगझगीत कापडां न्हेसून नटून-थटून वतालीं. व्हकलेक तर इतल्यो वस्त घाल्यो सामकें नखेत्र कशी चकचकताली. हांव सगळ्यांक पळयत उल्लें म्हुण उदक इल्लें उणे पडलें जायत. म्हजो कांय गुन्यांव ना म्हाराज.

मंत्री : खरी तुजी म्हणणी.

राजा : शिपाय, आत्ताच्या आता त्या पोपटलालाच्या धुवेक धरून हाडात (शिपाय फाटी-फुडे जाता ते पळोवन) चल म्हळें न्हंय? भिता रे सावकाराक?

शिपाय : पूण, म्हाराज, ताजी धूव आपल्या घोवागेर गेली. तिका कशी हाडूं?

राजा : हां! तेंय खरें तुजे. तशें जाल्यार त्या पोपटलालाकच धरून हाड. बोकडी मेल्या. न्याय जावकंच जाय. धांव मार!(शिपाय वता)

शेंवतू : म्हाराज ताजे बायलेन तर इतले भांगर घाल्ले? सांगता म्हण रागार जायनाका. राणयेकडेन पुसून इतलें भांगर नासतलें.

राजा : अशें? बरो नागयता जातलो लोकाक. येंवदी ताका. सारकी बुद्द शिकयता. (इतल्यान शिपाय पोपटलालाक धरून हाडटा.)

पोपटलाल : म्हाराज म्हाका क्षमा करात. (सामको कडकडटा)

मंत्री : ए ओग्गी राव. लोकांक नागयताना बरे दिसता मरे

राजा : हें पळय,आता आनी वेळ काडिनाकात. हाका व्हरून फासार मारात (इतल्यात ताज बायल कपल बडयत येता)

पोपटलाल : (तिका पळोवन) पळयले मगो? राजा म्हाका फांसार चडोवक सोदता. तरी तुका सांगतालो. इतली भांगरा घालीनाका. दिष्ट बी लागत.

बायल : कसले 'फुटके नशीब रे देवा!' म्हाराज म्हज्या घोवान कितें चूक केल्या? ताका फांसार मारल्यार हांव कितें करतली? म्हाराज क्षमा करात. दया करात म्हाराज.

राजा : व्हरात रे ताका. चडयात फांसार. (मोठ्यान हांसता) शिपाय पोपटलालाक व्हरतात -

पोपटलाल : (फाटल्यान तिका पळयत) - म्हाराज मेरी बीबी --- (परत)

पोपटलालाची बायल - म्हाराज मेरे पती --- (परत)

काळोख जाता

तिसरें दृश्य

(झाडापोंदा दोगय शिश्य बसून भिक्षा खातात)

एकलो शिष्य : गुरूजीन आमकां वोगीच भेष्टायलें न्हंय रे?

दुसरो : हो गांव कितलो सुंदर. लोकय बरे. ही मिठाय दिल्या ती कितली रूचीक न्हय? असलें जेवण आमच्या जीणेक केन्नाच मेळूंक नाशिल्ले.(इतल्यान दोन शिपाय लिपत लिपत तांच्या फाटल्यांतल्यान येतात. आनी तांतल्या आंगान मोठो आशिल्ल्या शिष्याक घट धरून)

एक शिपाय : बरो सापडलो. घट धर रे हाका.

दुसरो शिपाय : उठ उठ खावन पळय कसो बल्ल जाला. चल राजान आपयला तुका (ताका ओडीत भितर व्हरपाचो यत्न करतात. पुण तो कसोच येंवक तयार ना)

शिश्य : अरे! अरे! म्हाका कित्याक धरतात? हांव तुमचे राजाक वळखपुसून ना. तो कित्याक आपयतलो म्हाका?

दोग शिपाय : तूं चल पयलो. मागीर सगळे कळटलें तुका (तो फाटी सरता)

शिश्य : वोगीच कित्याक येंव? सांगात तरी कित्याक आपयलां तें.

एक शिपाय : हें पळय, चड सुबेजपणा नाकात. राजाची वॉर्द आसा. ती तुका मानचीच पडटली.

दुसरो : आंगान मोटो आशिल्लो मनीस सोदून आमी सामके जाम जाले. तुका राजान फांसार चडयलो काय आमी सुटले.

शिश्य : किते म्हळें? राजा म्हाका फांसार चडयतलो? कित्याक? तुमी म्हजी फकाणां बी करतात काय कितें? सारके सांगात पळोवया ?

शिपाय : आयक तर. आमच्या गांवच्या पोपटलालाक फांसार चडवपाचो आशिल्लो पुण तो जिवान सामकोच बारीक. ताज्या गळ्याक फांस सारको लागना जालो. राजान सांगलां, बोकडी मेल्या, न्याय जांवकच जाय. ताका फांसार चडंवक जायना जाल्यार मोठयाशा मनशाक फासार चडयात.

शिश्य : आरे म्हज्या कर्मा! कसल्या राजाच्या राज्यांत पावले रे बाबा आमी? (दुसऱ्या वांगड्याक) आता कितें करपाचे रे बाबा?

दुसरो शिश्य : आमी गुरुजीचे स्मरण करया. (दोळे धापतात),

शिश्य : गुरूजी, गुरूजी म्हाका फासार चडोवंक व्हरतात. गुरूजी धांव मारून येयात म्हाका वाटयात गुरूजी !

दुसरो शिश्य : गुरूजी आमची चुक जाली. आमी क्षमा मागतात (दोगय) गुरूजी ?(इतल्या एकेवटेच्यान गुरूजी येतात.)

गुरूजी : जय गुरूदेव दत्त ! (दोगय शिश्य धावत वचून ताच्या पायार तकली दवरून

शिश्य : गुरूजी, हांवे हाचें कायच वायट करूंक ना. हे वोगीच म्हाका फासार चडोवं व्हरतात. गुरूजी म्हजें प्राण वाटयात.

गुरूजी : जय गुरूदेव दत्त ! हांवे तुमका पयलींच सांगिल्ले हुतहुतेपणान कसलोच निर्ण घेवचो न्हय. सारके बरे चितून थारावंक जाय.

शिश्य : पुण गुरूजी ....

गुरूजी : कांयच भिनाका. हांव पळयतां कितें करपाचे तें. असो हांगायो (ताज्या कानां कितें तरी सांगिल्ले भशेन करता. शिश्य खोशी जाता इतल्यान राजा, मंत्री आनी दोन शिपाय येतात)

शिपाय : म्हाराज हो पळयात. तुमका जाय तसलो मोटो मनीस आमी धरला.

गुरूजी : म्हाराजाचो विजय आसूं! म्हाराज हांवय मोटोच आसा. तुमी म्हाकाच फांसार चडयात.

शिश्य : (म्हाराजाक) ना, ना म्हाराज, तुमी म्हाकाच फांसार मारात (सगळे अजाप पावतात.)

गुरूजी : नाका म्हजे पुता. म्हजे आयकय हांव आता जाण्टो जालां. हांवच फासार वतलो.

मंत्री : म्हाराज, ही आनी कसली नवीदाद?

राजा : तुमी दोगय मोठ्या उमेदीन फासांर वचूंक सोदतात. फांसार चडप म्हळ्यार कितें तें तरी कळटा तुमकां?

गुरूजी : बरेऽ भशेन

राजा : म्हणजे तुमी दोगय मरूंक तयार आसात? कित्याक पिशार पडल्यात काय कितें तुमी?

गुरूजी : म्हाराज ताजे कितें आसा? आयचो दीस आनी तांतूत ही वेळ फांसार वचूंक सामकी बरी. आता जो कोण फांसार वतलो तो सामको सर्गार वतलो. म्हणून

म्हणटां तुमी म्हाकाच फांसार मारात.

दोगय शिपायः तशें आसत जाल्यार आमी नात तर? म्हाराज, हांव फांसार वचूंक तयार आसा.

मंत्री : ना, म्हाराज हांव जितो आसतना हे शिपाय सर्गार वतले? हांव चडटा फासार (सगळे मेळून बोवाळ करतात.)

राजा : म्हणजे खऱ्यानीच आता पांसार वचपी मनीस सामको सर्गात वतलो? तर मागीर रोखड्या रोखडे तयारेक लागात.

मंत्री : शिपाय मेळून - कसली तयारी म्हाराज?

राजा : कसली म्हणजे? हांव आसतना तुमी सर्गार वतले? म्हाका फांसार चडोवपाची रोखड्या रोखडी तयारी करात. चलात चलात आनी वेळ वोगडायनाकात. (राजा वता, फाटल्यान मंत्री आनी ताच्या फाटल्यान शिपाय वतात. इतल्यान खूबशे लोक माचयेर येवन) राजा चक्रमसिंगाचो विजय आसू. (परते तेच म्हणत दुसरे वटेन वतात.)

सोंपता

अविचाराचो परिणाम

(राजा विक्रमसिंहाचो दरबार. सगळे म्हाराजाची वाट पळयतात. इतल्यांन प्रधानमंत्री ताकतिकेन धांपेत भितर सरता आनी म्हाराज सिंहासनार ना तें पळोवन जिवात जीव आयिल्ल्याभशेन हावभाव करून खोस परगटायता)

प्रधानमंत्री : म्हाका दिसले म्हाकाच वेळ जालो बरें जालें बाबा, म्हाराज येवचे पयलींच हांव पावलो

सरदार : म्हाराज ह्या दिसांनी दरबारात वेळार येनात, सदाच उबगल्ले भशेन, निर्शेल्ले भशेन दिसतात. तुमच्याय नदरेंत आयल्या ही गजाल?

दुसरो सरदार : प्रधानमंत्र्याकच कितेंय खबर आसल्यार आसत बाबा. म्हाराजाच्यो सामक्यो भितरल्यो गजाली आनी कोणाक खबर आसच्योना.

प्रधानमंत्री : हाचे कारण म्हाका खबर नासलें तरी तुमी म्हणटात ते मात म्हज्याय नदरेंत आयलां. ते सदांच उमेदी दिसताले.आता मात ताची रयाच गेल्या (इतल्यान भायल्यान आवाज).

शिपाय : होशियाऽऽऽर! गोंदळपुरचे म्हाराज श्रीमंत व्रिकमसिंग दरबारात हाजीर जाताऽऽऽत. होशियाऽऽऽर! (म्हाराज दरबारात येवन आपल्या आसनाचेर बसतात. सगळे उठून उबे रावतात.)

सगळे : म्हाराजाधिराज विक्रमसिंगाचो जयजयकार आसू.

म्हाराज विक्रमसिंग : बसात, बसात. प्रधानमंत्री, सगळेकडेन खुशालकाय आसा मूं? सगळी प्रजा सुखी मूं? कोणाची तक्रार बी आयल्या?

प्रधानमंत्री : क्षमा आसची, म्हाराज! म्हाका कसलीच चिंता ना. पुण हालीं म्हाराज सदांभशेन उमेदी दिसनात. तुमकां कसली चिंता बी सतायता काय तें कळूना, हीच आमची अडचण.

हाराजं : तुमी बरोबर ताडलां. खरे सांगू प्रधानजी, सद्दा तेंच तेंच काम, त्योच्च कागाळी, तींच झगडी, त्योच लडायो, झुजां ह्या सगळ्यांचो वाज आयला म्हाका. खंयच्याच राजान केली नासत अशी कसलीय नवी येवजण, नवें काम प्रजेखातीर करचें अशें दिसूक लागलां म्हाका जेणे करून आमच्या राज्याची नामना चारय दिकानीं पावतली, पुण कांयच सुचना म्हाका.

क दरबारी : इतलेंच मूं? म्हाराज, सगळे मेळून चितुया. पूण पयली मनाक उमेद दिसत, सगळ्यांनी मना प्रसन्न जायत अशी एखाद्री कार्यावळ करची अशें म्हाका दिसता.

दुसरो सरदार : एखाद्या नर्तिकेचो नाच नाजाल्यार गायकाचे पद बी दवरल्यार कशें जायत?

दुसरो सरदार : म्हाराज, हालीच एक गायक आमच्या गावात आयला. ताजी किर्त सगळ्याक फांकल्या. तो आपणाक हवाई गंधर्व मानता अशें म्हणटात. दरबारात ताजी मैफल दवरल्यार सगळें वातावरणच उमेदीचे आनी खोशयेचे जातलें.

म्हाराज : तुमची कल्पना बरी आसा. पद आयकल्यार खूब दीस जाले. प्रधानमंत्री गायकाची खबर काडून मैफलीची वेवस्था करात. जमत जाल्यार आयज रातचीच करया.

प्रधानमंत्री : जशी म्हाराजांची आज्ञा. आत्तांच चवकशी करतां.

म्हाराज : आनी कितेंय ताकतिकेचें काम नासत जाल्यार आयचो दरबार हांगाच सोंपवया. म्हाका मात्शे पुरो जाल्यावरी दिसता. बरें रातचे मेळया.

सगळे : जशी इच्छा म्हाराज! (सगळे उठून उबे रावतात. म्हाराज वतात)

दुसरें दृष्य

(दरबारी बसल्यात म्हाराज सिंहासनार बसल्यात. इतल्यान सेवक येवन)

शिपाय : महाराजाचो विजय आसूं. म्हाराज, हवाईगंधर्व दरबारांत येवपाच्या आज्ञेची वाट पळयतात.

म्हाराज : अशें? आपय, आपय, तांका (शिपाय गायकाबरोबर दरबारात येता)

हवाई गंधर्वः महाराजाचो विजय आसूं. सेवकाची याद केल्ली म्हाराज?

म्हाराज : येयात, (खास म्हन्यांत दवरिल्या आसनाकडेन हात दाखोवन) बसात हवाई गंधर्व, तुमच्या आगमनान आमच्या दरबाराची सोबा वाडली. रातची तुमची मैफिल खूबच सुंदर जाली. सगळे गांवकारी तुमची तुस्त करतात खंय. प्रधानमंत्री, हवाई गंधर्वाचो फावतसो सन्मान करचो.

हवाई गंधर्व : म्हाराज, तुमका खोस दिंवक शकलो होच म्हजो सन्मान. तुमची कृपा

आसल्यार आनी कितें जाय?

म्हाराज : तरी पुसून तुमची अशी खाशेली कसलीय इत्सा आसत जाल्यार सांगचे. रोखडीच पूर्ण करपाचे उतर हांव दिता.

हवाई गंधर्व : म्हाराजाचो जयजयकार आसूं. एकच ल्हानशी इच्छा परगटायतां.

म्हाराज : सांगात, सांगात हवाई गंधर्व, अनमनू नाकात. तुमच्या सारख्या म्हान गायकाच इत्सेचो सन्मान जावकच जाय.

हवाई गंधर्व : गायन ही आमची खूप पोरनी आनी म्हत्वाची परंपरा. तुमच्या दरबारात न्हंय तर तुमच्या सगळ्या राज्यातल्या समस्त प्रजेक गायनाची वळख जावची,तांव गायनाची गोडी लागची अशी कसलीय तरी नवी येवजण सुरू करची अशी म्हज ल्हानशी इत्सा आशिल्ली.

म्हाराज : बेस बरे सांगलें तुमी. हांवय ह्या दिसानीं म्हज्या राज्यांत कसलीय तरी एव नवी येवजण सुरू करपाचे चिततालो, जेणे करून म्हज्या राज्याची आनी म्हज नामना सगळ्या हिंदुस्तानातय न्हंय तर अख्ख्या दुनियेत पावतली (प्रधानमंत्र्यांक) प्रधानमंत्री, हवाई गंधर्वाचो फावो तसो सन्मान करून तांक दरबाराचो मानक गवय म्हुण नेमचो.

प्रधानमंत्री : जशी म्हाराजाची इत्सा.

म्हाराज : आनी एक काम आसा.

प्रधानमंत्री : हुकूम दिवचो म्हाराज!

म्हाराज : आत्ताच्या आतां शिपाय धाडून राज्यातल्या सगळ्या लोकांक कळीत करचे की, म्हाराज विक्रमादित्यान फर्मान काडलां की, आयजसावन आपलो सगळ वेव्हार गायनातच करचो.

प्रधानमंत्री :क्षमा आसची म्हाराज. म्हाका सारके समजूंक ना.

म्हाराज : लोकानी आयच्यान सगळी कामा पद्यातच करची. उलवप पदानीं, झगडप पदानीं, रडप आनी सगळी भासाभास पदांनीच करची. जो कोण हो कायदो मोडटलो ताका खर ख्यास्त भोगची पडटली.

सगळे : म्हाराज! पुण ...

म्हाराज : आता पूण - बीण कांय ना. हुकूम म्हणचे हुकूम. हावें हवाई गंधर्वाक उतर दिलां. गवयाचो मान जांवकच जाय. संगीताचो रस्पेत वाडूंकच जाय. चला, बेगी बेगीन फर्मान काडात.

प्रथानमंत्री : जशी म्हाराजांची इत्सा. (सगळे भिल्लेभशेन आनी अजापान पळयतात).

हवाई गंधर्व : महाराजाधिराज विक्रमसिंहाचो विजय आसूं.

संगीताची उदरगत जांव.

गोंदळ पुरीच्या म्हाराजाचो जयजयकार आसूं.

तिसरें दृष्य

(राजाचे दोन-तीन शिपाय एकलो वाजयता आनी दुसरो फार्मान सांगता).

पयलो शिपायः ढुम, ढुम, ढुम ..... आयकात रे आयकात - ढुम ढुम, ढुम, ढुम, (कितलेच लोक-बायलां, दादले, भुरगी एकठांय जातात)

दुसरो शिपाय : आयकात रे, आयकात गोंदळपुरीचे महाराजाधिराज राजा विक्रमसिंगान फर्मान कळित केलां की, आज सावन गांवच्या सगळ्या लोकांनी आपलो वेव्हार गायनातच करचो.

लोक : (मोठ्या अजापान आनी भिवन) कितें?

एकलो जाण्टेलो : म्हणजे कितें करप रे बाबा?

शिपाय : आयच्यान तुमची सगळी कामा पद्यात जांवक जाय. विचारप, जाप दिवप, उलवप, झगडप, रडप, सगळें गितां गावनच करपाचें जो कोण कायदो मोडटा ताका खर ख्यास्त मेळटली.

(पयलो शिपाय - ढुम,ढुम,ढुम,ढुम, वाजयत रावता. थोड्या वेळान फुडें वता. लोक सामके भिवन तांचे फाटल्यान वतात)

चौथें दृश्य

(माचयेर एक भुरगो एकवटच्यान धांवत दुसरे कडेन वतना आवय ताजे फाटल्यान धावन ताका धरता.)

भुरगो : हांव पदानी उलोवचो ना म्हळ्यार उलोवचो ना. ना म्हळ्यार ना. (आवय आडावन तोंडार धरता)

(न्हीद म्हज्या बाय, धोल म्हज्या बाय, पीपी हाडटलो पाय ह्या गीताच्या चालीर)

आयक म्हज्या शाण्या, न्हीद म्हज्या गुण्या
हट्ट करिनाकाय, धरूंक भोंवतात शिपाय
फर्मान सोडलां रायान, येवन सांगला शिपायान
जो कोण हुकुम मोडटा, रायाकडे वायटपण जोडटा

धरूंक येतात शिपाय
आयक म्हज्या शाण्या, न्हीद म्हज्या गुण्या (भुरग्याचे माथे सासपिता आन
मांडयेर न्हिदयता
आमी आसा गरीब, पाय तुजो हातुळणार
आमकां ना कोणाचोच आदार
सांबाळून रावया, सांगता तें आयकुया
ना दुसरो कसलोच उपाय
आयक म्हज्या शाण्या, हट्ट करिनाकाय गुण्या,
धरूंक भोंवतात शिपाय
(भुरगो आवयचे मांडयेर न्हिदता. ताका उकलून भितर व्हरता)
(थोड्या वेळान घोव आनी बायल झगडत येतात. घोव सोरों पिला)
(हांव सायबा पलतडीं वैता ह्या गिताच्या चालीर)

बायल : हांव सायबा बाजारात वैता, रामूल्या मांडार वैता
म्हाका सायबा दुडू दी, म्हाका सायबा पागच पडूंक ना
भुरग्यांली वखदां हाडटा,
जेवणाचे सामान हाडटां,
बेगिबेगीन रांदून वाडटां, म्हाका सायबा कामाक वचूंक जाय

घोव : दुडू किते झाडाक लागता?
दिता दिता तो खंय गे मोडटा?
रात-दिस हांव कष्टान काडटा
तुका काकुट माय दिसना
पैशे मागूंक लजय दिसना

(अरे संसार संसार जसा तवा चुल्यावर ह्या चालीर)

बायल : आरे संसार संसार
सगळो भार म्हज्या हड्ड्यार
सोऱ्यान केलो संसार पिड्ड्यार
शेकड्यांनी रीण गा खड्ड्यार
आरे संसार संसार, सगळें वोजे म्हज्या माथ्यार
आधाराक ना इल्लोय घरकार

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001048

हांव सायबा पलतडी वैता
वचुन म्हज्या कुळारा रावतां
तुजी आनी सगत नाका
तुजें म्हजें कशेंच जमचेना.

अशे म्हणून रागान दुसरे वटेन वता. फाटल्यान घोवय तोल सांबाळत ल्हव-ल्हव करून वता आनी वतना

ग्रोव : वता जाल्यार वच गे सुशेगाद
म्हाकाय हांगा पिवंदी सुशेगाद
भुरगी जोडीत, भुरगी खायत
ती कशीय व्हडली जायत
म्हाका नाका तांची चिंता बाय.

इतल्यांन दोन शिपाय लिपून लिपून ह्या वाटेन, त्यावटेन पळयत चोरून एकामेकांकडेन उलयत येता.

शिवदास : (हांगा थंय पळयत) लागसार कोण दिसना मरे? (परत दुसरे वटेन पळयता) (कोण आयकना मरे?

रामदास : (कोनशाक वचून पळोवन येता) ना सायबा, कोण ना. उलय तूं

शिवदास : ना जाल्यार लोकांक धरून ख्यास्त दिता दिता आमकाच फांसार वचचे पडत. आरे रामदास, ह्या पदा म्हणपाच्या फर्मानान लोकांचेर पिशार पडपाचो वेळ आयला मरे? प्रजा बाबडी सामकी विटून गेल्या.

रामदास : म्हाकाय काकुळट दिसता रे सगळ्यांची. पुण आमकां आमची शिर्वीस जाय न्हंय रे?

शिवदास : प्रजाच गेल्या विटून? आमचे कानय गेले किटून. आरे, इतल्या लोकांक आमी ख्यास्त भोगयल्या तें पाप बशिल्लेकडेन आमचे माथ्यार न्हंय रे?

रामदास : न्हंय तर कितें? राजा सुशेगाद वतलो सर्गात, आनी आमी गरज नास्तना नरकांत. शी रे बाबा लोकांचेर पाळत दवरून जीव काबार जालो.

शिवदास : देवा, कसोय करून सोडय रे ह्या जंजाळातल्यान.

रामदास : (मोठ्या खोशेन) ए भानू आमी कितेंय पुण उपाय सोदून काडून राजा आपले फर्मान फाटी घेत असो बंदोबस्त करूंक जाय.

शिवदास : म्हज्याय मनान तोच विचार चल्ला. कितले दिस जाले येवीजता. पुण कांयच

सुचना.

रामदास : (ताका लागी ओडटा, आनी ताज्या खांदार हात दवरून ताका सम
दिल्याभशेन हातवारे करीत एका वटच्यान दुसरे वटेन व्हरता)

पाचवें दृश्य

राजाचो दरबार राजा सिंहासनार बसला. म्हऱ्यांत दोनय वटेन सरदार बसल्यात. इतल्यान मोठ्या ताकतिकेन, दुःखी तोंड करून दरबारात येतात

रामदास : लय धरून गायता महाराज? महाऽऽऽऽराज. (प्रत्येक वेळार हो शब्द लांबयत आनी तोडून म्हणप.) महाऽऽऽऽ राज.

भानुदास : कशें सांगू तुमकां? कितें सांगू तुमकां?
सत् सांगता तुमका अभय दिवशात आमका?

रामदास : महा ऽऽऽ राज, महा ऽऽऽ राज,
भंय दिसता आमकां, ख्यास्त भोगत आमकां
सत् सांगता तुमका, जर अभय दिवशात आमका
महाराज महाऽऽऽराज

दोगय : महाराज महाऽऽऽराज

म्हाराज : संकट कसलें आयला? (चालीर म्हणटा)
तुमी न्हंय रे बायलां
अशे भितात कित्याक?
भंय धरूं नाकात वेळ काडू नाकात
सांगा, सांगात बेगिन, उपाय काडटां सोदून
संकट कसलें आयलां, तुमी न्हंय रे बायलां,
अशे भिऊ नाकात, धीर सोडू नाकात
वेळ काडू नाकात

शिवदास : महाराज महा ऽऽऽ राज

रामदास : उजो पालवप कसो? तुका सोडवप कसो
उजो पालवप कसो? तुका वाटावप कसो
कायच कळना आमकां, कशें सांगू तुमकां?
भंय दिसता आमकां, कसो समजाव तुमका, महाराज? महाऽऽऽ राज

राजा : घात जालो म्हणटा, उजो दिसलो म्हणटा,

हांव फसलो कसो? म्हाका दुबाव मारता
उजो पालयनास्तना बेश्टी बातमी दिता?
असो कसो असो? तू सामकोच पिसो?

भानूदास : महाराज महा ऽऽऽ राज
घात जालो खरो, उजो लागलो खरो
म्हाल जळ्ळा तुमचो, लागला फाटल्यान उजो
घात जालो मोठो, गावात उदकाचो तोटो

राजा : कितें? (मोठ्या अजापान आनी रागान)

रामदास : घात जाला मोठो, गावात उदकाचो तोटो फाटल्यातल्यान लागला उजो, म्हाल जळला तुमचो

दोगय : महाराज. महा ऽऽऽ राज.

म्हाराज : कितें म्हळें? म्हज्या म्हालाक उजो लागला? आनी तुमकां पदां येवजतात? प्रधानमंत्री, आत्ताच्या आत्ता ह्या दोगांकय फांसार चडयात.

प्रधानमंत्री : पूण म्हाराज?तुमीच फर्मान काडिल्ले. तुमची आज्ञा ---

राजा : आरे, आज्ञा आनी हुकूम गेलो फोणांत. म्हालाक उजो लागला आनी तुमी गितां गायतात? प्रधानमंत्री, पयली उजो पालोवपाची वेवस्था करात.

प्रधानमंत्री : जशी आज्ञा महाराज. (रामदास आनी शिवदासाक) रामदास., शिवदास आत्ताच्या आतां सगळ्या राज्यांत भोंवन फर्मान कळीत करात, आजपासून पदां बंद. जो कोण पदानी उलयतलो ताका फांसार चडवपाची खर ख्यास्त भोगची पडटली. चलात बेगीन. सगळे व्हडा खोशेन - महाराज विक्रमसिंगाचो विजय आसूं.
महाराज विक्रमसिंगाचो जयजयकार आसूं
विक्रमसिंग झिंदाबाद, अविचार करता घात.
विक्रमसिंग झिंदाबाद, अविचार करता घात.

सोंपता

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore

No:

Acc. No :

Issued on	Borrower's No. and Signature	Returned on
		1048 Dt: Dec MAN

A

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE : नाट्यलंवर
(एकांकी संग्रह)
Natyachanvar

KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D.K.

No. ______________

Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.

Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK FRESH & CLEAN

मंगल नाडकर्णी ह्यो निवृत शिक्षीका.
सुमार ३६ वर्सांचो तांचो विद्यादानाचो अनुभव.
ताका लागून भुरग्यांचें भावविश्व तांकां बरें होलमलां.
ताच्या आदाराचेर ताणी कितलीशींच कोंकणी-मराठी
नाटकुली बरोवन विद्यालयीन रंगमाचयेर यशश्वीतरेन
सादर केल्यांत. बायलांचे उदरगतीखातीर वावर करपी
भारतीय स्त्री शक्ती संघटनेच्या गोंय फाटयाच्चो त्यो
अध्यक्षा. 'नाटयचंवर' हो तांच्या नाटकुल्यांचो
पयलोच संग्रह. विद्यालयीन रंगमाचयेची गरज
वळखून ताणी हें पुस्तक उजवाडायलां. तातून
पारंपारीक विशयांवांगडाच बदलत्या काळांत
निर्माण जाल्लया प्रश्नाचेर उजवाड घालपी एकूण
१० नाटकुल्यांचो आस्पाव आसा. ह्या संग्रहाक
बरो येवकार मेळटलो अशी आस्त आसा.

संजीव वेरेंकार